मयुरी

सौ. ज्योती कुंकळकर



5911
N-KON
JYO (D)

Complimentary by
Konkani Language & Cultural Foundation (R) Mangaluru

मयुरी

(बाल-कादंबरी)

ज्योती कुंकळकार

अक्षरमेध प्रकाशन

गोवा

अक्षरमेध

मयुरी/ ज्योती कुंकळकार

Konkani Language Cultural Foundation (R.) Mangaluru
5777
N|KON|JYO

प्रकाशिका :
सुमेधा पाटील
अक्षरमेध प्रकाशन
हिलव्यूह अपार्टमेंट, फ्लॅट नं. एफ. ए, न्यू के. टी. सी. बस स्टँण्डजवळ, शापूर,
फोंडा, गोवा - ४०३४०१
मोबा. नं. ९०२८३१२९३२, ९४२२९७५७५३

© ज्योती कुंकळकार
'सुख निवास', डी-१, गौरी को-ऑपरेटीव्ह हौसिंग सोसायटी, माशेल,
गोवा- ४०३१०७ फोन नं. (०८३२) २२८७६८० मोबा. नं. ९८२२१६१८५३

प्रथमावृत्ती : १५ ऑगस्ट २०१७

मुखपृष्ठ : श्री. अविनाश कुंभार, कोल्हापूर.

अक्षरजुळणी :
अमोल कामत,
पणजी, गोवा.

मुद्रक :
श्री महालक्ष्मी ऑफसेट प्रिंटर्स, कोल्हापूर.

₹ : १६०/-

सगळी पात्रा आनी प्रसंग काल्पनिक.

अर्पणपत्रिका

मोगाळ मामा (श्री. प्रल्हाद शाणू पै.)
मायेन तुवें म्हाका चिप्प भिजयलें,
कवतुकान तुवें म्हाका धादोशी केलें,
आशिर्वादान तुज्या साहित्य म्हजे चंवरलें
मामा-भाचयेच्या नात्याचे अतूट धागे माये-मोगान विणले.
म्हूण म्हज्या ह्या साहित्याचें पुष्प तुकाच हांवें ओंपलें.

- ज्योती

मयुरीच्या निमतान

मयुरी ही बाल कादंबरी बरोवपाक म्हाका आठ वर्सां लागलीं. कारण भुरग्यांच्या हातांत जें साहित्य दिता, ताचेर खूब मनन, चिंतन करचें पडटा. खरें म्हळ्यार बाल कादंबरी हो प्रकल्प २००८ ह्या वर्सा कोंकणी अकादेमीन कांय लेखकांक दिल्लो. एका वर्सा भितर पुराय करपाक सांगिल्लो. बाकीच्या लेखकांनी बरयले. तांची कादंबरी उजवाडाक आयली. म्हजी कादंबरी मात्शी रखडली. मुळांत कादंबरी ह्या प्रकाराक खूब अभ्यास लागता.

म्हजें आजोळ – कोणकोण. त्या मामा कडच्या सगळ्यांनी आंगा-खांद्यार म्हजें भुरगेपण खेळयलें, तांच्या ऋणांतल्यान मुक्त जावचें ना. पूण मामा–मामाईच्या यादींचे कांय प्रसंग हे कादंबरींत मांडल्यात. मयुरी सारखी भुरगीं म्हाका भोंवतणीं वाडटना दिसल्यांत. कादंबरी बरयली म्हूण जायना. ती उजवाडा येवपाक जाय. आयज – काल सगळेच प्रकाशक पुस्तक छापपाक फाटीं फुडें जातात. केन्ना – केन्ना सरकार पुस्तकां घेतलो म्हणपाची शाश्वती नासता. अश्या वेळार गोंयाचो एक हुशार वेव्हारी प्रकाशक म्हळ्यार बाब वैभव फोंडेकार. आमच्या सारक्या लेखकांक तो मानता. हें पुस्तक अक्षमेध प्रकाशना वरवीं उजवाडा हाडटा. ताचे उपकार मानिना. ताचे उपकार म्हज्या काळजांत उरतले. हांचे पयलीं म्हजें एक मराठी पुस्तक ताणें उजवाडाक हाडला. दुसरो हुशार आनीक एक तरणाटो म्हळ्यार बाब अमोल कामत हाकाय दिनवासता. ताणे ह्या कादंबरीची अक्षर जुळोवणी केल्या. म्हज्या खूपश्या पुस्तकांची अक्षर जुळोवणी तोच करता.

म्हज्या सगळ्या भुरग्यांक आनी हेर वाचकांक ही मयुरी नक्कीच आवडटली अशी आस्त बाळगितां.

देव बरें करूं.

- ज्योती कुंकळकार

सकाळचीं आठ वरां जाली आनी ज्युस्त तेदेवेळार सदचेभशेन टक टक टक असो पावलटीचो आवाज पुलिस स्टेशनार वाजलो. त्याबरोबर सदचेभाशेनूच गेटीर आशिल्ले कॅबिनातल्या दारार मदल्या पॅसेजित जे कोण आशिल्ले, ते सगळे तटायश करून सावदान पोजिशनांत आसा थंयच रावलें आनी ती पावलट आपल्या जाग्यार पावतकीर खडायच करून एक पावल जमनीर आपटून दर एकल्यालो सॅल्यूट जालो आनी टक टक टक करीत ती पावलट म्हळ्यार एस.पी. मयूरी आपल्या कॅबिनांत पावली.

पणजेसावन एस. पी. म्हूण प्रमोशन घेवन मयुरीची बदली मडगांव पुलिस स्टेशनार जायतसावन मयुरीची ही सदचीच कार्यावळ जाल्ली. ऑफिसांत पावल दवरूंक आठाचो ठोको केन्ना मयुरीन चुकयलो ना हे सगळ्यांक बेस बरें खबर आशिल्ले, ताका लागून दर एकलो तेदेवेळार ज्युस्त आपापल्या जाग्यार आसतालो.

एक बायल एस. पी. म्हूण बदली जावन येतकीर सगळ्यांनीच पयलि तिका वालोर दिनाशिल्लेभाशेन केले. पूण जेदेवेळार तिगेल्या शिस्तीचो बडगो सगळ्यांचेर पडलो, तेन्ना हे उदक सदचेभाशेन न्हय, तर वेगळेच आसा हाची तांका जाणविकाय जाली.

मडगांव पुलिस स्टेशन पोन्न्या बस स्टँडासामकार आशिल्ले. चारीवशींनी काँक्रिटाच्यो बिल्डिंगो. शारांतल्या भर वस्तींत आशिल्लें थंय बदली जातकीर मयुरीन अख्ख्या पुलिस स्टेशनाची भोवंडी करून थंयच्या परिस्थितीचो आनी थंय ड्युटेर आशिल्ल्यांचो अदमास घेतलो.

पयली शिस्त दाखोवपाची गजाल तीणें ही केली की ड्युटेर आशिल्ल्या सगळ्या पुलिसंखातीर सकाळची सात वरांचेर परेड सक्तीची

केली. कांय पुलिसांनी हाका विरोध केलो. ताजेमुखार अर्जविनंत्यो केल्यो. पूण कोणाकूच बदले ना. आपल्या विचारांक घट्ट तेकून रावील्ली. फाटल्या वर्स देड वर्सा सकाळी सातची परेड ड्युटीर आशिल्ल्या पुलिसांखातीर नाय म्हळ्यार सवकळेचीशी जावन पडिल्ली.

सगळ्यांच्या विरोधात वचून तीणें एक व्हडली तोखणायेची गजाल केली. ती म्हळ्यार चवथीच्या दिसांनी पुलिस स्टेशनार मनयतालें तो गणपतीचो अकरा दिसांचो सुवाळो तीणें सात दिसांचेर हाडलो. कारण त्या दिसांनी कांयजाणां काडटात ती फकत धुमशेणा तीका खबर आशिल्ली. सगळ्या जाग्यार कांय पुलिस आपल्या ड्युटेरूच पावनात हेवूय तीका खबर आशिल्ले. सगळे पुलिस, मडगांव शारांतले कांय लोक, बाजारकर मंडळ तीच्या म्हन्यांत पावलें. पूण तिणेंन सगळ्यांच्या विरोधाचेर मात केली.

तेदेवेळार आनीक एक गजाल तीणें केली तीणे फर्मान काडलो गणपती विसर्जनावेळार कोणेंच फोग लावचो न्हय. हे आयकून तर सगळ्यांचीच तोंडा बावली. फोगान जाता ते प्रदूशण कुत्र्यामांजरांचेर, सुकण्या शेंवण्याचेर, दुयेतींचेर येता ती हावळ मयुरी जाणां आशिल्ले. मनशांवांगडाच भोवतणच्या वाठाराची जतनाय आपूण घेवंक जाय ही जापसालदारकेची भावना ताच्या मनांत आशिल्ली. ती जापसालदारकी तें झिटकारूं उडोवंक शक नाशिल्ले. ना-हय करता करता ह्यावूय गजालीक ताका सगळ्यांनी पालोव दिलो.

गुन्यांवकाराकडल्यान गुन्यावाचो कबुलीजबाव घेतना तर ती साक्षात जगदंबाच जाताली.

ताची ही तरेकवार रुपां तीच्या सहकाऱ्यांनी पारखिल्ली. ते सहकाऱ्यांच्या बऱ्या वायटांकूय पावतालें सगळ्यांच्यो अडचणीय समजून घेताली. पूण कर्तव्याआड कोणें गेल्ले मात तीका बिल्कूल खप नाशिल्ले.

अशी एस पी. मयुरी आपल्या ऑफिसांत भितर सरून आपल्या कदेलार बसली ताचो पी. ए. फायल घेवन तीच्या म्हन्यांत आयलो आनी एक पाय जमनीर आपटून तीका सॅल्युट करून 'गुड मॉर्निंग म्हूण तीच्यामुखार उबो रावलो.'

ताका गुड मॉर्निंग म्हणीत सदचे भाशेन मयुरीले प्रस्न सुरू जाले.

''सकाळची साताची परेड जाली''?

'' हय मॅडम''

''सगळे जाण हाजिर आशिल्ले न्हय?''

''हय मॅडम, पूण दोग जाण सध्या सुटयेर आसा ते तुमी जाणाच न्हय?''

''हय. सगळ्यांक त्या त्या सुवातेर ड्युटेर धाडले?''

''हय मॅडम दोग जाण सुटयेर आशिल्ल्यान दोगांची ड्युटी मात्शी ॲडजस्ट करची पडली ती केली''

''अल शबीबाच्या खुनाचे फॉरेन्सीक रिपोर्ट आयले?''

''ना मॅडम, आयज नाजाल्यार फाल्या येतले''

''श्यामसुंदराच्या खुनाच्या केसीची आमची तारीख कोर्टांत फुडल्या सोमारा आसा न्हय''

''हय मॅडम''

''आयज आनीक कसल्यो महत्वाच्यो केसी आसात?''

''ल्हान ल्हान चोरयेच्यो चार कागाळी आसात पूण ते पीएसआय हॅण्डल करतले''

''आयज कसल्या कार्यावळीची बी आमंत्रणा?''

''पी. ए डायरेंत पळोवन सांगता मॅडम, आयज काणकोणा मल्लिकार्जुन सोसायटीच्या उक्तावणाचे अध्यक्षपद आसा तुमचेकडेन. आयज तो सुवाळो आसा''

''कित्यें आयज तो सुवाळो? हांव अशें कशें विसल्ले? चल, बेगीन या गाडी भायर काडूंक सांग''

गाडी भायर काडटकर मयुरी ताकतिकेन गाडयेन वचून बसले. ताचो पी. ए कितें उलयता हाचेकडेनूय ताचे शितींदच नाशिल्ले. ताची चितना आयज आपल्या भुरगेपणांत केन्ना पावलें तें ताचे ताकाच कळ्ळें ना.

मामालो तो काणकोण शेताभाटांनी कुचंकुचिल्लो गाव, मामाई, शाळेतली बाई, मामाच्या गावातलें तें भुरगेपण एकेक करीत ताच्या

दोळ्यांमुखावेल्यान चलत चित्राभाशेन धावूंक लागले. कालच घडील्ल्याभशेन भुरगेपणाची याद जाली.

***

प्रकरण – १

'पावलीं आं आमी'अशें म्हणत मामान अठ वर्साचे मयुरीक खांदा वयल्यान सकल देंवयलें तेन्ना तिनसांज चारूय वटांनी घुरी घालपाचे तयारेंत आशिल्ली. उंच दोंगुल्ल्यांचे चिमटेंत सापडिल्ले वरी तो गांव. सूर्य केन्नाच आपली साटली पोटली कवळून गुल्ल जाल्लो. हळदुवसाणीकडेन नातें सांगपी हय न्हयसो उजवाड गणयत राविल्लो खरो, पूण तोय म्हणटा म्हणसर नाच्च जातलो म्हणपाची खात्री पट्टाली. पांयां तळाकचे वाटेर पडिल्ले ताजे शेणाचे थापे गोरवां गोठ्यांत परतल्यांत म्हणपाची गवाय दिताले. शेंवण्यांच्या कलकलाटांत रस्त्या कुशीकचे रुख भरून गेल्ले.

मयुरीन मुखार नदर मारली तांचेच उंचाये येदे देवळेंत वात पेटोवन एक जाण्टेली चारूय दिकांक पळयत पांयां पडटाली. मागीर तशीत तरतरीत वचत तिणें वाट हुपली आणि एका आडाम्यांतल्यान भितर सरत तीय काळखांत विरगळिल्लेवरी नाच्च जाली.

इतले मजगतीं मामान बोल्सांतल्यान लेस काडून आपले तोंड पुसलें. तोच लेस म्हज्या तोंडार भोंवडिलो आणि खोमसाची कॉलर सारखी करीत मयुरीची पोती दाव्या हातांत घेतली. उजव्या हातांत मयुरीचो हात घट्ट धरीत 'चल या'अशें म्हणत तो तरतरीत मुखार सरलो. ताचे बरोबर पावली मारपाचो यत्न करीत मयुरीय धांवपाक लागलें.

धुळीचो तांबडो गुलाल हुबोवपी वाट सोंपली आणि मामाचो आफ्रामेंत

आयलो. गोरवां भितर सरचीं न्हय म्हूण विशिश्ट पद्दतीन केल्लो आडो मयुरीचे नदरेक पडलो आणि खंय तरी यादींचेर चडिल्लो विसरायचो गोबोर मातसो पयसाविल्ल्या वरी दिसलें. पूण तेंवूंय खिणभरूच. चार वर्सांचे आसतना पाविल्लें हांगातें ताचे उपरांत ही दुसरी फावट. ते पिराये वयलें कितलें म्हूण यादींत उरतलें?

म्हणटा म्हणसर मामाच्या हाताक हुमकळत आड्यांतल्यान भितर सरलें. आतां पांयां पोनची वाट सामकीच अशीर जाली. कांय कडेन तर ती मयुरीच्या दोन वेतांयेदीच आसूं ये. दंवांचे पयले थेंबे पिल्लोय लज्रेच्यो ताळयो कांय कडेन वाटेचेर येवन पायांक वेंगायतात कसो ताका भास जालो. कुशीक सोरोप बी आसचो ना मू? भंयान मयुरीन मामाच्या हाताक आनीक घट्ट धरलें.

'भियेलें गो? आतां हांगांच रावपाचें आसा तुका'

मामाचो आवाज कांपिल्ले वरी दिसलो मयुरीक. मयुरीन ताच्या तोंडा कडेन पळोवपाचो यत्न केलो. पूण आतां काळोख दाटिल्लो. वयर रूखावळीच्यो सावळ्यो चित्रविचित्र दिसपाक लागिल्ल्यो. काणयेंतल्या राक्षसांच्या मुखामळांवरी. आंवडो घोटीत मयुरीन मामाचो हात आनीक घट्ट धरलो आनी ताचे बराबर रावचे खातीर धांवपाक लागलें. मुग्ध करपी कसो एक गंध नाकांत रिगलो आनी मयुरीक थंयच उबें रावचें कशें दिसलें... सुरंगांचो होच तो रूख. आई केन्नाय रंगांत आयली म्हण्टकच आपल्या भुरगेपणांतल्यो खबरो सांगताली. तातूंत हो ओवळीचो म्हाल रूख आसतालोच. ताका तेंकून सारोवन तयार केल्ली जमीन मे म्हयन्यान थंय साटां, सोलां, खारें सुकत घालतालीं आनी मामा-मावश्यां सयत खेळत, गायत तीं राखतालीं.

आताय त्या रूखांतल्यान गंधाच्यो राशीच कश्यो ओतिल्ल्यो. माश्गार एक दोन फुलांय पडल्यां आसुयें. मंत्राविल्ले वरी मयुरी थंयच घटशें जालें. तितल्यान मामाच्या हाताचो हिसको परत बसलो.

'चल यो, रात जाली. फाल्यां सकाळीं येवन बस जाय जाल्यार''

मामाक मयुरीच्या मनांतलें कळ्ळां आसपाक जाय. मयुरी ताचे फाटोफाट मुकार सरलें. पायण सोंपली आनी मामाचें घर नदरेक पडलें.

मातशें उंचायेर आशिल्लें तें घर. फाटल्यांतल्या ह्य न्हयशा उजवाडांत घराचो विस्तार स्पश्ट दिसतालो. दोनूय कुशींनी पणसाचे तेच ते वाडिल्ले रूख. मुखार चौगांचे वेंगेंत मावचीना इतली व्हडली तुळस, तिचे मुखार निरंजन पेटिल्लें. त्या निरंजनाचो शांत उजवाड दरवट्याचेर फांकिल्लो आनी त्या उजवाडात मयुरीची मामाई उबी आशिल्ली.

मामायेची ती मूर्त मयुरीचे नदरे सामकार आयजूय आसा. मुखामळार माखिल्लो निरंजनाचो थरथरतो उजवाड आनी तिच्या फाटल्यांतल्यान पडवेर दवरिल्ल्या पेत्रोलाच्या दिव्याचो तसोय उचांबळीत उजवाड. दरवट्याचेर दोनूय हात तेकोंवन ती तांची वाट पळयताली.

आंगण हुपून मामान मयुरीचो हात सोडलो तें मामाईकडेन गेलें. तिच्या न्हेसणाचो गंध ताच्या नाकांत रिगलो. मामाई दिसभराचो वावर आनी तिची ओडपाची पूड हांचो सरमिसळ गंध. वळखीचोच त्या गंधांत सुरक्षेचें, राखणेचे आश्वासन आशिल्लें. मयुरीच्या अंतर्मनाक तें जाणवलें आनी मयुरी मामाईच्या होटयेंत रिगलें.

मामाईन आपलो खरखरीत हात मयुरीच्या तोंडावयल्यान भोंवडायलो. एक लांब सुस्कारो सोडलो आनी 'यो बाये'म्हणत ताका ती भितर घेवन गेली. ताची पोती देवान्याकडल्या खिळ्याक लायत 'आयज सावन तुजे कपडे हांगाच लावपाचे आं.'' अशी शिटकावणी तिणें ताका दिली आनी मान्न्यांत वचून हात पांय धुवपाक सांगलें. रांदचे कुडींतलो दिवो उखल्लो आनी मान्न्यांच्या हुंबऱ्यार दवरलो. मांगरांत आशिल्ल्या मान्न्याक वण्टी नाशिल्ल्योच. भोवतण्या लाकडान तें मान्नें उबारलां कशें दिसताले. लाकडाचे कुडींत पडिल्ली आपणालीच थरथरपी सावळी पळोवन मयुरी भियेलें. हुंबऱ्यार रावन मामाई ताका पळयताली बेगबेगीन हातपांय धुले आनी तें भितर आयलें.

'घे, दूद पिये इल्लेंशें.'मामाईन दुदाचो पेलो मयुरीच्या हातांत दिलो. हळ्द, साकर घाल्लें हुनसार दूद पितना आंगभर मामाईची माया पातळिल्लेयरी ताका दिसली.

ती म्हज्या बाबाविशीं विचारताली.

'कोण सांगतलो म्हाका? तीं कोणूच उलोवपाचे मनस्थितींत

नाशिल्ली. हाका धेवन वच होच एक सूर. पूण येतना वाटेंत तांचो राखणो मेळिल्लो. म्हाडू गे. तो सांगतालो भागेल्याक आपूण ऋशिकेशाक वतलों, मागीर हिमालयांत वतलों अशें सांगतालो खंय भावोजी. वचे पयलीं आपले कपडे लत्तेबी गावांतल्या लोकांक वाटून उडयले खंय ताणें. आपल्याक आस्पतीतलें कुस्कुटूय नाका म्हूण सेलाद फोलीचेर बरोवन दिलें खंय भावाक. आनी एके फांतोडेचेर नाद्य जालो. म्हयन्याभरा पयलींची गजाल अशें म्हणटालो तो.'

म्हज्या तोंडा मुखार बाबाचो चेरो नाचपाक लागलो..... निळ्या दोळ्यांचो म्हजो बाबा. दोनूय हातांचे वोल्तेर करून म्हाका खेळोवपी, वयर उंच उडोवन म्हाका जिखून घेवपी बाबा, म्हाका गादयेर दवरून म्हज्या पोटार तोंडान नेटान फुंक मारीत पोंक असो आवाज काडपी बाबा. आईच्या मरणा उपरांत शुन्यांत नदर लावन बसपी बाबा, लांब लांब सुस्कारे सोडीत आनी म्हाका सांसपीत वरांची वरां बसपी बाबा....

'खंय वणवणटा आसतलो, त्या देवकीकृष्णाकूच खबर.'वेणूचेर जीव आशिल्लो रे ताचो. सैरभैर जाला आसतलो ताच्या मरणाक लागून. आवरो उडटा मनशाचो अशा वेळार. आसत थंय सुखी दवरगे कामाक्षे ताका. आनी पोराचेर नदर घालपाची बुद्द दी.'आजयेचो आवाज कांपरो जालो. कांय वेळ ती सुस्कारे सोडीत रावली. दिवो पालोवन मामा आपले कुडींत गेल्ल्याची जाणविकाय मयुरीक जाली. देवाऱ्यांतल्या लामणदिव्याचो शांत उजवाड आतां तांका साथ दिवपाक लागलो. आनीक एक व्हड सुस्कार सोडीत मामाईन पांगरूण ओडलें. आनी दोगांयच्या आंगार घालें. म्हाका आपले सरीं ओडून घेतलें आनी कपलार हात दवरून ती न्हिदेची वाट पळोवपाक लागली.

ती कितें चिंता आसतली काय हाचो विचार करतां करतां म्हाका जाणवलें, हांव आतां भुरगें उरूंक ना. जाण्टेले मामाईक सांबाळपाची जबाबदारी आसा म्हजेर.

प्रकरण - २

जाग आयली ती फाटले पडवे वयल्या खणखणाटांन. हातरूण सोडून हांव त्या आवाजाच्या दिशेन गेलें. मामा म्हशीचें दूद काडटालो. तिचे मुखावयल्या आयदनांतली खावड सोपल्या आसूंये. आयदनाच्या कडांनी उरिल्ली खावड आपले जिबेन चाटत ती त्या आयदनाक हेवटेन तेवटेन नाचयताली आनी ताचे बराबर आपुणूय नाचताली. त्या नाचाचो त्रास उखणयां बसून दूद काडपी मामाक जातालो. तो म्हशीचेर धेकण्यार धेकणे घालतालो. एकदां तर तिडकीन उठून ताणे तिचे फाटीर सणसणीत थापटूय फुलयलें. मागीर ते आयदनूच काडून कुशीक दवरलें. तशी म्हस शांत जाली. मामा मन लावन दूद काडपाक लागलो. चर्र चर्र आवाज करीत तें धवेंफुल्ल दूद मामाच्या हातांतल्या तांबयांत एकठांय जावपाक लागलें. म्हणटा म्हणसर तो तांबयो भरलो. वयर चकचकीत फेस आयलो. मामान म्हशीचो आंचळ सोडलो आनी पडवे भायर वचून थंय बांदिल्ल्या रेडकाक मेकळें केलें. कानात वारें रिगिल्लेवरी तें रेडूक धांवत आयलें आनी आवयच्या आंचळाक झोंबपाक लागलें.

'दूद पितलें?'मामान मुमुरख्यांनी हांसत मयुरीक विचारलें. मयुरीन न्हयकार दिलो. अशें म्हूण दूद पितात? तापोंवक नाका ताका? भितर साकर बी घालूं नाका? आई घालताली तें ताचें यादींत आशिल्लें. बुधो गवळी सकाळींच येतालो दूद घेवन. आई ताचेकडल्यान दूद घेतना बरोच वाद घालताली. 'बुध्या, तुजी म्हस सदांच उदकांत बसता काय कितें

रे?'ह्या आईच्या प्रस्नान वादाक तोंड फुट्टालें. बुधोय हुशार. आतां गोरवांचें दुदूच कशें पातळ आसता तें तो तरातरांच्यो गवायो दिवन आईक पटोवपाचो यत्न करतालो आनी ताका जाप दितना आई आपलो जल्म कसो गोरवांनी आनी गोठ्यांनी गेला तें सांगताली.

'दूद काडपाक मात रोखडेंच शिकून घे आं. मामाक आदार जातलो.'मामाईच्या उतरांनी मयूरी भानार आयलें. दुसऱ्या म्हशीच्या दाव्याक धरून ती थंय आयिल्ली. मजगतीं मामान पयले म्हशीक सोडून तिचें दावें मामाईच्या हातांत दिलें. आचळाक ढुश्यो दिवपी रेडकासयत ती म्हस आजयेच्या घाटोफाट वचपाक लागली. मामान दुसरे म्हसीक खांबलेक बांदले आनी खावडीचो दुसरो तोप तिचे मुकार दवरलो. ती खावपाक लागली. मामान तिच्याच रेडकाक हाडलें आनी कांय वेळ लुचयलें. मागीर तो उखणयां बसलो आनी एका हातांत तांबयो घेवन दुसऱ्या हातान तिचें आचळ पिळपाक लागलो. तांब्याच्या आयदनांत पडपी दुदाचे धारेचो तो एकसुरी आवाज कानाक बरो दिसतालो.

दोनूय म्हशींचे दूद काडून जालें. तिसरी म्हस दूद दिनाशिल्ली. मागीर मामान गोठ्यांतल्यान गायेक हाडलें आनी तिचें दूद काडलें. पडवेच्या हुंबऱ्यार बसून मयुरी मन लावन तें दृश्य पळयतालें.

'कितें चिंता गो?'मामान कपला वयलो घाम खाद्यां वयल्या वाल्याक पुशीत विचारलें.

'हाच्याकूय चड गोरवां आसल्यार कितली मजा येतली, न्हय? आमगेर खुप्प दूद जातलें. घरांतलीं सगळीं आयदनां भरून वतलीं.'त्या खिणाक मनांत आयिल्ली कल्पना मयुरीन मामाक उलोवन दाखयली.

'आनी, करप कितें त्या दुदाचें? तुका न्हाणोवप काय कितें?'मामाईन तोंड घालें.

'लोकांक विकप'

'आसात कोण हांगा तुजें दुद विकत घेवपी? आसात तांका आसपत दनपारचें तपलें रात्रीर चडोवपाची. आस्पत आशिल्ले शारांकडेन धांवपाक लागल्यात. आतां फुकट वाट्टा जाल्यार पळय. सगळो वाडोच न्हय, पलतडचे लोक लेगीत येतलो घुरी घालीत.'मामाईच्या त्या उतरान फकांडा

आशिल्लीं काय खंत हाचो विचार मयुरी करीत उरलें. मामाईन भितर वचून राखोंडेची चिमुट हाडली आनी मयुरीच्या हातार दवरली. ही राखोंडी करपाची तिची आगळीच पद्दत आशिल्ली खंय. मयुरीच्या फाटल्यान तोंड सारकें धूय म्हणत लागिल्ली आई बरेच फावट ती पद्दत सांगत ताका घुसपावन दवरताली. अर्दवट, हयन्हयशी भाजिल्ली शेण, भितर निलगिरी, कापूर अशें कितेंशें घालप, ते भायर कसल्याश्या रुखाचे सालीचो पिठो घालप. इल्लेंशें मीठ घालून ती बरणेंत भरून दवरप. गरज पडटा तशी तशी एका कानकातऱ्या चिक्रांत घालून ती वापरप. तें चिक्र खंय आजयेन गोकर्णाक गेल्लेकडल्यान हाडिल्लें आनी तसलीं अस्सल चिनी मातयेचीं चिक्रां आतां मेळनात हें लेगीत आई दरेक फावटीं सांगतालीं. ती याद जावन मयुरीन भितर वचून तें चिक्र पळयलें. सोबीत चिनी कलाकुसर केल्लें चिक्र. तीसेक वर्सां पिरायेचें. मयुरीन तें हातांत धरलें. आईचो स्पर्ष जाल्लेवरी दिसलें मयुरीक.

पडवेर येवन तोंड धुलें. भाणाच्या तळाक उजो भणभणटालो. 'न्हांवन घे गो. मागीर दितां दूद तुका.'मयुरीले कपडे दांडयेर दवरीत मामाईन सांगलें. थंयच, मान्न्यांत रावन मयुरी न्हावपाक लागलें. हून उदक आंगभर घेतना दिसलें आंगा वयल्यान देवपी त्या धारांतल्यान आपलो भूतकाळूय व्हांवन वता. आका, काका, काकी हांचे सुतकी तोंडा, ताचेकडेन हिडीस फिडीस करीत उलोवपाची काकीची तरा, 'घे, गीळ. आमकां सोंपोवपाकूच जल्मलां हें'अशें म्हणत आनी आयदनां वाजयत वाडपी आकाची तिडक, सगळ्या सगळ्याचो शीण त्या हुनहुनीत उदका बराबर देंवन खळयेंत वता अशें दिसपाक लागलें. मयुरी भांडांतल्यान तांबयाचेर तांबये काडून आंगार घेवपाक लागलें.

'आगो, पुरो. फाल्यांय न्हांवपाक जाय. आयजूच सगळें उदक सोंपयता काय कितें?'मामाईन मान्न्यांत येत विचारलें आनी मयुरी भानार आयलें. दाणये वयलो धवोफुल्ल वालो घेवन मामाईन मयुरीचे केस खसखशीत पुसले.

वयर दाट साय धरिल्लें वाफाळ दूद आंगभर तृप्तीची सया माळीत गेलें. मामाईचे रानचे कुडींत बसून रावचें कशें दिसतालें. धुंवर पियेवन

मातये कोराच्यो जाल्ल्यो वण्टी आनी पाखें हांचो आश्रय आश्वस्त करपी कसो. रात्रीच्या पोल्लांत उजो धगधगतालो. एक आयदन रात्रीचेर तर दुसरें आनी एक पोल्लांत. कुशीक मामाचीं माजरां. तिगां जाणां आशिल्ली. हरशीं मांजर हो प्राणी मनीस दिसतकच येवन पायांत घुटमळपी. पूण मामाचीं हीं माजरां वेगळींच. मामान यो म्हूण आपयलें जाल्यारूच येतालीं. ना जाल्यार हेवटेन तेवटेन आडवीं पडून कान उबे करीत साद आयकत वाट पळयतालीं. मामागेर कुत्रोय आसिल्ल्याची पुसटीशी याद आशिल्ली. आईची तीय एक ठरावीक काणी आशिल्ली. मयुरी जालें तेन्ना हॉस्पिटलांतल्यान मयुरीक आनी आईक घेवन मावशी गाडी करून मामागेर आयली. बायटी कडेन भुरगें दिनात म्हूण मावशेनूच मयुरीक धरिल्लें. मामाच्या कुत्र्यान तें पळयलें आनी घट्ट मतींत धरलें. मागीर पाळण्यांत केन्नाय मयुरी रडपाक लागलें म्हणटकच तो तडक मावशे म्हऱ्यांत वतालो आनी कूंय कूंय करीत तिच्या पालवाक धरून ओडपाक लागतालो. मावशी म्हणचेच मयुरीची आवय असो समज ताणें करून घेतिल्लो...

आतां ती खबर दोळ्यां सामकार आयली आनी दिसलें, तो कुत्रोय आपलोच कोण तरी आसतलो. रावं नजो जावन मयुरीन मामाईक विचारलेंच 'आज्जे, आमचो कुत्रो खंय गेला गे?'

'टॉमी, मगो? गेला व्हकलांक पळोवंक. येतलो एक दोन दिसांनी. आतां कुळागर राखचे कशें दिसना ताका. खांवनी म्हणटा माकडांक.' मामाईन मुमुरख्यांनी हांसत जाप दिली. तिका कितें सागपाचें आसा तें कळ्ळें ना मयुरीक. पूण टॉमी आसा आनी हांगाच आसा हें आयकून जीव थाऱ्यार पडिल्लेवरी दिसलें.

देवा कुडींतल्यान मामाचे पुजेचो नाद आयकूंक येवंक लागलो. मामाक देवसपणाचें इल्लें चडूच अशें आई केन्नाय म्हणटाली. न्हाले बगर कोणय देवा कुडींत गेल्यार तो खंय तिडकतालो, धेंगशे घालतालो. मामाईचेर लेगीत तापतालो, अशें आई कौतुकान सांगताली. तिचो एक चुलत आजो खंय असोच आशिल्लो. लग्न जायनासतना ताणें देवसपणाकूच जीण ओंपली आनी एक दीस हरीविजय वातचनाच खंय तसोच घट्ट

जालो. तो दीस खंय अष्टमीचो आशिल्लो. श्रावण म्हयनो आशिल्लो. पावस ओंततालो. पूण आजो वतकच खंय पावस थांबलो. ताका पावोवन लोक परत येवन न्हावन हुंबऱ्या बितर सरले तेन्नाच पावस परत सुरू जालो खंय. आई ती खबर रंगांत येवन सांगताली आनी मनोहराचेर म्हणजे मामाचेर त्या आज्यान सावळी धरल्या म्हूण सांगत पोल्यार हात मारून घेताली.

पूजा सोंपोवन मामा कसलें तरी पुस्तक व्हडा आवाजांत वाचपाक लागलो. एक्का सुरांत गायिल्लेवरी येवपी त्यो होंवयो आयकतना मयुरीय त्या तालाचेर व्हांवत वता काय दिसपाक लागलें. मामाई ताका पळयत आशिल्ली जावये. वाचन सोंपोवन मामा च्या घेवपाक आयलो तेन्ना तिणें ताका सांगलेंच, 'भाची तुजी तुजेच वरी रे बाबा. तुज्या वाचनांत शेणून गेल्लें.'

'जांव. तितलें तरी आयलां आजोळचें. आतां फाल्यांच्यान शाळेंत घालुया ताका. वर्सा भरांत वाचपाक लागतलें. भुरगीं सट्ट करून शिकतात.'मामान जाप दिली.

शाळा,हांवे शाळेंत वचप? आंगार थरथरो भरता कशें दिसलें.

सुरंगां भाटांत शाळा आशिल्ली, वैज मास्तराचे पडवेर भरताली. मयुरीचो चुलत भाव, दिवाकर थंय वतालो. एक दीस पाढो चुकलो म्हूण मास्तरान हाताकडेन आशिल्लो नाल्लूच ताचे तकलेक मारलो. रक्ताचे व्हाळ व्हांवपाक लागले. मुठभर हळद थापून चार पोरांच्या खांद्यार बसोवन ताका घरा धाडलो. ताच्यो किळच्यो आनी काकीच्या शापांनी घर भरून गेलें. ती याद जाली आनी शाळेचो भंय दिसपाक लागलो.

'हांव वचें ना शाळेंत.'मामाईक तेंकत मयुरीन म्हळें.

'शॅ, तसलें कांयच उलोवंक जायना आं. शाळेंत आनी वचना म्हणटा? मागीर कितें करतलें तर? आयदनां घासतलें लोकांली काय ओलीं उमळटलें गो?'मामाचो आवाज वाडलो. हांवें मामाईकडेन पळयलें. ती तरी म्हजी कड घेतली काय? पूण ना, तिजेय दोळे तेंच सांगताले. राग आयलो म्हाका. 'ना, हांव वचें ना शाळेंत'अशें म्हणत गेलें आनी मामाईचे खाटीर आडवें जालें.

दीस चडपाक लागलो तसो मामाच्या कुळागरांतलो मनशांचो वावर वाडपाक लागलो. एकेक करून मानाय येवपाक लागले. तीन मानाय आनी तिगां कामेरीं. येना फुडें तांणी न्हेसण नीट खोंयलें, कमरेक थंयच आयार सुकत घाल्लो वालो गुठलायलो आनी पान जमयत तोंडांत गालें. मागीर तीं आपापल्या कामाक गेलीं. तातुतली एकली जाण्टेली, आवडू नांव तिजे , आजये म्हऱ्यांत रावली. तिणें आयदनां धुलीं, सकयल बांयचेर वचून ओलीं उमळ्ळीं. घरांत सान्न भोंवडायली. मामाईन दिल्ली पेज चुरू चुरू पियेली आनी मागीर वचून ती कुळागरांत कामाक लागली.

'आज्जे, हांवूय वचूं कुळागरांत?'हांवे विचारलें.

'वच. पळय, तीं कशीं काम करतात तीं. तुवेंय शिकपाक जाय असलें काम. मानाय मेळना जाले म्हणटकच मामा एकलोच करता सगळें, फातोडेचेर उठून उदक भोंवडायता. माडयेर लेगीत चडटा. खावचीं पानां, मिरयां नकसुद काडटा. तुवेंय शिकपाक जाय. चलयेचे जातीक असले उद्देग कोणें सांगल्यात अशें म्हणत ओगी बसपाक जायना. वेणूक लेगीत शिकयिल्लें हांवे, सकयले तळयेंत घागऱ्याचो कासाटो मारून कशें पेवतालें, जाणा तूं? तूंय शिक. आवडूची नात शिकयतली तुका. सांगट कशें पेवता तें.', मामाईन सांगलें. तिकाय बरें पेवपाक येता म्हूण आई केन्नाय सांगताली आनी मयुरीच्या दोळ्यामुखार णव वारी कापड धोपरामेरेन दोडून उदकांत पेवपी मामाई येताली. आतांय ते दृश्य तश्शाक तशें नदरे सामकार आयलें.

कुळागरांत गेलें. मानाय, कामेरीं काम करतालीं. मामा तांचेर नदर दवरून आशिल्लो. कामेऱ्यांच्या तोंडाचो पट्टोय चालू आशिल्लो. जनीन कोणागेर तरीं जाल्ल्या पुजेचें आख्यान सुरु केल्लें. नडटां नडटां तें एकेक खबरी सांगतालें आनी सकयले मानेन हेरां ताका जाप दितालीं. मदींच कोण तरी उठून उबें रावतालें. कमरेंत वाय आयली म्हणत कांय खीण उबें रावप आनी परत मान मोडून कामाक लागप. तोंडार हांसो मात कसोच उणो नाशिल्लो.

एक मानाय माडयेर चडिल्लो. मिरवेलीक कसलीशी कीड लागल्या म्हूण मामान ताचेकडेन गोबरांत कालयिल्लो वखदाचो पिठो दिल्लो. तो

वयर मेरेन चडून मिरवेलीचेर फापुडपाचो. हो पिठो आजयेन कसल्या तरी झाडाची साल जळोवन तयार केल्लो.

मामाची नदर म्हजेर पडली. तो हांसलो. पिठो पिशवेंत भरून दिवपी मानायाकडेन पळयत ताणें सांगलें, 'हुलू, फाल्यां सकाळीं मयुरीक शाळेंत पावोवपाक जाय आं. आपूण वचचें ना म्हणटा तें. गरज पडल्यार पोटली उखलपाक जाय. तेन्ना च्या पिवपाकूच यो आमगेर.' दात पडिल्लें बोळकें दाखयत हुलू गोड हांसलो. तो खंय आईक आनी मामाक लेगीत शाळेंत पावयतालो. ताच्या खांद्यार बसून शाळेंत वचपाक मजा येताली अशें आई आत्र्या पयन्यान सांगताली. पूण म्हाका तर शाळेंत वचपाचेंच नाशिल्लें.

'बयो, शाळें वयतलें गो? मास्तर खंय चाफोड्याची बडी घेवन बसता. येयना शिरी, घाल धपको', हुलून ज्युस्त नक्कल करीत सांगलें आनी तो परत हांसपाक लागलो.

'हय, शिरिदर भटाल्या चेड्याक पाडे येयनात म्हूण खंय चिचे फोकान धाडायलें तेणें. चार दीस खंय आवय फाटीक तेल लायत बशिल्ली.' जनीन जोड दिली. म्हजें आंग शिरशिरलें. फाल्यांच्यान हेंच काय येतलें म्हज्या वांट्याक? म्हजो निश्चय आनीकूय घटमूट जालो, ना, शाळेंत वचपूच ना.

'ताका ओगीच भेश्टावं नाकात आं तुमी. तें पयलींच कांचवेलां. कांय मारीना मास्तर. शिकतल्याक मारतलो कित्याक. मार पडटा तो तवनासांक. आमचें मयुरी हुशार. आदोगाद जातलें ते', मामान मानायांक ओग्गी करीत सांगलें. पूण म्हजो हुसको वाडलो.

कुळागरांत एक प्रसन्न वास भरून राविल्लो. सुपारेच्या फुलांचो वास. दंवाची आनी शिंपण्याची ओलसाण सांगाताक घेवन आयिल्लो हो वास माडयांच्या मदल्यान वाट काडीत येवपी हय न्हयश्या किरणांचेर विसव घेता कशें दिसतालें. सुकण्यांचे आवाज मदींच आशिल्ल्या जगमाच्या आनी आमाडेच्या रुखांतल्या खुणायताले. मातयेच्या कोराचे कुपादर हांगा खूप आसतात अशें आई सांगताली. आतांय कुळागराच्या दुसऱ्या कोनशाक एक कुपादर सादूर रावन जमीन खरपितालो. तळयेचे देगेर

आशिल्ले पेरीचेर तांबडे चोचीच्या पोपटांची जोडी बशिल्ली दिसली. दृश्य ओडलायणें खरें, पूण म्हज्या चित्तांत शाळेचो हुसको भरिल्लो.

'सांजे या मगो, पाटी पेन्सिल हाडपाक?' मामान विचारलें. तो म्हजी फाट कशीच सोडचोना म्हणपाचें कळ्ळें म्हाका. हांव घरांत परतलें. मामाई रानचे कुडींत कामांत घुस्पल्ली. तिका वचून वेंग मारीत हांवें विचारलें, 'आजये. मदींच म्हाका शाळेंत कित्याक गे घालतात? फुडल्या पावसांत वतां हांव. ते म्हणसर तूं शिकय मगे म्हाका.'

'हे पळय, शाळेंत वचपाक केन्नाच नाका म्हणपाक जायना आं. सरस्वती ती. एकदां फाट केली म्हणटकच पडलें तूं त्रासांत.' आजयेन आपले पद्धतीन जाप दिली. ती परत कामांत गुल्ल जाली.

म्हजीं शाणपणां हांगा चलचीं नात म्हणपाचें लक्षांत आयलें म्हज्या. पूण शाळा नाकाच कशें दिसतालें. तातूंत आतां त्या मारकुट्या मास्तराचो भंय उपराशिल्लो. कितें करतलें? परत सुरंगां भाटांत गेल्यार कशें? पूण आका आनी काकी तर मास्तराकूय पाश्ट. मावशेगेर, पिरवळा गेल्यार? मामागेरच्यान थंय वचपाक तीन वरां लागतात अशें आई सांगताली. पळोवया वचून? पूण मावसी आपल्यागेर दवरून घेतली? तशेंच परत हाडून मामागेर पावोवचीना कित्या वयल्यान?

हातरुणार पडून हांवे कितल्योश्योच शक्याता तपासून पळयल्यो. सांजे वेळार आवडू बराबर वचून तांगेर रावपा परसून गोठ्यांत लिपून रावपा मेरेन. पूण एक्लूय शक्यता फळादीक जायत कशें दिसलें ना. दोळ्यांत परत परत दुकां ताडून येतालीं. आईची याद, बाबाची याद येवपाक लागली. माथ्यावयल्यान पांगरूण घेवन पोल्यांचेर हून दुकां देंवयत हांव रडत रावलें. मजगतीं मामाईची सुलूस लागली. ती म्हज्या तकले वयलें पांगरूण काडटली, आसूं ती शाळा म्हणत म्हाका वेंगायतली अशें दिसलें. पूण म्हजो अदमास घेवन ती परतली, म्हाका उठय नासतना. ती म्हज्या पक्षांत ना म्हणपाची जाणविकाय जाली म्हाका. आतां शाळा कशीच चुकची ना.

दनपारां जेवपाचें ना, ते वरवीं म्हजो निशेध मामाक आनी मामाईक कळोवपाचो अशें हांवे थारायलें. पूण दनपार जाली तशी पोटांत भूक

पासयो मारपाक लागली. रानचे कुडींतल्यान बांगड्यांचे उड्डामेथयेचो सुरबूस वास येवन अस्वस्थ करपाक लागिल्लो. तातूंत मामाईन लसणीचे कडयेक फोडणी दिली आनी म्हजी भूक खुबूच चाळवली. पूण हट्ट कसो सोडटलें? पयल्याच धपक्याक बें कशें म्हणटलें? पांगरूण तशेंच घेवन कांय खीण रावलें. पूण आतां गुजगुजपाक लागलें. आंगार घाम दाट्टा कशें दिसपाक लागलें. पांगरुणांत मुयो आयल्यात असो भास जावपाक लागलो.

इतल्यान मामा आयलो. येवन खाटीर, म्हजे कुशीक बसलो. ल्हवूच ताणें म्हज्या तकले वयल्यान पांगरुण काडलें. रडून सुजिल्ले म्हजे तोंड पळोवन ताका कितें घडलां हाचो अदमास आयलो. मुमुरख्यांनी हांसत ताणे म्हाका उखल्लें आनी मान्न्यांत घेवन गेलो. भाणांतल्यान उदक काडून म्हजें तोंड आपणेंच धुलें, तुवाल्यान पुसलें. परत हात धरून रानचे कुडींत हाडलें. पाटार बसयत तो सांगपाक लागलो, 'पयले दीस मुगो, सगळ्यांक शाळा नाका कशेंच दिसता. मागीर जाता सवंय. आनी राणे मास्तर म्हजे वळखीचो. तो कांयच करचो ना तुका. हांव सांगता ताका. जाय जाल्यार तुजे बराबर फाल्यां हांवूय येता शाळेंत. जालें? जेव आतां.'

पडट्या फळाची आज्ञा मानून हांव जेवपाक लागलें. मामाईच्या हाताकूच रूच आसा अशें बाबा केन्नाय आईक खुबळावन घालपा खातीर म्हणटालो. ताचें उलोवप लटीक न्हय म्हणपाची जाणविकाय त्या दिसा परत एकदां जाली.

प्रकरण - 3

'ओम काडल्यारूय जाता अशें म्हणटालो गुरुजी. पूण म्हाका सरस्वतीच काडपाक जाय. चित्राक ताच्या भावान काडून दिल्या, तशीच जाय. हातांत विणा घेतिल्ली, कुशीक मोर आशिल्ली...'हांवे मामाईक सांगलें.

'अगो, पूण ती दुसऱ्याकडल्यान काडून व्हरनात. आपल्याक जमता तशीच काडपाची आसता.'मामाई म्हजी समजूत घालताली.

'ना, गे. म्हाका तशी काडपाक येना. म्हजे कडेन तिचें तें नाकूच जमना. आनी दोळे वचून कानाक तेंकतात, तशीच काडून घेवन गेलें जाल्यार भुरगीं हांसतलीं म्हाका.'- हांवें तिका जाप दिली. पूण लक्ष आशिल्लें भायर, मामा बशिल्लो, थंय. मामाक चित्रकलेचें आंग आशिल्लें. बशिल्लेकडेन तो कागदाचेर कितें कितेंय पितारीत रावतालो.

नवरात्रांचे दीस. शाळेंत आयज सरस्वती हाडपाचे आशिल्ले. ताचे पयलीं पाटयो पुजेक लायतले आनी ते खातीर पाटयेचेर जाका जमता ताणें सरस्वती काडपाची अशें गुरुजीन सांगिल्लें. जांकां सरस्वती काडपाक जमना तांणी ओम काडपाचो. ओम हांव सहजतायेन काडटालें. पूण चित्राच्या भावान ताका सरस्वतीचें चित्र काडून दिल्लें आनी म्हाकाय तशेंच चित्र म्हजे पाटयेचेर जाय आशिल्ले. पूण चित्राचो भाव आनी बाबा गणपती करताले. तांच्या हातांतूच कला आसा म्हूण तांका चित्रां काडून दिवप व्हडलें न्हय हो मामाईचो युक्तीवाद मयुरीक मानवूंक नाशिल्लो.

कला म्हज्याय मामाच्या हातांत ना काय कितें? एकदां तर ताणें म्हज्या मराठी पुस्तकांतलें चित्र जशाचें तशें कागदार काडिल्लें. आनी चित्राची सरस्पती बरी म्हणून फाल्यां सावन मास्तर ताचेच लाड करपाक लागलो जाल्यार? हांव फाटल्यान पडचें ना? चॅ, तें कांयच चलचें ना, मामाक कसो तरी करून फुलोवपाकूच जाय.

मागीर हांव धांवत मामाच्या म्हऱ्यांत वचून बसलें. तो मुमुरख्यांनी कित्याक हांसलो तें मात कळ्ळें ना. ताचे च्याचो पेलो उखलून व्हरून भितर दवरलो. तांणें वचून जमनीर दवरिल्लें वर्तमानपत्र घडी करून आल्मारींत व्हरुन दवरलें. मागीर वचून ताच्या व्हल्तेराच्या फाटल्यान उबें रावलें.

'मामा, म्हाका सरस्वती काडून दिता मरे?'

'हांव सो काडून दितलो तुका? ती तुवेंच काडपाची आसता. दुसऱ्याक काडपाक लायली जाल्यार तुका ती कशी प्रसन्न जातली? आनी तुका पयलो नंबर कसो मेळटलो?'मामान म्हाका कुवाड्यांत घालें. हांव निरशेलें. आता ओमूच काडून व्हरचो पडटा कशें दिसलें.

'हे पळय, आता म्हाका कामां आसात. तूं तुका जमता तशी सरस्वती काड. चुकल्यार जाता. काड आनी म्हजे खाटीर व्हरून दवर. म्हाका येवपाक रात जातली. तूं न्हिदिल्लें आसतलें तेन्ना. तुवें चुकयलां थंय हांव सारकें करून दवरतां. फाल्यां सकाळीं उठनाफुडें मनासारकी सरस्वती मेळ्ळी म्हणटकच जालें मुगो?'

मामाच्या त्या उतरांनी मनाक थाकाय मेळ्ळी.

शाळेचो पयलो दीस म्हाका अजुनूय याद येता. मास्तराच्या भंयान हांव तळयेंत देंवपाच्या सोंपणाचे कुशीक आशिल्ले खांचींत रिगून बसलें. मामान आनी हुलून थंय सावन दोन फावटी मारल्यो. पूण तांका हांव दिसलें ना. चवथे फावट मामा थंय सावन गेलो तेन्ना मात म्हाकाच ताची काकुळट दिसली. तेन्नाच तळयेंतल्यान डुबूक करुन आवाज आयलो आनी उकदाचेर तरंग उठले. भंयसो दिसलो. मामाची सुलूस लागतकच हांवेच ताका आडून सांगलें, 'मामा, हांव हांगाच आसा, रे.'मामान म्हाका उखल्लें आनी हुलूच्या खांद्यार बसयलें. रडप गळ्यामेरेन आयिल्लें.

पूण सगळीं कामेऱ्यां आनी मानाय म्हाकाच पळयताले. तांचे मुखार कशें रडप? आवडू आनी जनीन गांवार सांगलें जाल्यार लज जावचीना? रडें आवरीत शाळेंत गेलें. फाटोफाट मामा. शाळेंत पावतकच हुलून म्हाका अळंग सकयल दवरलें. मामान म्हजें तोंड पुसलें. तितल्यान गुरुजी भायर आयलो. धवेंफुल्ल पुडवें. वयर धव्या खोमसाचेर गंवांच्या कोराचो कोट. माथ्याक धवीच तोपी. पांयांतली चामड्याचीं जोतीं करकर आवाज करतालीं. येनाफुडेंच ताणें म्हज्या तकलेवयल्यान हात भोंवडायलो आनी मामाक म्हळें,

'अरे, वेणूच करसां दिसता मरे. ये गो. वेणूक मीच शिकयिल्लां. पयल्या म्हयन्यातूनच तीसापर्यंत पाढे पाठ जाल्ले तेचे. तुं करतलां मा?'

गळ्यांत दाटिल्ली हिमटी गळ्यांतूच उरली. गुरुजी पळोवपाक तरी मारकुटो कसो दिसनाशिल्लो. ताच्या घारश्या दोळ्यांत म्हाका मामाआईच्या दोळ्यांत आसता तीच माया दिसली. हो म्हाका कित्याक म्हूण मारतलो? – हांवें म्हाकाच प्रस्न केलो.

गुरुजीन म्हज्या हाताक धल्लें आनी वर्गांत व्हेलें. व्हरुन पयल्या बांकार बसयलें. बाकीचे बांक भरिल्ले. तरातरांची भुरगीं. चडशीं काळ्याच कोराचीं. पूण तांचीं मुखामळां तिकतिकतालीं. तांचेकडेन म्हजी रोखडीच इश्टागत जातली म्हणपाची गवाय मेळ्ळी त्याच खिणाक.

'ही मयुरी. आजपासून आमच्या शाळेंत आलीय, काय? तिच्याशी भांडायचे नाही. ती हुशार आहे, तिच्या आईसारखी, काय?'गुरुजीन भुरग्यांक सांगलें. मागीर तिसऱ्या बांकाचेर बशिल्ले एके चलयेक, चित्राक आपोवन म्हज्या कुशीक बसपाक सांगलें. धोपराकूय सकयल पावपी खोमशी घाल्लें चित्रा हांसत लजत म्हज्या म्हऱ्यांत येवन बसलें. सकयले मानेन म्हाका तेळीत ताणे आपलो चित्रबोध म्हज्या दिशेन हाडलो आनी सांगपाक लागलें. 'आयज गुर्जी पाढे शिकयतले.'

ताचो वादोऱ्या जाल्लो चित्रबोध पळयतना म्हजे म्हाकाच होलमलें, हें चित्राच म्हजें आता खाशेली मैत्रीण जातलें...

मदले सुटयेक मागीर सगळ्यांच कडेन वळख जाली. सुकांती, आनंदी, मंगल, भिमा, बेबी, रामी, दीपा, सुखदा... आनी चलेय, तेजेश,

तुकाराम, दिपक, सुनील, गुरू, कमलाकांत, सुर्यकांत, राजेंद्र.

मदले सुटयेंत तर नवे चेंडू शाळेंत येयलां आनी गुर्जीन ताका पयल्या बांकार बसयलां म्हणपाची खबर सगळे शाळेंत पसरली आनी शाळाच म्हाका पळोवपाक आयली. हांव कोण तरी वेगळें आसा अशें ओगिचूच दिसपाक लागलें.

प्रकरण - ४

सुकण्यांची पाकां लावन दीस वचपाक लागले. सकाळीं गोरवांच्या गोठ्यांतल्यान बोवाळाची सुलूस लागतकच उठप, न्हांवन धुवन आनी दूद पियेवन शाळेंत वचप. बोटवो आदले रातीकडेंच तयार करून दवरिल्लो आसतालो. त्या दिसा गुरुजीन सांगिल्लो अभ्यास काडिल्लो आसतालो. दनपरां घरा आयलें आनी जेवलें म्हणटकच सगळ्यांत पयलीं अभ्यासाक हात घालपाची संबंयूच लागली म्हाका. एकदांचो तो काडून सोंपलो म्हणटकच हांव मामाच्या आल्मारींतलीं पुस्तकां धवळपाक मेकलें जातालें. मामा कडेन पुस्तकांचें भांडारूच आशिल्लें म्हणल्यार जाता. तरातराचीं पुस्तकां. चित्रांची मात साप्प उणी. हांव आपले आल्मारींत धवळटां ते पळोवन मामान म्हाका म्हणून कांय पुस्तकां हाडून दिलीं. तांचेर सोबीत चित्रां आशिल्लीं. काणी वाचतना सुरवातीक मातशें अडखळिल्लेवरी दिसलें. पूण ताचेर आजयेन उपाय काडलो. म्हाका म्हणपाक लागली, 'हांगा, रांदचे कुडीच्या हुंबऱ्यार बस आनी मोट्यान वाच. चुकलें म्हणटकच हांव सांगता तुका.'आजयेक त्यो काणयो जशाच्यो तश्यो पाठ कश्यो जाल्ल्यो, तिकाच खबर, म्हातारेची काणी आयली आनी तिचे मदले म्हातारेक वाग आडवो आयलो तेन्ना 'मुलीकडे जाते, लाडू चकली खाते, घटमूट होऊन येते, मग मला खा' हें तिणें ज्युस्त अभिनया सयत म्हाका तोंडपाठ म्हणून दाखयलें आनि आजी म्हाका दिसता ताचे परस खुबूच हुशार आसा म्हणपाची जाणविकाय आनीक एकदां जाली.

गुरूजीची नामना निजाचो मास्तर अशी कित्याक आशिल्ली तें म्हाका कळपाक कळाव लागलो ना. भुरग्याचे तकलेंत कशें घालप हें ताका बेस बरें कळटालें. शिकयतां तातूंत स्वता रिगून तो भुरग्यांक विस्कटावन सांगतालो. साद्या पाढ्यांचींय ताणें गितां तयार केल्लीं. मदली सुटी सोंपली म्हणटकच तो भुरग्यांक एका सुरांत तीं म्हणपाक लायतालो.

'एकावर एक अकरा, वाघाने खाल्ला बकरा

एकावर दोन बारा, गाईला घाला चारा....'

अर्दवराभितर गीत तोंडपाठ जातालें आनी बराबर पाढोय.

गुरुजीच्या उजव्या हाताचें एक बोट अर्देच आसिल्लें. पोर्तुगिज सोल्दारांकडे लटाफट जाली आनी अर्दे बोट तुटून पडलें असें जाणटीं सांगताली, मात गुरुजीक विचारपाकूच भंय दिसतालो. आपली खासगी जीण ताणे शाळ पसून पयसूच दवरिल्ली. सकाळीं प्रार्थना जाताली. भुरग्यांनी आपापले उंचायेप्रमाण वळींत उबें रांवप आनी गुरुजीच्या फाटोफाट म्हणप.

'हे सरस्वती, नमन तुझ्या पदकमलीं'

गुरूजी तल्लीन जावन सुरांत तें गीत म्हणी. हात जोडिल्ले आसताले. तशेच हात जोडून एक बोट दोडून म्हणपाचो यत्न पयलीं चले करपाक लागताले. तांचे पळोवन चलयोय तेंच करपाक लागताल्यो. एकाद्र्याचें बोट तशें दोडना जालें म्हणटकच हांसो फसफसपाक लागतालो. प्रार्थनेवयलें भुरग्यांचे लक्ष उडटा अशें दिसतकच गुरुजी एक दोळो ल्हवूच उगडून पळोवंक लागतालो. प्रार्थना सोपली म्हणटकर मागीर त्या भुरग्याच्या फाटीर धुमके पडपाक लागताले. ताका ओणवो दवरून ताचे फाटीर गुंडो दवरप आनी ताका थंयच, शाळे मुखार दवरप. फुडले उणेच चार दीस तरी तो गुरुजीची नक्कल करपाचे भरीक पडनाशिल्लो.

गुरूजीक म्हजो लळो लागिल्लो, 'वेणूची पोर'.अशें म्हणत तो म्हजे फाटीर मायेन हात भोंवडायतालो. आतां चलयो लेगीत खूप शिकपाक लागल्यात आनी हांवेंय इंदिरा गांधी भशेन देशाची पंतप्रधान जावपाक जाय अशें सांगतालो. इंदिरा गांधीचो फोटो बरेच फावट मामा हाडटा त्या पेपराचेर दिसतालो. तिचे भशेन वक्ल बी लावन आनी अर्दे कापिल्ले,

कपलार पिकिल्ले केस दाखयत हांव सभेमुखार उलयतां अशें चित्र दोळ्यांसामकार हाडपाचो यत्न मागीर हांव करतालें. पूण तशें चित्र मुखारूच येनाशिल्ले. हांव इंदिरा गांधी जायत अशें म्हाका केन्नाच दिसलें ना, पुण गुरूजीची इत्सा आसा म्हणटकच कोण तरी जावपाकूच जाय अशें हांवें थारायिल्ले.

शाळेचो वेळ सोंपचोच न्हय अशें घडये म्हाकाच दिसतालें जावये. शाळेचो वाज येता म्हणपी भुरगींय बरींच आशिल्ली. आबोलें अशेंच एक चली. ताका सगळे काजकार आबोलें म्हणटालीं. ताच्या बापायकडेन भाटकाराच्या काजींची जापसालदारकी आसताली. पांच भावां फाटली ही सवी भयण, देखून लाडाची. आनी सामकी आळशी. इल्लो जरी वेळ मेळ्ळो तरी झेमपाक लागतालें. एकदां न्हिदलें म्हणकच गुरुजींच्या धुमक्यांक लेगीत आयकनाशिल्लें. निन्हदेक लागून शाळाय चुकोवप. मागीर चार पांच दीस आबोलें दिसलें ना म्हणटकच गुरुजीन भुरग्यांक ताका हाडपाक धाडप. त्या भुरग्यांचें फुडारपण ताचो भाव बोमडोच करतालो. आबोलें खंय वचून न्हिदलां हें ताका ज्युस्त खबर आसतालें. आनी आबोलेंय खंयूय न्हिदतालें. भाटये लागसार आशिल्ल्या मांगरांत आनी खळावयले खोपींत लेगीत ताका न्हीद पडटाली. भुरगे ताची पोटली माथ्यार घेताले आनी 'होर गया'म्हणत शाळेंत घेवन येताले. ते म्हणसर तें जागें जाल्लें आसतालें. बुरश्यो गाळी सवत भुरग्यांक खोंटावपाक लागतालें. तसो भुरग्यांकूय नेट येतालो. आबोलें तिडकून भायर धांवलें म्हणटकच भुरगेय खिदळत एकामेकाआड लिपपाचो यत्न करताले. तशें आबोलें दिसपाक सोबीत आशिल्ले. केन्नाय न्हावन धुवन शाळेंत येतालें तेन्ना खऱ्यानीच परी कशी दिसतालें. ताका गणीत बरें कळटालें. म्हज्याकूय बरें. जें गणीत अखख्या वर्गाक कळनाशिल्लें तें आबोलें रोखडेंच सोडयतालें.

वर्गातल्या दरेक भुरग्याकडेन कसली ना कसली कळाशी आशिल्लीच. गोविंद चित्रां सोबीत काडटालो. ताच्या शिवाजीचें नाक सदांच खऱ्या शिवाजी सारकें आसता अशी शाबासकी गुरुजी ताका दितालो. गुरुदास आमचो जगमांचो मनीस. ताच्या पोरसांत जगमांचे झाड आशिल्लें. जगमां पिकपाचो वेळ जालो म्हणटकच भुरगे ताका दसपाक लागताले. मागीर

तो राजा आनी हेर भुरगे ताची प्रजा. कोण ताचें दप्तर आपल्या खाक्याक लायतालो, कोण ताची खेळूंक गेल्ले कडेन विसरिल्लीं जोतीं यादीन हाडून ताच्या पायांत चडयतालो जाल्यार कोण ताचो गृहपाठ पाडून दितालो. ताच्या ह्या खाशेल्या सेवकांक मागीर एकेक जगम चड मेळटालें. तें खावपाचीय एक पद्धतशी जावन गेल्ली. जगम हातांत पडलें म्हणटतच तें रोखडेंच खावपाचें नासतालें. तें पयलीं कसल्या ना कसल्या निमतान अख्ख्या वर्गाक दाखोवप. आपल्याक जगम मेळ्ळां होच अभिमानाचो विशय आसतालो. केन्ना केन्ना एकाद्रो आडांगी भुरगो दुबळ्या भुरग्याकडल्यान ताचें जगम झोंबून घेतालो. मागीर गाळी फस्ती आनी रडारडी. वर्गाक तें जगम दाखोवन आपूण कसो भाग्यवान आसा तें पटोवन दिले उपरांत दोनूय हातांच्या तळटांमदीं ताका धरून हात वांटकुले घुंवडावपाचे. तें जगम इतले म्हणसर बरेंच कुचमल्ले आसतालें. पूण तरींय ताका तळटांमदीं घुंवडायत वर्गाची एक तरी फेरी मारप हो प्रतिश्ठेचो विशय आसतालो. मागीर तें जगम उणींच धा मिण्टां वगडायत, आनी आपूण ताका खाता म्हणपाचें वर्गाक दाखयत खावपाचें. जगमां पिकपाच्या दिसांनी हो साग्रसंगीत प्रयोग दर दिसा पांच स फावटीं तरी जातालोच.

मंगल, गुरुदासाची चुलत भयण. ताच्या बापायचें आनी गुरुच्या बापायचें पटनाशिल्लें म्हूण दोगांयचीं बिराडां वेगळीं. देखून मंगलाक जाय तेन्ना गुरुच्या पोरसांत वचपाक मेळनाशिल्लें. गुरूय ताका हेडायत जगमां हेर भुरग्यांक दितालो. मात गुरुचे आवयक मंगल जिवाक जाय आसिल्लें. ती ताका अदींमदीं जगमां दिताली. एक दीस मंगल म्हज्या फाटल्यानूच लागलें काकी कडेन वचून जगमां हाडुया म्हूण. मदली सुटी बरीच व्हडली आसताली. तेन्ना वचपाचो बेत आमी केलो आनी घांट वाजनाफुडें धांवत सुटलीं. ना म्हणल्यार मंगलाचें घर बरेंच पयस आशिल्लें. थंय पावलीं, ताच्या काकीक सांगून पोरसांत गेलीं. मंगलान खोमशी वयर उखलून तिचो कांसाटो कसो दोनूय पायांमदल्यान व्हेलो आनी तें झपाझप झाडार चडलें. पिकिल्लीं आनी ताचे बराबर फाल्यांक उपकारतलीं म्हूण कांय अमुरपिकीं जगमां ताणें काडलीं. म्हाका सकयल उबें रावन ताचेकडेन

मान वयर करून पलोवपाचो आयलो वाज. मागीर हांव थंयच भोंवन पोरसूं पळोवपाक लागलें. इतल्यान म्हजी नदर ताचेर पडली....

पांचल्याच कोराचें तें जिवाणें लक्ष दिवन म्हजी चाल केन्ना सावन पळयतालें देव जाणां. तीनेक हात लांब आसपाक जाय. लिंबाच्या खांदयेर रावन तें वाऱ्यार धोलतालें. आपली बोडकी आणि बरेंचसें आंग ताणे खांदये भायर काडिल्लें. पळयतल्याक दिसचें, तें आत्तां उडकी मारतलें. पांचव्याच कोराची ताची म्हज्या आखाण्यायेदी मोटी बोडकी बारीकसाणीन हेवटेन तेवटेन पळयत अदमास घेताली. कितें जालें कोण जाणा, कसले तरी ओडीन हांव ताचे कडेन वचपाक लागलें. ताणें कांय खिण म्हाका पळयलें आनी मागीर सादूर जावन तें फाटीं ओडपाक लागलें. हांव सोडटा हय? दुसऱ्या हातांत मागीर हांवे ताचे बोडके सकयल धरलें. आतां तें म्हज्या चपक्यांत आयिल्लें. खरखरीत करें आंग. आनी नाजूक.

म्हजो तो पराक्रम मंगलाचे नदरेक पडलो आनी किळांच मारीत तांणे झाडावयल्यान उडकी मारली. ताचे होटयेंत दवरिल्लीं जगमां सगळे कडेन शिंपडलीं. ताच्या धोंपराकूय लागलें. पूण ताका ताचें भान नाशिल्लें. व्हडा व्हडान 'सोरोप सोरोप' अश्यो आड्डी मारीत तें घरा कडेन धांवलें. पूण ताची आवय दोंगरार गेल्ली. आमकां पोरसांत गेल्ली पलोवन ताचे काकयेनूय दोंगराची वाट धरिल्ली. थर्त भियेल्ल्या मंगलान तडक शाळेची वाट धरली. हांव थंय उरलां हाची जाणविकाय लेगीत ताका नाशिल्ली. कितें करपाचें? हातांतलें तें सोबीत जिवाणें सोडून दिवपाचें जिवार आयलें.हांवें थारायलें, ह्या जिवाण्याक पोसप. मामाच्या कुळागरांत बिंबलिणीचेर व्हरून ताका सोडप. बिंबलिणीच्या रुखार एक ल्हानशीच धोल आसा, म्हज्या हाताचो पोसो वतलो इतली. थंय रावतलें तें. ताका घेवन हांव चलपाक लागलें. वाटअनोळखी, पयलेच पावट तर आयिल्लें थंय. पूण मुखार वचतूच रावलें. इतल्यान जनी परगटलें. ताचें घर वाटेरूच आसा म्हणपाचें येतना म्हज्या लक्षांतूच येवंक नाशिल्लें. कळिल्लें जाल्यार वाट वाकडी करून दुसरे कडल्यान वचपाचें हांव. पूण आतां सुटका नाशिल्ली. हांव दिसनाफुडे जनीन अजापान तोंड उगडलें आनी मागीर म्हज्या हातांतलें तें जिवाणें पळोवन तें तोंड कांय खीण तशेंच उरलें.

'अगो, पापणी हें कितें? खंय व्हरता ती हरयाळी? उडय पयलीं शेंवटून. आगो, चाबतली मुगो ती तुका. विखार आसता तिच्या आंगात. उडय तिका'ताणें पांय फाटीं घेत सांगलें. ताच्या तोंडार भंयाचे सांवट आशिल्ले. म्हाका मजाच दिसली ताची. म्हज्या हातांतलें तें जिवाणें जितलें जिवा कातीर भियेल्लें ताचे पररसूय चड जनी भियेल्लें.

'ना, हांव उडोवचें ना ताका, म्हाका पोसपाक जाय तें.'हांवें जाप दिली.

'पिशें लागलां काय कितें गो तुका. मामा फोडून काडटलो चिचेच्या फोकानी असलें अरिश्ट घरांत घेवन वचत तर. उडय ताका.'

'ना, हांव उडोवचें ना'अशें म्हणत हांव परत नेटान चलपाक लागलें. एका हातांत ते हरयाळीची बोडकी आनी दुसऱ्या हातांत शेपडी घेवन. आपल्या मदल्या आंगान ती म्हज्या हाता भोंवतणी रेवाडो घालपाचो यत्न करताली. तिच्या त्या खरखरीत आंगाचो स्पर्श जाय जायसो दिसतालो.

अचकीत कानार बोवाळ पडलो. मुखार पळयत तर पुराय शाळाच म्हजे दिशेन धांवत येताली. फाटोफाट गुरुजी. तांणी आंगावयलो आपलो कोट काडिल्लो. तो सांबाळीत एक भुरगो तांचे फाटोफाट धांवतालो गुरुजीन आपल्या पुडव्याचो कांसाटो जांगेमेरेन मारिल्लो. धांवता धांवता ते मदींच रावताले आनी श्वास घेवन परत धांवपाक लागताले. तांचे खोमीस धामान पुराय भिजिल्लें. भुरग्यांचेर तर कुलकुलाट पडिल्लो.

तें पुरसांव म्हजे कडेन पावलें आनी तटास जाल्लेवरी एका जाग्यार थांबलें. तोंडां उकतीं करून जण एकलो म्हजेकडेन पळोवपाक लागलो. जिवें जिवाणें हातांत धरिल्लें ताणी पयलेच पावट पळयिल्लें. जिवाणें दिसतकच एक तर पळप वा ताका मारून उडोवप हेंच तांका खबर आशिल्लें.

भुरग्यांतल्यान वाट काडीत गुरुजी मुखार आयलो, बाबडो धांपेतालो. दिसलें, जिवाण्याक सकयल दवरचें आनी पयलीं ताचो घाम पुसचो. खरशेतूनच तांणें म्हज्या हांतांतले हरयाळेकडेन दोन खीण पळयलें आनी तो हांसपाक लागलो.

Foundation (R.) ★ Konkani ... मयुर ...

'वशाड पडों गो मंगलाच्या तोंडाक. सोरोप सोरोप म्हणटा म्हणान मी भियेलों पूण ही तर हरयाळी. तिचो रे कसलो भंय? कुट करून चावली जाल्यार चावली. ना तर भियेवन पळपाकूच सोदतली.'गुरुजीन अर्दे स्वताक आनी अर्दें सांगात आशिल्ल्या भुरग्यांक सांगलें. मागीर तो म्हजे दिशेन आयलो. आपले हात मुखार करीत ताणें ते हरयाळेक अळंग म्हजेकडल्यान घेतलें आनी ताचे मदलो निजाचो मास्त भुरग्यांकडेन वळ्ळो.

'ऐरास हिला हरण टोळ म्हणतात'इतले मजगतीं भुरग्यांचो भंय चेपिल्लो. कांय धीट चले मुखार आयले. श्रीपादान येवन हरयाळेच्या आंगाक ल्हवूच हात लायलो. चलयो मात पयसुल्ल्यानूच पळयताल्यो. मंगलाच्या तोंडावयलें भंयाचें सांवट अजुनूय पयस जावंक नाशिल्लें.

'ऐका रे, ठोंब्यानो. हा बीनविशारी जातीतला साप आहे. कसला? गुरुजीचो वर्ग थंय सुरू जाल्लो.

'बिनविशारी'भुरग्यानी एका सुरांत जाप दिली.

'बीनविशारी म्हणजे काय रे, सुनील?'

'गुरुजी. चावना त्या सोरपाक बिनविशारी म्हणटा न्हय?'सुनिलाचे पयलींच गोविंदान विचारलें.

'च्यॅल, ज्याच्या तोंडात विष नाही तो बिनविषारी.'चित्रान ताका परस्पर जाप दिली.

'बरोबर. आणखीन बिनविषारी सापांची नावें सांगा पाहुया'

'गुर्जी, दिवड'

'गुरूजी, माळूण'

'गुरूजी, नानाड्डो'

'हे, गुरुजीक नानाड्डो म्हणटा?'दिनेशाक फकांडांची कूय आयली आनी भुरगीं फसफसलीं. गुरुजींच्या कानार तीं उतरां पडलींच नात. तो हरयाळेंतूच गुंग जाल्लो.

'बरोबर, आनी विषारी सापांची नावे सांगा पाहू....'

'गुरुजी, नाग'

'गुरुजी, घोणस'

'गुरुजी फुरशें'

'शाब्बास. आतां हिला झाडावर सोडुया.' अशें म्हणत गुरुजीन ति हरयाळी लागींच्या रुखाचे ताळयेर व्हरुन दवरली. तिणें आनी फाटल्यान वळून पळयलें ना. तडक तेंगशी गाठली. मागीर गुरुजी म्हजेकडेन वळ्ळो. तोंडार अर्दे हांशे आनी अर्दो राग दाखयत म्हजे ताणशेलो, 'गधडे. ओळखल्या शिवाय सापाला धरतात होय? नागोबा असता तर काय केले असतेस?'

म्हजे कडेन जाप नाशिल्ली.

मुखार गुरुजी आनी फाटल्यान आमी अशी वरात मागीर थंय सावन शाळेकडेन वचपाक लागली. हांव कोण तरी परकी गिन्यावयल्यान आयलां अशे तरेन भुरगीं म्हाका पळयतालीं.

इतल्यान आनीक बोवाळ कानार पडलो. जनीचो आवाज हांवें वळखलो आनी फाटल्यान वळून पळयलें.

जनी बराबर धांपेत येवपी मामाक पळोवन मात हांव थर्त भियेलें. आतां म्हजी धडगत नाशिल्ली.

पुण मामाक पळयना फुडें गुरुजीच मुखार सरलो.

'फार धीट बुवा भाची तुमची. सहज सापास हाताळते. वेणूही असाच साप धरायची. सहज.'

ताच्या उतरानी मामाचो राग निवळ्ळो आसपाक जाय. गुरुजीकडेन कांय खीण उलोवन तो परतलो. जनीचें तोंड मात इल्लेंशें जाल्लें. ताका अपेक्षित आशिल्लें नाटक थंय घडूंक नाशिल्लें.

-¦--¦--¦-

प्रकरण – ९

पायांक भोंवरो बांदिल्लेवरी दीस वचपाक लागिल्ले. राणे मास्तरा बराबर आनिकूय एक मास्तर शाळेंत शिकयतालो. पाटील ताचें नांव. तो बेळगांवच्यान गोयांत आयिल्लो. मामाक ताची तिडक येताली. तो मराठीय सारकें उलयना आमी तेंच अशुध्द मराठी भुरग्यांक शिकयता म्हूण. एक दीस ह्या मास्तराच्या नावान तार आयली. ताचो आवरोच उडलो. तार येवप म्हणजे कितें तरी अघडित जालां अशेंच समजताले तेन्ना. हाका तर इंग्लिशीचो गंध लेगीत नाशिल्लो. ताणें लागसार आशिल्ल्या चारचौगांक तार दाखोवन पळयली. पूण तेय अक्षरशत्रू. फकत म्हजोच मामा ती तार वाचून दाखोवंक शकतलो अशें ताका कोणें तरीं सांगलें आनी तो म्हाका सोदीत आयलो. ताका घेवन घरा आयलें जाल्यार मामाक सुपाऱ्यो सोलतल्या कामेऱ्यांचेर नदर दवरून सोप्यार बशिल्लो. मास्तरान भियेत भियेत ती तार मामाकडेन दिली आनी तो उमळशिकेन मामा कितें सांगता ताची वाट पळोवपाक लागलो.

'तुमची आजी वारली आहे असे तार सांगते.'मामान ताका तारेचो अर्थ सांगलो.

'तर मग मला आताच निघाले पाहिजे.'अशें म्हणत मास्तर थंय सावन तरतरीत गेलो. मामाक मागीर नवो विशय मेळ्ळो. इंग्लिशीचो गंधूय नाशिल्ल्या ह्या मास्तरांची भरती करून सरकारान कशीं पिशेपणां केल्यां ते तो कामेऱ्याक सांगत रावलो आनी तींय सुपारी सोलीत मोन्यांनीं

तें आयकत रावलीं. ती तार मराठींत आयिल्ली जाल्यार लेगीत पाटील मास्तराक समजची नाशिल्ली असो शेरो निमाणेकडेन आवडून मारलो आनी त्या आख्यानाचेर पड्डो पडलो.

पयल्या वर्सा चवथ येता म्हणसर म्हजे पाढे पाठ जाले आनी गुरुजी म्हाका पावकी – निमकी शिकोवपाक लागलो. चवथीच्या निमता तो आमगेर आयलो आनी हांव आवयचे भशेनुच हुशार आसा म्हणपाचें ताणें आजयेक सांगलें. आजयेन ताका त्या दिसा आग्रो करून आमगेर जेवपाक दवरून घेतलें आनी वतना उकड्या तांदळांची एक, नाचण्याची एक आनी सुकयिल्ल्या मिरसांगांची एक अश्यो तीन पोटल्यो सांगाताक दिल्यो. आवडू तणतणपाक लागलें. मास्तराक सरकार खंय पगार दिता, मागीर लोकांनी ताका आनीक कित्याक दिवप असो ताचो प्रश्न आशिल्लो. आवडूचो चलो, मोती, चारूच दीस शाळेंत गेल्लो आनी शाळेफाटल्यान वचून विडयो ओडटा म्हूण गुरूजी कडल्यान हेतिश्ट मार खावन परत आयिल्लो. आपल्या चल्याक कित्याक मारलो अशें विचारपाक आवडू शाळेंत गेल्लें तेन्ना ताका थंय गुरुजीकडल्यान तर बातेरी पडलीच, पूण आमगेर येतकच मामानूय तापोवन काडलें. तेन्ना सावन ताचो गुरुजीचेर राग आशिल्लो. आत्र्या पयन्यान तें म्हाका गुरुजी कसो मारता तें सांगत रावतालें 'मोतीचे फाटिर मुगो, येदो, आखाण्याइतलो दाट वळ आयिल्लो. मनीस न्हू तुजो तो मास्तर. भुरग्याक म्हूण असो मारतात? ओडू तेणें ओडली जाल्यार इडी. तेचो बापूय ओडटालो, आतां तो ओडटा. कुळवाड्याच्या पोरान इडी ओडलीना जाल्यार कोण, बामणाचो पोर ओडटलो? ह्या घाटयांक कितें कळटां तितुंतलें?'मामा ना सो पळोवन आवडूचो युक्तीवाद सुरू जातालो आनी तो घाटयांक खेंपत सोंपतालो.

शाळेक वचप म्हळ्यार मास्तराचेर उपकार करप अशें समजुपी भुरगीं आनी जाणटींय गावांत खूप आशिल्लीं. चडशा जाणांकडेन पुस्तकां नाशिल्लीं. तांका तांची गरजूय पडनाशिल्ली. गुरुजीकूय ती पडनाशिल्ली. भुरग्यांक जें आपुण शिकयतां ते तोंडपाठ येवपाक जाय हो ताचो हट्ट. तो घरा काडचे खातीर चडूच जाल्यार पाढे सांगतालो वा गणितां दितालो. मागीर हांव वा चित्रा वा गोविंद हांचे फाटल्यान भुरग्यांनी लागप. तातुतल्या

तातूंत आमचें गणीत बरें आशिल्लें. आमी काडले म्हणटकच भुरगीं हक्कान आमची पाटी मागून घेताली आनी आमी बरयिल्लें जशाच्या तशें उतरायतालीं. दनपरां शाळा सुरू जाताली तेन्ना बरीच भुरगीं जेविनासतनाच येतालीं शाळेंत. आवय शेतांत गेल्या, कुळागरांत गेल्या आनी रांदून दवरूंक ना म्हूण सांगताली. पेज आमी सकाळीं जेवलीं अशेंय ताणी सांगप. अजाप जातालें म्हाका. सकाळीं म्हूण पेज जेवतात? तीं फकत पेज जेविनात तर खारेंय तोंडाक लायतात अशें एकदां चित्रान म्हाका सांगलें. म्हाका खरेंच दिसलें ना. हांवें रीमाक विचारलें, घरा येतकच आजयेक विचारलें. तांणींय तेंच सांगलें. गरिबांक चपाती आनी भाकरी परवडना. शीत परवडटल्याक चपाती कशी परवडना तर? म्हाका गणीत कळ्ळेंच ना.

दनपारचीं दोन. अडेच जालीं म्हणटकच ह्या भुरग्यांक भूक लागताली. मागीर इल्लेंशें तोंड करीत तीं गुरुजी कडेन घरा वचपाक परवानगी मागतालीं. गुरुजीय तांका ती बेगोबेग दितालो. अर्दवरा उपरांत तीं भुरगीं परतताली. तितले म्हणसर मदली सुटी जाताली. म्हाका त्या भुरग्यांचो दुस्वास सो दिसूंक लागलो. तांका बरी वरभराची मदली सुटी मेळटा म्हूण. एक दीस हांवेंय तांचे वरी करपाचें थारायलें आनी उठून उबें रावलें.

'काय, मयुरीस काय हवें?' गुरुजीन विचारलें.

'गुरुजी, जेवायला जाते.'

'दुपारी नाही जेवलीस की काय?' गुरुजीच्या तोंडार हांसो कित्याक उदेला तें कळ्ळें ना म्हाका.

'नाही. आजीला बरे नाही म्हणून तिने जेवण नाही केले.' हांवें त्या खिणाक सुचली ती फटास सोडून दिली. आजयेचें नाव आयकनाफुडें गुरुजी तटास जालो. ताणें कुरवेनूच म्हाका घरा वचपाक सांगले.

वर्गाच्या भायर आयलें. सगले कडेन रणरणीत वत पडिल्लें. आनी किण्ण शांतताय. झाडांचे पान लेगीत हालनाशिल्लें. शाळा लोकवस्तेपसून तशी पयसूच आशिल्ली. देखून लोकांचो राबितोय नाशिल्लो. कोणाचे येवप - वचप नाशिल्ले. करतलें कितें? परत शाळेंत गेलें जाल्यार गुरुजीक

कळटलें आशिल्लें. तो म्हाका लजेक घालतलो आशिल्लो. चॅ, आतां वर भर तरीं शाळेंत वचप ना - हांवें थारायलें आनी शाळेच्या फाटल्यान सरून हांव एके पांय वाटेन वचपाक लागलें. ह्याच पांय वाटेन बेबी शाळेंत येता तें पळयिल्लें हांवे. बेबी येता म्हणचे मुखार गेल्यार घरां मेळटलींच हो म्हजो तर्क.

चार पावलां मुखार वतकच रान दाट जावपाक लागलें. मनशां वरीच रानूय दनपारचो विसव घेता काय कितें? - म्हाका प्रश्न पडलो. व्हडले - व्हडले रूख थंडपणान आपल्या जाग्यार उबे आशिल्ले. पायांपोनचें करड सुकिल्ले. ताचेर सुकीं पानां पडिल्लीं. खंय तरी एक सुकणे कर्कश आड्डुतालें. दनपारच्या कडार ताचो तो आवाज पाटयेचर कंवचेन ओडिल्लेवरी दिसतालो. मनांत आतां भंयान पावल दवरलें. परतून गेल्यार कशें? पूण नाकाच. संद मेळ्ळ्या तर भोंवया मातशें म्हणत मुखार गेलें.

अचकीत रान सोंपलें आनी शेंतांचो आवाट सुरू जालो. लांब लांब पसरिल्लीं शेतां आनी तांचे मदले बांद. त्या बांदा वयले माडूय थीर उबे आशिल्ले. शेतां पिकपाक लागिल्लीं. ताचो पोपटी कोर आतां हलदुवो जावपाक लागिल्लो. केसरांतल्यान भातां भरपाक लागिल्लीं. त्या भातांचेर कीर आनी सुकणीं घुरयो घालतालीं. माडांचेर सुकण्यांचे घोटेर लोंबताले. चोचींत भाताचें केंसर घेवन मदींच एकाद्रें सुकणें आपल्या घोटेरांत रिगतालें. तें ज्युस्त आपल्या घोटेरांत कशें रिगता काय? बाटलेच्या बुराकावरी आशिल्ल्या त्या घोटेराच्या बुराकांत ज्युस्त नेम धरून तें वता कशें हाचें म्हाका आजाप दिसलें. कांय वेळ हांव त्या सुकण्यांकडेन पळयत रावलें.

तशेंच हांव मुखार गेलें. बांद सुरु जालो. मदीं अरुंद वाट आनी दोनूय वटांनी शेतां. कमरे मेरेन वाडिल्ली शेतां. तांचो आवाट पळयत मुखार गेलें. इतल्यान नदर पडली एका कपड्याचेर. कितें आसतलें काय हांगा? धीर करून मुखार वचून पळयलें. कोणाचो तरी बुशकोट आशिल्लो तो. बांदार मुखार नदर मारली, फाटल्यान वळून पळयलें. कोणाचीच सुलूस नाशिल्ली. मागीर, कोणाचो बुश्कोट हो? हांवे ल्हवूच तो बुश्कोट उखल्लो. कांय कडेन पिंजिल्लो तो. हांवें बोल्सांत हात घालो, विडयांचे

एक बंडल आनी दोन रुपयांच्यो दोन नोटी हाताक लागल्यो. हांव उचांबळीत जालें. बशिल्लेकडेन म्हाका चार रुपया मेळिल्ले. घरा मामा वा आजी म्हाका चुकून लेगीत पयशे दिनाशिल्ली. तीन पयशांचें खटखटें हाडपा खातीर एकदां हांवें आजयेकडेन पयशें मागले जाल्यार तिणें वरभर रांदचे कुडींत खपून म्हाका खटखटें करून दिलें, पूण पयशे मात दिले नात.

आतां मात म्हजेकडेन चार रुपया आशिल्ले. हांवे हिशोब केलो, त्या पयशांतल्यान हांव पांचेक म्हयने खटखटीं खावपाक शकतलें. सप्तकाची सात खटखटीं घेवन बोटव्यात दवरप.

'हय....'पयसुल्ल्यान आवाज कानार पडलो आनी हांवें आंग काडलें. कोण तरी म्हाकाच आड्डुता म्हूण कळपाक कळाव लागलो ना. तो बुसकोट दवरिल्लो मनीस तोच आसतलो हेंय होलमलें. थरथरत हांवें बांदाचे दोनूय वटांनी पळयलें कोणूच नाशिल्लो. मागीर, आवाज खंय सावन आयलो तर? भुताटकी काय कितें? भंयान म्हजी गुळी जाली.

'हय...कोण थंय?'परत आवाज आयलो आनी ताची दिशा म्हाका कळ्ळी. आवाज शेतांतल्यान येतालो. भिरभिरत म्हजी नदर शेतांत म्हेडींचेर उबारिल्ल्या खोपटाकडेन गेली. त्या खोपटांतल्यान एक तकली भायर आयिल्ली आनी उरिल्लें आंग भायर येतालें. तो रीमाचो बापूय म्हूण हांवें पळयना फुडें वळखलें. एक दीस बरो तर्र जावन तो शाळेंत आयिल्लो, रीमा घराकडेन सारकें शिकना म्हूण गुरूजीक सांगपाक. तेन्ना ताच्या हातांत पेरीची बडी आशिल्ली आनी वर्गांत येवन ताणें ती रीमाचे फाटीर मारिल्ली. रीमाचे रडून सुजिल्ले दोळे म्हज्या दोळ्यांसामकार आयलें. आतां म्हजी घडगत ना म्हूण कळ्ळें आनी जिवाच्या आकांतान हांव धांवपाक लागलें. कानात वारो भरिल्ले वरी, बांदावयले लज्जेच्या झोपांतल्यान पायांक बुड्डून घेत धांवत रावलें. फाटल्यांतल्यान बरोच वेळ रामीच्या बापायची साद कानार पडटाली.

बांद हुपून परत रानांत पावता म्हणसर म्हाका खरस लागली. अदमास घेत हांव थंयच रावलें. रीमाचो बापूय शेतांतल्यान भायर सरून बांदाचेर धांवत येतालो तो दिसलो. देंवन तो आपल्या बुश्कोटासरीं

आयलो आनी ताणें बुशकोट उखल्लो. ताणें बोल्स तपासलां आसपाक जाय. ताचे पयशे थंयच आशिल्ले. बुश्कोट घेवन तो परतलो. म्हाका स्सू....जालें. पूण आता थंय गणोवपाचें ना, तडक शाळेंत वचपाचें अशें थारावन हांवें पावल उखल्लें. आयिल्ले वाटेन शाळेंत पावलें. वर्गाच्या दारार उबें रावतनाच म्हाका कळ्ळें, गुरुजी शाळेंत ना.

मेजामुखार उबो रावन गोविंद भुरग्यांचेर नदर दवरतालो. हांव म्हज्या जाग्यार वचून बसलें.

'गुरुजी? ना मेळूंक, खंय गेला तो?'

'आगो, तुमगेरूच गेला मुगो तो. आमकां तशेंच सांगून गेला.'

म्हाका पोटांत घास मारिल्ल्याचो भास जालो.

'आमगेर? आमगेर सो कित्याक?'

'हांव सांगू? तुवें आजी बरी ना म्हूण सांगलेले न्हू तेका? तिची खबर घेवपाक गेला आसतलो तो.'

एकाच वेळार घरचीं आनी शाळेंतलीं हांचे मुखार लज करून घेवची पडटली, मारूय खावचो पडटलो ह्या भयान म्हाका कांयच सुचना जालें. दिसलें, अशेंच धांवत वचचें आनी खंय तरी लिपचें. अशा जाग्यार वचचें जंय म्हाका पोटभर खावपा जेवपाक मेळटलें, पूण म्हजे यादीन घरचीं आनी शाळेंतली व्याकूळ जातलीं, म्हाका सोदीत भोंवतली...

तेय परिस्थितींत म्हज्या दोळ्यां सामकार चित्रां नाचपाक लागलीं, आजी, मामा आनी गुरुजी म्हाका सोदीत चारूय दिशांनी भोंवतात. वाटेंत मेळिल्ल्या दरेकल्याकडेन म्हजी चवकशी करतात. आजयेच्या दोळ्यांतलीं दुकां तर कशींच थांबनात. मिण्टा मिण्टान ती म्हाका उले घालीत आसा, म्हाका केन्नाच कांयच म्हणचीना म्हूण गवाय दीत आसा. वाटच्या वाटाऱ्या पसून कामाक्षे मेरेन सगळ्यांक उलो घालीत हांव मेळचें आनी बेस बरें आसचें म्हूण आंगवण करीत आसा....

म्हजी तंद्री म्होडली ती वर्गांतलो बोवाळ उणो जालो म्हूण. हांवें दारांत पळयलें. गुरुजी उबो आशिल्लो. तोंडार तिडकीची भावना दिसता काय म्हूण हांव बारीकसाणीन पळोवपाक लागलें. पूण तशें कसलेंच चिन्न दिसनाशिल्लें. कितें जालां आसतलें काय? हो खरोच आमगेर गेला

आसतलो? काय अर्दे वाटेवयल्यानूच परतला आसतलो? म्हाका कांयच कळना जालें. पूण गुरूजी तिडकूंक ना देखून हांवें मनांतल्या मनांत सुस्कार सोडलो.

मदली सुटी सुरू जाली आनी सोपलीय बी. परत वर्गाक सुरवात जाली. गुरुजी ह्या वेळार सदांच इतिहास शिकयतालो. हो ताचे आवडीचो विशय, भक्त प्रल्हाद, धृव बाळ हांच्यो काणयो सांगतना ताच्या दोळ्यांच्यो पातकड्यो ओल्यो जाताल्यो. मामा ह्या इतिहासाक हांसतालो. 'आगो, ह्या पुराणांतल्या वांयग्यांक इतिहास म्हणचा तुमचें शिक्षण खातें? अशें तो सदांच म्हणटालो. ताच्या उलोवपाचो अर्थ कळनाशिल्लो. आमकां शिकयतात तो इतिहास न्हय इतलें मात कळटालें. पूण त्या पुस्तकांतलें नाट्य आनी तंद्री लावन शिकोवपाचें गुरुजींचे कसब हांका लागून तो म्हजो आवडीचो विशय जाल्लो.

पुण गुरुजीन ते दिसा इतिहास शिकयलोच ना. ताणें आमकां पाढे काडूंक सांगले. 'तुम्हाला जितके येतात, तितके काढा.' अशें सांगून तो जनेलांतल्यान भायर पळयत रावलो. भुरग्यांनी कांय वेळ पाटयेंत मन रमयलें. मागीर तिंय वाजेलीं. एकामेकाच्यो कळी काडपाक सुरवात जाली. मंगलान ल्हवूच काणयेचें पुस्तक दप्तरांतल्यान काडलें आनीक तें वाचपाक लागलें, सुनील सदचे भशेन शिवाजीचें तोंड पितारपाक लागलो. दिनेशान गिरगिरें करपाक सुरवात केली. गुरुजीचें लक्षूच नाशिल्ले. बोवाळ वाडलो जाल्यार मात तो दोळे मोटे करून आमचेकडेन पळयतालो, तितलोच. कितें जाला आसतलें काय ताचें?

शाळा सुटपाचो वेळ जालो. आमची चुळबुळ सुरू जाली. गुरुजीच्या लक्षांत तें आयलें. एक लांब सुस्कार सोडीत तो आपल्या मेजाकडेन गेलो. आपल्या सामानाची आवराआवर केली. माथ्यावयली तोपी सारकी केली. मागीर म्हजे दिशेन पळोवन सांगलें, 'मयुरी, तुझ्यासाठी गांधी जयंतीचे भाषण लिहिले आहे. मी घरीच विसरलो ते. आतां माझ्या बरोबर चल आनी घेऊन घरी जा. उद्या रविवार आहे. पाठ करून ठेव.'

गुरुजीन आपल्या घरा केन्ना कोणाक आपयल्याचें वर्गांत कोणाकूच खबर नाशिल्लें. आयची ही पयलीच फावट, वर्ग अजापान म्हजेकडेन

पळयता असें म्हाका ओगीच दिसलें. स्वताचो अभिमानूय दिसपाक लागलो. आता गुरुजीच्या घरांत वचपाक मेळटलें, तें घर भितरल्यान पळोवपाक मेळटलें... गुरुजीगेर घरा ताची बायल आसा म्हूण आमी जाणां आशिल्ली. ताका एक चलोय आसा आनी तो मुंबय पोस्टांत आसता, दोन तीन वर्सांनी तो येता आनी रोखडोच वता अशें तिसरे चवथेंतली भुरगीं आमकां सांगताली. चल्यान खंय गुरुजीक सांगनासतना लग्न केलां अशेंय तीं उलयतालीं आनी गुरुजीच्या घराविशींचे गुढ वाढयतालीं. आयज त्या गुढांत पासय मारून येवपाची संद म्हाका मेळिल्ली.

लांब घंटा जाली. भुरगीं भायर सरतकच गुरुजीन वर्गाक चावी केली आनी पडवेचेर वाश्याक आडकयिल्ली आपली सत्री घेवन तो वचपाक लागलो. फाटोफाट हांव. पांचव्याचार तणाचे वेंगेंत शेणिल्ली पांयां पोनची वाट माड्डीतना जीव सुखाविल्लो. सांजेचे मळब तांबश्या रंगांनी भरून वचपाचे तयारेंत आशिल्लें. अजुनूय हयन्हयशीं वतां दिसतालीं. पिकपाक आयिल्ल्या शेतांच्या हळदुव्या कोरांत त्या वतांचो हळदुवोच रंग भरसून गेल्लो आनी सगले कडेन भांगर पिकलां कशें दिसतालें. चलतां चलतां गुरुजीचे घर केन्ना आयलें तें कळ्ळेंच ना.

पडवेचेर गुरुजीची घरकान्ना बशिल्ली. तिका कितें म्हूण उलो करपाचें तेंच कळ्ळें ना म्हाका. पूण म्हाका पळोवन ती हांसली. 'वेणूची पोर नां?' तिणे घोवाक विचारलें. ताणें मान हालयली. 'ये गो. आंत ये' अशें म्हणत तिणें मांडयेवयलें तांदळाचे सूप कुशीक सारलें आनी म्हाका हाताक धरून भितर घेवन गेली. मान्नें दाखयत तिणें म्हाका हातपांय धुवपाक लायले. मागीर रांदचे कुडींतल्या काळखाकडेन झगडत, खुडकुड करीत एक डबो उगडलो आनी मुगाचे दाळीचो लाडू काडून, बस्येंत घालून म्हज्या मुकार दवरलो. मातयेच्या बुडकुल्यांतल्यान उदक काडून पिवपाचो पेलो भरलो आनी ती गुरुजीखातीर च्या करपाक लागली. मजगतीं गुरुजीनूय आपलो कोट आनी धोतर सोडयलें. धोतरा वरीच कासाटो घाल्लो वालो न्हेसून आनी एक बंडी चडोवन तो रांदचे कुडींत आयलो. थंय जमनीर एक पाट दवरिल्लो. ताका तेंकून वण्टीक आनीक एक पाट तिरपो लायिल्लो. ही गुरुजीची सदांचीच सुवात आसपाक जाय.

तडक वचून गुरूजी त्या पाटार बसलो. घरकान्नान ताचे मुखार च्यायेचो पेलो दवरलो आनी दुसरे बशयेत लाडू. गुरुजीन वेळ लायत तो खाल्लो. हांगा म्हजी चुळबुळ सुरू जाल्ली. ताच्या लक्षांत तें आयलेंच.

'काय गो? कसली घाई लागलीय?'

'गुरुजी, भाषण?'

'देतो मगो. कुठें पळून जातेयस?' ताच्या प्रश्नाक म्हजेकडेन जाप नाशिल्ली. हांव त्या रांदचे कुडींतल्या काळखांतूच कुडीचो अदमास घेवपाक लागलें. मदींच गुरुजींकडेन पळयतालें. तोय कसली तरी तयारी केल्लेवरी आतां आपल्यांतूच गुल्ल जाल्लो. म्हजी अवतिकाय वाडली. इतल्यान ताणें ताळो खरवडले वरी केलें आनी म्हजेकडेन पळयत बायलेक म्हणपाक लागलो,

'वेणूची पोर, पण वेणू सारखी नाही हां.'

'म्हणजे हो काय?' तिणेंय म्हजे कडेन बारीकसाणीन पळयत विचारलें.

'एनढ्याश्यात वयांत खोटें बोलते मगो ती. वेणू अशी होती काय गो?'

हेदोळचोच घास परत पोटांत मारपाक लागलो. गुरुजीन हे खातिरूच आपयल्लें काय कितें म्हाका?

'अगो, आज आजी आजारी असल्याचे सांगून घरी जेवणास मगो गेली ही. मग माझ्यान नाय जालें रवांक. तिचे हातचें अन्न मगो खाल्लेन मी सात वर्सां. तसोच धांवलो खबरेक, तर ती रव्याचे लाडू करताली. काय तें समाजलों आनी असोच येयलां म्हणत परतलों.' कितें करचें तेंच कळना जालें. दिसलें ह्या काळखाक एक व्हडलें तोंड फुटचें आनी ताणें म्हाका गिळून उडोवचें.

गुरुजीची घरकान्नूय बरोच वेळ ओग्गी रावली. मागीर ती शांतताय तिकाय चिमटावक लागली शी दिसता. 'जावं द्या हो. ल्हान पोर ती. चुको जाततच. दुसऱ्या फावट नाय करची असां.' अशें म्हणत ती म्हजे सरीं आयली. तिचो हात म्हज्या माथ्यार भोवपाक लागलो आनी इतलो वेळ आडावन दवरिल्लो दुकांचो बांध फुटलो. हिमट्यो दीत हांव रडपाक

लागलें. गुरुजी आपल्या हातांतल्या च्यायेच्या पेल्याकेन खेळिल्लेवरी करतालो. कांय वेळान तो म्हजेसरीं आयलो. म्हाका ताणें पाटावयल्यान उखल्लें आनी तशेंच धरून भायर व्हेलें. तिनसांज आतां बरीच सकयल देवपाक लागिल्ली. घरा आजी म्हजो हुसको करतली म्हणपाची जाणविकाय जाली. गुरुजीक ती कशी होलमली, कोण जाणा. 'काळजी करू नको. तुला मी घरी घेऊन जातो थोडा वेळ असे सांगितलेय तुझ्या आजीला.'अशें म्हणत ताणें आंगणांतल्या सोप्यार म्हाका अळंग सकयल दवरलें.

ताच्या तोंडाकडेन पळोवपाचें बळ नाशिल्लें म्हज्या आंगांत.

मळबाच्या आयदनातल्यान निस्तूपी दिसाक पळयत रावलें कांय खीण.

'मयुरी, माणसाची जीभ वाईट असते गो. ती त्याला सिंहासनावरून चिखलात सुध्दा नेते. तिच्यावर ताबा असायला हवा. खोटे कधी बोलू नये माणसाने. सवय लागते त्याला आणि तीच त्याचा सर्वनाश करते. तुझ्या आजीच्या घरचे अन्न मी काल्लेय, म्हणून तुझ्याविषयी वाटतेय. तू माझ्या शाळेत असताना चुकीच्या वाटेने गेलीस तर वेणूचा विश्वासघात मी केल्या सारखे होईल, बघ. अगो, तिनेच तर तुला माझ्या शाळेत आणलंय मगो...'

धीर एकवटावन हांवे गुरुजीच्या दोळ्यांत पळयलें. जाल्यार थंय दुकांच्यो धारो लागिल्ल्यो. त्या जाणटेल्याचे वेंगेंत रिगचें आनी मनमेकळें जायसर रडून घेवचें असें दिसलें. पूण धीर जालो ना. मात हो जाणटेलो म्हजोच कोण तरी आसा हाची जाणविकाय रंध्रांत रिगत गेली तशी मनाक ताकाय मेळ्ळी. दुकां पुशीत हांव उठलें. 'गुरुजी. आयच्यान केन्नाच फट उलोवचें ना हांव'निर्धारान हांवें ताका सांगले.

ज्युस्त त्याच खिणाक ताची घरकान्न पोशांत पणटी घेवन आंगणात आयली. तो पणटेचो कवळो, शांत उजवाड तिच्या मुकामळार पडिल्लो. काळखाक चिरीत तो उजवाड आतां आंगणभर जावपाक लागलो. म्हाका दिसलें, त्या उजवाडाचींच किरणां म्हाकाय रेवाडून घेतात, कसलें तरी चैतन्य म्हजे भितर पसवतात.

'चलात. आता पोचवा बघू पोरीस. घरी वाट बघतील.'तिणे गुरुजीक

सांगलें. तो उठलो. हातांत कोनशाक दवरिल्लो दाणो घेतलो आनी दुसरो हात म्हज्या दप्तराकडेन केलो. तशें हांव धांवत गेलें आनी म्हजें दप्तर खांद्यार आड्कयलें. तें गुरुजीन धरून म्हाका लज करून घेवपाची नाशिल्ली. गुरुजी मिशयानींच हांसलो. 'आधी त्या पणतीला नमस्कार कर.'ताणें म्हाका सांगले. नकळत म्हजे हात जोडले. बोटांच्या तोकाक तकली तेकयत हांवें आईक दोळ्यां मुखार हाडली आनी गुरुजीच्या फाटल्यान वचपाक लागलें. बरोच वेळ आमी चलतालीं. मदींच गुरुजी उबो रावलो आनी फाटल्यान म्हजे कडेन पळयत ताणें म्हणलें, 'हे बघ, तुझ्या घरी मी यातले काहीच सांगितले नाही. तू पण सांगू नकोस. त्याना एरवीच व्याप फार असतो.'

'ना, गुरुजी.हांव सांगतलेंच. आतां हांव आजयेक आनी मामाक फटोवचें ना. मारतात जाल्यार मारूं म्हाका.'

मुमुरख्यांनी हांसत गुरुजी मुखार वचपाक लागलो. आतां रात सारकी देंवन सकयल आयिल्ली. रातकिड्यांनी सूर लायिल्लो. मदींच एकसुरो बेबो तांच्या सुरांत आपलो सूर घुसपावपाचो यत्न करतालो. घरांतल्यान पेत्रोलाचे दिवे पेटूंक लागिल्ले आनी तांचो हळदुवो उजवाड झुडपांतल्यान, पांख्यांतल्यान वाट काडीत आसमंतांत भरसूंक लागिल्लो. म्हजें घर आयलें. गुरुजीन मामाक उलो घालो. मामा पडवेरूच आशिल्लो. तो आंगणांत आयलो. ताचे कुशीकच्यान हांव घरांत गेलें. शाळेचे कपडे काडून सदांचे कपडे घाले. हात पांय धुवन देवाक पायां पडलें आनी शुभं करोती म्हणपाक बसलें.

त्या अर्ध्या आदेसाच्या अणभवान हांव खूप व्हडलें जालां, शाणें जालां म्हणपाची जाणविकाय आंगापांगात देंवपाक लागली.

-।--।--।-

प्रकरण - ८

'दिवाळी जातकच आमी मडगावां रावपाक वयतलीं. थंय म्हाजो काका आसा. तेणे आपल्यागेर रावपाक आपयलां आमकां. मागीर आमी थंयच रावतलीं. मडगांवांत कसली मजा आसा, जाणा तूं? काकाचो चेडो, राकेश सांगतालो थंय व्हडली बाग आसा म्हूण. त्या बागेंत खंय झोपाळे आसात आनी घसरगुंडीय आसा. आनी मडगांवांत खंय रेल्वे आसा. पन्नास बशी आसात खंय. आनी शंबर पसरे आसात.'

मंगल म्हाका मडगावचें वर्णन सांगतालें. ताच्या उतरांतल्यान हांव एक चित्र रंगोवपाक लागलें. मडगांवचें.

दिवाळेची सुटी चार दिसांचेर आयिल्ली. आमच्यो परिक्षा चलताल्यो. पेपर सोपोवन आमी मदले सुटयेची वाट पळयतालीं. इतल्यान मंगलान मडगांवचें आख्यान सुरु केलें.

शाळा अर्ध्यारुच उडोवन मंगल दुसऱ्या गावांत कित्याक वता हें मात म्हाका होलमनाशिल्लें. मंगल शिकपाक तशें उजवें. गुरुजीन सांगिल्लें रोखडेंच कळटालें ताका. कळना जाल्यार दुसरे दीस सकाळीं मुजरत आमगेर येतालें आनी म्हजेकडल्यान समजावन घेतालें. आतां ते शाळा अर्ध्यार सोडून आपल्या आवय - बापाय सांगातान मडगांवां वचपाचें आशिल्लें.

मंगलान दुसरे दीस नवी खबर हाडली. मडगावांत खंय ताच्या बापायक काम मेळिल्लें. कोण तरी नायक म्हणून व्हडलो पसरकार आसा.

ताची मंगलाच्या काकाकडेन वळक. ताका मानाय जाय, कड्डुणाचे साक ट्रकांतल्यान देवोवपाक. ट्रकांत उरता तें कड्डुण मानायांक मेळटा. ते भायर दिसवडो. हांगा तर कांयच मेळना. उपाशी रावचें पडटा. ते परस मडगांव कितलेंशेंच बरें अशें मंगलाच्या पापाचें म्हणणें. ते भायर मंगलाचे आवयकूय थंय काम सोपेपणी मेळटलें अशेंय ताच्या काकान तांका सांगिल्लें. मडगावात वचून रावपाचो तांचो निश्चय जाल्लो.

'आगो, पूण हांगा तुमचें घर आसा, शेत आसा, ताचें कितें करतलीं?' हांवे ताका विचारलें. मंगलाचे पोरसूं म्हज्या दोळ्यांमुखार आयलें. तरातरांची भाजी ताची आवय त्या पोरसांत पिकयताली. पावसाच्या दिसांनी तर मंगलाच्या बोटव्यांत केन्नाच पिपऱ्यो फाल्त नासताल्यो.

'दाय म्हणटा, घर कोण्ण खंयच घेवन वचना. आनी येंत भर शेताक लागून आमी फाटीक पोट लावन कित्या रावपाचें अशें म्हणटा तो. मडगावां गेल्यार दोन वेळार पेज तरी सारकी पोटांत पडटली खंय आमच्या. आनी म्हाका जाय तितलें शिकोंक मेळटलें. कोलेजीक वचोंक मेळटलें खंय. आनी, जाणा मगो? थंय शिनिमाय पळोवंक मेळटा खंय. तूं सुटयेंत यो आं आमगेर, हांव तुका शिनिमाक घेवन वयतलें.'

सिनेमाचें नांव आयकनाफुडें हांव उचांबळीत जालें खरें, पूण मंगल आमकां सोडून वता हाची जाणविकाय मात मन जड करून गेल्ली. ते जडसाणी मुखार सिनेमाचें अप्रुप नाशिल्लें म्हाका.

घरा येवन हांवें आजयेक ती खबर सांगली. तिणे एक व्हड सुस्कार सोडलो आनी म्हणपाक लागली, 'आनीक एक बिराड चल्लें तर गांव सोडून. तांणी म्हूण कितें करपाचें? पोट भरूंक नाका? आसा कितें ह्या गावांत, शेतां आनी कुळागरां सोडलीं जाल्यार? वेंतभर शेतांनी आनी बोटभर कुळागरांनी म्हूण पोट भरता?'

तिनसांज जातना केन्ना न्हय तो गुरुजी आमगेर पावलो. मामाक पळयनाफुडें ताणें मंगलाच्याच घराब्याचो विशय काडलो. म्हाका कळना जालें, म्हजेवरी हीं सगळी कित्याक अस्वस्थ जाल्यांत तीं.

'आमी कोणा कोणाक आनी कशे म्हूण आडायतले,

मास्तर?'मामान ताका प्रश्न केलो, 'आडायले जाल्यार तांच्या पोटापाणयाचो प्रश्न आमकां सोडोवचो पडलो ना?'

'होय रे, पूण फाटल्या तीन वर्सांत वीस घरां हललीं मरे गांवचीं. वर्सातून एकदां सुध्दां येयनात देवाक आनी पुरसाक बगपाक. असांच जायत रवलां म्हणजे गांव न्हूरे उजाड जातलो.'

म्हाका गुरुजींचे अजापूच दिसलें. हो गावान गोंयचे शिमे पलतडचो. म्हज्याच आज्यान खंय ताका हांगा हाडिल्लो, भुरग्यांक शिकोवपाक म्हूण. ताचीं आतां दोनूच वर्सां उरिल्लीं, रिटायर जावपाक. मागीर खरें तर ताणें आपल्या गावांत वचूंत नाका? तशें आसतना तो आमच्या गांवचो हुस्को कित्याक करता काय?

'मास्तर, गजो असोच गेलो फाटल्या मिरगा पयलीं. तेन्ना हांवें तरातरानी समजायलें ताका. ताका निदान दोन वेळची पेज तरी मेळटाली. कामाक चार दीस आयलो ना जाल्यार लेगीत आई ताचे बायलेक ठरिल्ले प्रमाण म्हयन्याचें भात - तांदूळ दिताली. पूण हांव आडावंक गेलों तेन्ना ताणें कितें म्हणलें जाणात? आपलें बरें जाल्लें तुमकां नाका, आपणें अशेंच तुमच्या कुळागरांत मरपाक जाय म्हूण तुमी आडायतात असो आरोप केलो ताणें म्हजेर. मागीर हांवूय ओगीच रावलो. आतां पळयात ताका. मडगावां प्रासार खंय हमाली करता आनी जोडिल्ली जोड सोऱ्याक वगडायता. बायल कोणाकोणागेर आयदनां घासता तर तिचे जोडीचेरूय हाचो दोळो. चवथी कडेन आयिल्ली तेन्ना दोळ्यांत दुकां हाडून सांगताली म्हाका शारांत वचून चूक केली म्हूण. तेन्ना हांवे परत येयात म्हूण सुचयलें तर ओगीच रावली. शाराची ओडूच तशी आसता, मास्तर.'मामान ताका जाप दिली.

'अरे, पूण हेंचे वाडवडील रवले नात हांगा? काय तेय मेले पोटाक अन्न ना म्हूण?'

'जाण्टेल्यांकडेन कश्ट करपाची तयारी आशिल्ली. देखून भूंय खणून भांगर पिकयलें तांणी. आतांच्या पिळग्यांक बसून खावपाक आवडटा. देखून शारांचे वेध लागतात.'मामान जाप दिली. निरशेवणी ताच्याय तोंडार पातळ्ळ्याचें स्पश्ट दिसतालें म्हाका. कोण तरी शारांत

वता रावपाक, सुखांत जियेवपाक जाल्यार हांका कित्याक वायट दिसपाक जाय? रातीं सगळें आटपून आजी म्हजे कुशीक न्हिदपाक आयली तेन्ना तिका विचारले बगर रावं नजो जालें.

'तांचे बरें जाता जाल्यार आमकां गो कित्याक वायट दिसतलें? पूण तुका दिसता तितलीच न्हय ती गजाल. लोक हांगा आपलीं भाटाबेसां वाऱ्यार उडोवन शारांत हमाली आनी सटर फटर कामां करपाक म्हूण वतात. त्या कामांत ना मान, ना प्रतिश्ठा. दुसऱ्याचे मर्जेचेर हांचो फुडार. उठ म्हणल्यार उठपाचें आनी बस म्हण्टकच बसपाचें. नोकरी कितलो तेंप हाची ना शाश्वती. ते भायर शारांत वतकच हांका वेसनां येवजतात. ते परस हांगा रावन शेतां कसलीं जाल्यार मानान दोन वेळचें जेवण सुटचें ना?'

म्हजो गोंदळ उणो जालो ना.

'आगो, सगळींच जर अशीं शेतां सोडून धांवपाक लागलीं जाल्यार गावांत कितें म्हजे असले म्हातारेनूच रावपाचें? तुज्या मामान वसयलें ना आपलें कुळागर? तुजो आजो गेलो तेन्ना कुळागरांत पन्नास माडयो लेगीत नाशिल्ल्यो. आतां एका जाग्यार उबें रावल्यार चार हातांचेर कितें आसा तें लेगीत दिसना इतली दाटी जाल्या. कुळागर फकत लायलें म्हूण जायना, ताची जतनाय घेवपाक जाय.'

कांय दिसानी परत होच विशय आयलो. आतां चित्राचो भाव पणजे वचून रावपाचो बेत करतालो. तो तर आमगेरूच आयलो. आपल्या बापायक समजावन सांग अशें मामाक विनयत रावलो.

'आबा कशेंच आयकना म्हजें. हांगा आमची वार पुरल्या, देखून हांगाच रावपाक जाय अशेंच सांगता. वार पुरल्या म्हूण रावलीं जाल्यार पोटाक पावता?'

'तांचें लटीक न्हय रे. ताचो जीव आसा हे भुंयेचेर.' मामान ताका समजावपाचो यत्न केलो.

'हय, हांव जाणा तें, देखून ताका म्हणलें, तुज्यान जाता ते म्हणसर तूं रांव हांगा. जमना अशें दिसलें कीं यो म्हजे सरीं. तसो हांवूय येवन वतलो दोनेक म्हयन्यांनी.'

मामा ओगीच रावालो. ते सांजे चित्राचो बापूय आमगेर आयलो. आंगावयल्या बानयनाक लागिल्ले रंग ताचो वेवसाय सांगताले.

'आबो, तुळशीदास पणजे वयता म्हणटा. बरें जाता जाल्यार....'मामाचें उलोवप ताणें अर्ध्यारूच तोडलें.

'हांगा इतले दीस रावन खंय पाय पडलें रे तेजें? तेका न्हू, तेजे बायलेक लागलां तें पिशें पणजे वचपाचें. थंय तिका पोलके शिवोंक शिकपाचे आसात खंय. एका पोलक्याक खंय पणजेंत दोन रुपया शिलाय दिता. धा पोलके म्हयन्याक मेळ्ळे जाल्यार अस्सो संवसार चलतलो खंय तिचो.'उलयतां उलयतां आबाच्यो मिश्यो थरथरपाक लागल्यो. दिसलें, आतां खळ्ळ करून हाच्या पोल्यार दुकां देंवतलीं.

'आबा, आयचीं भुरगीं आपलें नशीब घेवनूच येतात जल्माक. तांका जाय थंय वचपाक दिवप हातुंतूच शाणपण आसता. नाजाल्यार तीं आपल्याक जाय तें करतातूच, पूण आपले जिबेर मात सासणाची कोडसाण उरता. ते परस तांका मेकळीक दिवप शाणपणाचें. आनी तुळशीदास कितें थंय मजा मारपाक वचना. ताका फियाट कंपनीच्या शोरूमात काम मेळ्ळां. तेंय बी रंगोवपाचें, म्हणचे ताचे सवकळींचें. तातुतल्यान देख घेत तो घडये एक दीस स्वताचो धंदो सुरू करीत. तूं आडावं नाका ताका. वचूं दी.'मामान ताका समजायलो. काय वेळ आबा ओगीच रावलो आनी मागीर उमळ आयले वरी उलयलो.

'तूं म्हणटो तेंय लटीक न्हय, मनोहर. आमचीं धा सोपलीं, दोन उरल्यांत. आता तेच्या पांयांत पांय घालून कितें सादतलीं आमी? आनी ह्या गावान तशें व्हडलें शें कितें दिलां रे आमकां? म्हाल घरांतलो गणपती व्हरतात ते लेगीत अर्ध पायली भात आनी एक नाल्ल दिवन. ह्या दरान गणपती करपाक परवडटारे आज? चार म्हयने मर मर मरप आनी साकभर भात जमोवप. रंगांचो लेगीत पयसो येना म्हूण परवंतालो तुळशीदास. ताचेंय चुकना रे. हातांत कला आसा ताच्या. दोळे धापून गणपतीची नदर पितारता तो. तेच्या सारक्या चिताऱ्यान असल्या होंडक्यान रावप न्हूय. वचों तेका जाय थंय. सुखान आसल्यार पुरो. आमचें कितें... हांगा किल्लल्यात, हांगाचेच मातयेंत रिगपाचें.'

तो अशेंच आनीक कितें कितें उलयलो. आजयेन दिल्ली फुटी काफी पियेलो आनी पणजे आसलो तर आपल्या पुताचेर मामाची नदर आसतली म्हणपाचें उतर घेवन आयिल्लो तसो पांय ओडीत परतलो. ते वर्सा दिवाळी जातकच तुळसीदासान बायलेक घेवन पणजेची वाट धरली. ताका गांवचे शिमेमेरेन पावपाक चित्राय गेल्लें. तें सांगतालें, शिमेभायर तुळशीदासाचो पांय खंय वचच ना जालो. त्राण गेल्लेवरी तो थंयच दवरण्याचेर बसलो. मागीर खंय ताचे बायलेन ताका पियेवपाक उदक दिलें आनी खूब समजायलें. दर तीन म्हयन्यांनी गावांत येवपाचें आनी चार दीस रावून वचपाचें अशें उतर तिचेकडल्यान घेवन खंय तुळशीदास मुखार वचपाक तयार जालो.

'आपल्या गांवचे मातयेची ओड दरेकाक आसता गो. वतलो मजे खातीर वचना. काळजाचेर गुंडो दवरुनूच वता. पोटाची खळगी भरपाची जापसालदारकी आसता. ते भायर भुरग्यां बाळांचे चिंतपाचें आसता. आजकाल सोयऱ्यां धायऱ्यां सगळ्यांकूच पावतात अशें ना. तुज्या मामाचें नशीब बरें आशिल्लें. देखून ताका शिकोवपी मावळे मेळ्ळे.

मामाक बेळगावां वचून शिकपाक पयशे जाय म्हूण ताच्या धाकल्या मामान लागतें शेत विकून उडयिल्लें. आतां तसले मामाय उरूंक नात आनी भाचेय दिसनात.'

आजयेन म्हजी उमळशीक जिरोपाचो यत्न केलो खरो, पूण खंय तरी वचप हो असो आतकड्यांक त्रास करपी विशय कसो आसूं येता हाची जाणविकाय जाली ना म्हाका. हांव आयलें ना मामाच्या खांद्यार बसून चरवणांतल्यान. म्हाका तर केन्ना मामाच्या घरा पावता अशें जाल्लें ते वेळार...

प्रकरण – ७

ते वर्सा आनीक तीन बिराडां गावांतल्यान शारांत रावपाक गेलीं. प्रत्येक वेळार आमच्या घरांत रुजवात जाली. केन्ना मास्तर आयलो, केन्ना त्या घरांतलो जाणटो वा नेणटो येवन गेलो. केन्ना मामाच तांगेर गेलो. पूण वतल्याक कोणूच आडावंक शकलो ना. मजगतीं मडगावांत गेल्लो गजो टीबीचें दुयेंस घेवन गावांत आयलो. ताचे बायलेचीय दशा जाल्ली. तिचेकडेन आतां कुळागरांतलेंय काम जमनाशिल्लें. आजयेन तिका घरांतलें काम कर म्हणलें, पूण मातसो लेगीत वावर केल्यार तिका धाप मारताली. तिकाय टिबीच्या दुयेंसान पोखरलां आसपाक जाय अशें मामाचें मत पडलें. मागीर मामा तिका खळ्याचेर धाडपाक लागलो. थंय सुकत घाल्लें राखपाक. थंयच ओवळिणीचे सावळेंत जमनीचेर लवंडून ती खळें राखपाक लागली. दिशीं माशीं तिचें दुयेंस वाडत वतना स्पश्ट दिसतालें. पयलीं गजो वतलो काय पयलीं ताची बायल हो कुळागरांतल्या कामेऱ्यांचे चर्चेचो विशय आसतालो बरेच दीस. आवडू, जनी गजाचे बायलेक मुजरत पेजेचो निवळ घेवन येतालीं पूण आजयेन सकाळी दिल्ली आमील अर्दी पियेतनाच तिका धांप लागताली. एके रातीक शियांच्या कुडकुडाटांत गजाचे बायलेन प्राण सोडलो.

गांव सोडून शारांचे दिशेन वतल्यांचें प्रमाण मात उणें जालें ना. आतां तर शारांत गेल्ले आपली वळख वापरून गावांतल्या तरणाट्यांक शिर्वीसो दिवपाक लागले. शारांत रावतलो एकाद्रो गावांत आयलो

म्हणटकच ताच्या फाटल्यान शारांत वचूंक सोदतल्यांचें भिरेंच लागतालें.

'मनोहर, ह्याच गावांत रावन करपाक जमतलो असो उद्दग ना काय रे एकाद्रो?' एक दीस गुरुजीन मामाक विचारलें.

'मास्तर. उद्देग म्हणचे फकांडांची कामां न्हय. लाख रुपया लागतात ते खातीर. आनी गावांत कसलो उद्देग उबारतले? हांगा सावन रस्तोच आसा दोन वरांच्या अंतराचेर.'

'मी भाऊक म्हणटां मरे जाय जाल्यारफ भाऊ कडेन म्हळ्यार गोंयच्या मुख्यामंत्र्यांकडेन गुरुजीची वळख आसा हो गांवच्या कौतुकाचो विशय आशिल्लो. ताका लागून बरेच फावट आपल्या घरचीं झगडीं घेवन लेगीत लोक गुरुजींकडेन येताले. ताणें तें झगडें भाऊकडेन व्हरचें आनी आपल्याक न्याय मेळावन दिवचो अशें तांका दिसतालें. पयलीं पयलीं गुरुजी तांचे आयकून घेतालो खंय. पूण एक दीस मोन्या जल्म्याची बायल घोव दुसरे एक बायलेच्या सांगण्यांन आपल्याक मारता म्हूण देखून न्याय दिवपाक भाऊकडेन व्हर अशें म्हणत गुरुजीकडेन आयली. गुरुजीन तिका असल्यो कागाळी भाऊ कडेन व्हरनात म्हूण सांगपाचो जाय तो यत्न केलो. तेन्ना गुरुजीय आपल्या घोवाक सामिल आसा असो आरोप करीत आनी आड्ड्यो मारीत ती परतली. तेन्ना सावन गुरुजीनूय असल्या प्रकरणांनी पडपाचें खंय बंद केलें. जनी ही खबर बरी मीठ मिरसांग लावन आत्र्या पयन्यान सांगतालें आनी कामेऱ्यांय प्रत्येक फावटीं ती पयले फावटूच आयकतात अशें दाखयत ताका प्रतिसाद दितालीं.

'मास्तर, एकटो भाऊ म्हूण खंय खंय पावतलो. हांगाचे मातयेंत पिकपाचें ते शेतूच. उद्देग येवचो ना हांगा. आनी ते भरीक तुमी पडूंय नाकात. थंय, वास्कोंत जाय जाय म्हूण साऱ्याचो उद्दग हाडलो आनी आतां लोक कारखानो हुयेली मारताक बांयचीं उदकां इबाडल्यांत म्हूण. कश्ट करून आमचीं पोटां भरतांत हांगा. सवाय खाण पोटफुगें आसता, मास्तर.'

दीस अशेच वताले. शारांचे वेध एकेका घराब्याक लागतना दिसताले. बिराडां घेवन लोक वताले. कांय परतेय येताले. पूण येतल्या परस वतल्यांची संख्या चड आशिल्ली.

एक दीस गुरुचो बापूय आयलो मामाक मेळपाक. गुरून ताचे पयलींच तीं मडगावां वतात म्हूण आमकां सांगिल्लें. ताच्या बापायचें शेत आनी कुळागर आशिल्लें. आमचे येदें नासलें तरी तांच्या तिगांच्या संवसाराक पोट भरून खावपाक मेळटालें अशें आजी म्हणटाली. आनी अशें आसतना तीं शारांत कित्याक वतात असो प्रश्न मामाक पडिल्लो. पूण ताणें आतां हेरांक समजावप सोडून दिलें. 'कोणूय विचारपाय आयलोच जाल्यार ताका हिताचीं चार उतरां सांगप. ताचो निर्णय तांणें घवपाचो. कोणाचेंय नशीब हांव कसो बदलतलों?'अशें तो आतां परत परत म्हणटालो. ताच्या ह्या उतरांतली निर्शेवणी लिपनाशिल्ली.

गुरुच्या बापायन मात वेगळोच विशय हाडिल्लो. ताचें गांव सोडून वचपाचें निश्चित जाल्लें. मुंबय वचपी बसीचेर ताका काम मेळिल्लें. आपल्या फाटल्यान शेत आनी कुळागर उबंत पडटलें हाचो हुसको ताका दिसतालो. तें शेत आनी कुळागर कसपाखातीर एक कारवार मनीस तयार जाल्लो. पूणताका तें दिलें जाल्यार फुडाराक तोच मालक जातलो हाचो हुसकोय गुरुच्या बापायक दिसतालो. कितें करपाचें काय म्हूण विचारपाक तो मामासरीं आयिल्लो.

'तशें कांय नासता. आपणें वेवस्थित करार करून घेवपाक जाय. दर वर्सा अकरा म्हयन्यांचो करार करप. तो सोपलो म्हणटकच दुसरो करप. घाळ रावलो, आज करुया, फाल्यां करुया अशें करीत गणयलें जाल्यार मात तूं शेणटलो.'मामान ताका बुद्द दिली.

सात जाणांचें बिराड घेवन तो कारवार मनीस रावपाक येतलो म्हूण गुरूच्या बापायन मामाक सांगलें. आठ जाणांचो संवसार जर त्या शेताचेर आनी कुळागराचेर चलोवन तो गुरुच्या बापायक वर्सुकी भाडेंय दिवपाक शकता जाल्यार त्या वेवसायांत कितलो लाव आसा हाचो विचार गुरुच्या बापायन करचो आनी मुखावयलें पावल मारचें अशें मामा ताका सुचोवन पळयलें. पूण ताचो निश्चय जाल्लो. बशीचेर काम केल्यार कितलो पगार मेळटा. मदीं चिरिमिरीं कशें सुट्टा आनी ताचेर कारवारी कडलें भाडें मेळ्ळें जाल्यार वर्सा भितर तो मडगावांत कसो पसरो उगडपाक शकतलो हाचें गणीत ताणें मामाक विस्कटावन सागलें. आपली बायल

वेव्हाराक हुशार आसा, तीच पसरो चलयतली अशेंय सांगून ताणें परतीची वाट धरली. आठ दिसां भितर ताणें बिराड मडगावां हालयलें आनी ताच्या भाटांत केरळी थॉमस रावपाक आयलो. दुसऱ्या दिसा सावन ताचीं तीन भुरगीं शाळेंत शिकपाक येवपाक लागलीं. तिगांयकूय मराठी सोडाच,कोंकणी लेगीत कळनाशिल्लें. कुरवांचे भाशेंतूच तीं सुरवेक आमचेकडेन उलोवपाक लागलीं. पूण म्हयनो सोंपता म्हणसर तांका इल्ली इल्ली कोंकणी कळपाक लागली. गुरुजीन घाल्ली बाराखडी मात तीं चिरित बसतालीं, दुसरे दीसा तश्शी काडून हाडटालीं आनी गुरुजीक दाखयतालीं. तीं भुरगीं आमच्या माथ्थ्यर मिरयां वाट्टलीं अशें गुरुजी आमकां सागतालो. पूण मिरयां वाटप म्हणचे कितें हें कोणांक कळ्ळें ना. थॉमसाचें मदलें चली, जॉसी, तशें शिटूक आनी हुशार. तकलेर तेलाचा वाटीच रिती करून येतालें शाळेंत. ताचें अक्षर मात भोव सुंदर आशिल्लें. मोगरेचे कळे कशे. नितळसाणीन रावपाची देख त्या तिनूय भुरग्यांक ल्हानपणांतल्यानूच मेळिल्ली. जॉसी तर सांजे तांच्या गोठ्यांत लेगीत काम करतालें, ल्हान पाडकांक आनी रेडकांक बांदपाची जापसालदारकी खंय ताचेर आशिल्ली. ते भायर तळयेर वचून घरांत उदक भरपाचेंय काम ताचेच कडेन दिल्लें. ताची धाकली भयण लेगीत घरांत काम करताली.

एक केरळीयन हांगा येवन जर आपलो संवसार बेस बरो चलोवपाक शकता आणि घसघशीत भाडेंय दिवपाक शकता तर आमच्या लोकांक तें कित्याक जमना असो प्रश्न घेवन गुरुजी एकदां आमगेर येवन गेलो. गांव विकून उडोवपाची दुर्बुद्दी गांवच्या लोकांक जाल्या म्हणपाची ताची खात्री पटली.

मुबय मिलींत नोकरे खातीर वचपाची तयारी करपी शिवदासाचेंय भाट कराराचेर घेवपाचो थॉमसाचो बेत जेन्ना गावांक कळ्ळो तेन्ना मात कांय जाण सादूर जाले. शेतां - भाटांत कांयच उरूंक ना म्हणटल्याचेर आतां जो तो तापार जातालो. पूण शिवदासाक आनी थॉमसाक आडावप कोणाक जमलें ना. कारण पर्याय दिवपाची तयारी कोणाचीच नाशिल्ली. एके रातींत थॉमसाकडेन जमनीचो आवाट वाडलो. तो गावांतलो तिसऱ्या क्रमांकाचो भाटकार जालो. भाटकार म्हणपाचें न्हय तर कितें? गांव

सोडून गेल्ले आता थोडेच परत येतले.....

शिवदासाचें भाट मामान घेवचें अशें गुरुजीचें मत आशिल्ले. पूण आपलेंच पिकयतां म्हणसर नाकी णव येतात अशें म्हणून मामान तो प्रस्ताव भायरायलो. मजगतीं गुरुजी खऱ्यानीच पणजे वचून आयलो. तो पणजे वतलो म्हणपाचें अप्रुप अख्ख्या गावांक आशिल्लें. आमगेर तीन दीस आदीं बसकाय जाली. भाऊकडेन वतकच गुरुजीन खंयच्यो खंयच्यो गजाली काडप, भाऊक कितें सांगप हाची बरीच येसाय जाली. गुरूजी बरोबर मामान वचपाचें अशें गांवच्या लोकांचे म्हणणें आशिल्लें. पूण मामान न्हयकार दिलो. आपलें स्पश्ट उलोवप भाऊक मानवचेंना अशें ताचें म्हणणें पडलें. निमाणेकडेन गुरुजीन एकल्यानूच वचप, वेळ पडल्यार पणजे एक रात रावप अशें थारलें. पणजें धेंप्यागेर दनपारचें जेवण मेळटा हें गुरुजीक अणभवान खबर आशिल्लें. ते भायर ताच्यो कांय वळखी आशिल्ल्यो. गोंयच्या स्वातंत्र्यसैनिकांक ताणें तरणाटेपणान केल्ली मजत पणजे भेटी वेळार उपकाराक येताली. आतांय विसू लवंदो ताका जायती मजत करतलो म्हूण ताणें हड्ड्यार हात मारून सांगलें. तरीय आजयेक हुसको आशिल्लोच. तिचे भयणीचें व्हडलें चली, पिरू मळ्यांत दुकळ्यागेर दिलां, ताचो मळ्यांतूच पसरो आसा, गरज पडल्यार आपलें नांव सांगून थंय वचात म्हूण तिणें गुरुजीक तीनतीनदां सांगलें. एके फातोडेर उठून गुरुजी पणजे गेलो. वतनाच ताणें आपलो सगळो भेस केल्लो. आतां हातांत एक रॉतूय घेतिल्लें.

गुरुजी गांवच्या स्थलांतराचेर कितें ना कितें उपाय सोदून हाडटलो अशें दिसपी जशे गावांत आशिल्ले, तशेंच ताच्यो बकत्छायो मारपीय आशिल्ले. म्हातारो तकलेन विरार जाला, ह्या आडवाटेच्या गावांत कांयच जावपाक शकना अशें म्हणतले उणे नाशिल्ले. पंचायती मुखावयल्या पारार तांची चकाटां रंगतालीं. पूण चार चौगांत तशें कांय उलोवपाची तांची छाती नाशिल्ली.

पणजे गेल्लो गुरुजी चवथे दीसा गावांत परतलो तेन्ना ताच्या कोटाचो कोर आनी ताच्या आंगाचो कोर एक दिसतालो. तीन राती ताका पणजे रावचें पडिल्लें. भाऊ कामाखातीर मुंबय गेल्ल्यान आनीक पर्याय नाशिल्लो.

भाऊ येतकच गुरुजीन ताची भेट घेतली. भाऊन ताचें म्हणणें आयकून घेतलें. गावांत कितें तरी उद्देग हाडपाक जाय हाजेर दोगांयचेंय एकमत जाल्लें, पूण उद्देग कसलो आनी तो कोण सुरू करतलो हें मात कोणाकूच सुचनाशिल्लें. भाऊनूच तो उद्देग सुरु करचो असो आग्रो गुरुजीन धरलो तेन्ना आपल्याक मिनाच्या उद्देगाबगर आनीक कांय कळना अशें म्हणत भाऊन तो विशय थंयच सोपयालो. आपल्या खंयच्या तरी इश्टाक सांगून काजू कारखानो गावांत घालपाक मेळटा जाल्यार तपास करता अशें उतर ताणें गुरुजीक दिलें आनी पोटभर जेवोवन गुरुजीक फोंड्या मेरेन पावोवपाची वेवस्था केली. भाऊ आपलें उतर विसरचोना म्हणपाची गवाय दीत गुरुजी मागीर दोनेक सप्तकां पणजेतले आपले अणभव सांगतालो.

गावांत काजूचो कारखानो येवपाक शकता म्हणपाचें वारें कांय दीस गावांत घुंवलें खरें पूण उपरांत तो फकांडांचो विशय जालो. कोणूय कितेंय फुगोवन सांगपाक लागलो म्हणटकच ताका ताचो जागो दाखयतना ‘तुजो कारखानो धापून घेरे’अशें शिटकायताले.

काजूचो कारखानो आमच्या गावांत येवपाक कळाव कित्याक जाता तेंच म्हाका कळनाशिल्लें. एकदां कामां आटपून मामा विसव घेवपाक बशिल्लेकडेन ताका हांवें विचारलें तसो तो हांसलो. ‘तुकाय दिसता गो, कारखानो आमच्या गावांत येतलो म्हूण?’ताणें म्हाका विचारलें.

‘कित्याक येवचो ना? गुरुजीक भाऊ खूब मानता म्हूण तुंच तर सांगता मरे.’

‘मानता तर, खूब मानता. पूण मानप आनी कारखानो हाडप हातूंत फरक आसा. आमच्या गावांत येवपाक दोन पावटीं तार करची पडटा. कशी येतली गाडी हांगा? ते खातीर दोन पुल बांदचे पडले नात? एक पूल बांदतलो जाल्यार उणींच चार वर्सां लागतलीं. आनी असो पूल बांदपाक खर्चूय भोवच आसता. सरकार सध्या गरजेचीं अशींच कामां करता. आगशेचो पूल खरें म्हणचे साप्प गरजेचो, पूण तो लेगीत बांदपाची सरकारची सध्या तयारी ना. मागीर हांगा आडरानांत दोन पुल खंयच्यान बांदतले?’

मामाच्या युक्तीवादांत तथ्य आशिल्लें. हांव निरशेलें. पूण दुसरे दीसा शाळेंत कारखान्याचीं सपनां रंगोवपी गुरुजीक मामाचें म्हणणें सांगून ताका विरूस करपाचें जिवार आयलें म्हज्या.

मजगतीं आनीक एक बिराड गांव सोडून गेलें. सोनू पायणीकाराचें. ताचे बराबर ताचें व्हडलें चली, गुलाबूय गेलें. पूण बायल आनी धाकलें चली, वासंती हांगाच रावलीं. वासंती म्हज्याच वर्गांत शिकतालें. फुगडी घालपाक ताचो हात कोणूच धरूंक शकनाशिल्लो.

गांव सोडून पोटाफाटल्यान शारांत धावपाचो जोर उणो जालो तो शिवाक लागून. शिवा हो गांव सोडून वचपी पयलो मनीस. मडगावांत गेल्लेकडेन ताची वळख विशेंत नावाच्या मनशाकडेन जाली. विशेंत नुस्तें धरपाचे लाँचीर कामाक आशिल्लो. ताणें शिवाकूय आपल्या सांगातान व्हेलो.

काल्याच्या निमतान वा चवथी कडेच आतां शिवा गावांत येतालो. ताचो भेस आनी नेट गांवचे चर्चेचो विशय जातालो. आंगान बारीक अशीं शिगारां ताणें ओडप. हेरांकूय दिवप. कांय जाणांक तर तो अख्खें पाकिटूच दितालो. बाळाच्या हॉटेलांत तो वता अशें दिसतकच ताचे फाटोफाट जाण्टे नेण्टे घुसताले. सगळ्यांचे पयशे शिव दितलोच ही खात्री आसताली. दोनूय हातांतल्यो मुदयो खेळयत शिवा चायेची आनी भज्यांची ऑर्द सोडटालो.

शिवाचो ते झेत पळयतकच खरी जीण शारांतुच आसता म्हणपाचो साक्षात्कार तरणाट्यांक जातालो. आपल्याक मडगावांत व्हर, लाँचीचेर कामाक लाय म्हूण ते ताच्या फाटल्यान लागताले.

होच शिवा निमाणे खेपेक गावांत आयलो तेन्ना मात गावांक धपको बसलो. पावस पियेवन तट्टटीत जाल्लो दुदयाचो वेल दिवाळेच्या दिसांनी जसो सुको सडसडीत जावन मरणाची वाट पळयता.तशेंच जाल्लें शिवाचें. आतां तो भेंडांत बागवत चलतालो. पांच पांच मिण्टांनी श्वास घेवपाक उबो रावतालो. ताका रोखडीच खरस मारताली.

लाँचीवयल्यान भांगराची तस्करी करतना खंय ताका धरिल्लो आनी कस्टमाच्या अधिकाऱ्यांनी मरसर मारिल्लो. सात म्हयने खंय शिवा मारूच

खातालो. मागीर ताका कस्टमान सोडून दिलो. पूण आतां तो ताच्या मालकाकूय नाका जाल्लो. ताणें कस्टम अधिकाऱ्यांक आपले विशीं सांगलां असतलें असो दुबाव ताका आयिल्लो. एक दीस शिवा सांजे भोंवपाक गेल्लेकडेन ताका एका ट्रकान फाटसून धपको दिलो. तो ट्रक खंय पात्रावांच्याच मालकीचो. भेंड मोडिल्लो शिवा चार म्हयने हॉस्पिटलांत उरलो आनी वाकडे जावन गावांत परतलो. ताच्या हातांतल्यो त्यो मुदयो आतां दिसनाशिल्ल्यो. त्यो खंय वखदाक मोडच्यो पडिल्ल्यो.

शिवाच्या त्या अवतारान बऱ्याच जाणांचेर शारांत वचपाचें भूत कांय दीस तरीं देंवलें. चिऱ्यांच्यो खणी, खणीर वचप अशे पोरणे विशय परत चर्चेंत आयले. पूण तेय चड दीस चल्ले नात.

मडगावां प्रासार हॉटेल चलोवपाची संद आसा म्हणत दुर्गा फळारी आपलें बिराड घेवन गेलो आनी शारांत वचपाची संद आसा म्हणप परतून मेकळो जालो.

-¦--¦--¦-

प्रकरण – ८

'अथांग म्हणजे ज्याचा ठाव लागत नाही असा. आकाश, समुद्र अतांग असतो. थांग या शब्दाला अ जोडला की त्याच्या विरोधातला शब्द तयार होतो. ज्याप्रमाणे मर पासून अमर होतो वा वध्य पासून अवध्य शब्द तयार होतो. तसा.'अनोगळकर गुरुजी मन लावन शिकयताले. केन्ना केन्ना तांचीं तंद्री अशी लागताली आनी तांचे भितरलो शिक्षक जागो जातोलो. हरशीं तांचे मन शिकयता ताचेवयल्यान रोखडेंच उडटालें. मागीर ते 'हां आलो ंच'म्हणत वर्गाच्या भायर वताले आनी तंबाखूचो बार तयार करून गालफडांत भरताले. मागीर फळ्याचेर कितें तरी बरोवन आमकां तें शंभर वा दोनशीं फावटीं पाटयेचेर काडपाक लायताले. अशे तरेन तांका अर्द वर तो तंबाखू चाबडावपाक मेळटालें.

हांव तिसरेंत पाविल्लें. राणे गुरुजीची पिराय जाली म्हूण तांका निवृत्त केल्लें. आतां पयलेक शिकोवपाक देसाई बाई आयिल्ली. आमच्या वर्गांतल्या दत्तू राणेची ती पयसुल्ल्यान मावशी लागताली. देखून तागेरूच रावताली. तिच्या घोवाक खंय गोंयच्या सुटके झुजा वेळार पोर्तुगिजानी मारिल्लो. आतां ती एकटीच आशिल्ली. बाई जावपाचें शिक्षण घेवन आपल्याक आडगावांत धाडला अशें सांगून खंय ती आमच्या गावांत आयिल्ली. हांगा रावन बरे विद्यार्थी घडोवपाचो सोपूत आपणें घतला अशें ती सदांच आमकां सांगताली आनी आमी हुशार विद्यार्थी जावचें म्हूण विनयताली. घरा अभ्यास करप जांका जड वता तांणी आपल्यागेर येवन

तो करचो अशेंय ती सदांच सांगताली आनी ताका लागून सकाळ जाली म्हणकच भुरग्यांची रीघ दत्तूगेर लागताली. देसाई बाई पयलेक आनी दुसरेक शिकयताली, पूण तिच्या घरा वचून अभ्यास करतल्यांत तिसरे चवथेचीं आनी सवे सातवेचींय भुरगीं आसतालीं.

राणे मास्तराबराबर वयल्या वर्गाक शिकोवपी पाटील मास्तराची बदली जाल्ली. ताच्या जाग्यार आयिल्लो अनगोळकर मास्तर. ताची शिकोवपाची तराच वेगळी. आमचे मदलो हुशार विद्यार्थी तो हेरतालो आनी ताका समजलें की आपलें काम जालें अशें मानून घेवन मुखार वतालो. आमच्या वर्गांत म्हाका, चित्राक, गोविंदाक कळ्ळें म्हणटकच जालें. हेरांक कित्याक कळपाक जाय? शेवटाक तीं खंयच खणीर वतलीं ना जाल्यार शारांत हॉटेलाचेर काम करपाक. च्यायेच्या आनी भज्यांच्या पयशांची बेरीज तांका जमली काय जालें असो ताचो हिशोब आशिल्लो. मामा ताच्या या वृत्तीचेर पिकार जातालो. एकदां शाळेंत पालकांची बसका आपयली तेन्ना मामान हो विषय काडलो. पूण दोग चौग जाण सोडले जाल्यार ताका कोणेंच फाटबळ दिलें ना. भुरगीं चार पांच वरां शाळेंत वचून बसतात हेंच व्हडलें अशें म्हणटल्यांचीच गर्दी ते बसकेक जाल्ली.

सरस्वती पुजनाचे, म्हळ्यार नवरात्रांचे दीस येतकच मात अनगोळकर मास्तराच्या आंगात कसलें तरी चैतन्य रिगतालें. मागीर तो भुरग्यांक एकठांय करून कार्यावळीचे तयारेक लागतालो. तेन्ना ताका दीस आनी रात लागनाशिल्ली. रातचीं बारा जायसर येसायो रंगताल्यो. त्या येसायांक येवपी चलयांक आनी ल्हान भुरग्यांक तांच्या घरा मेरेन पावोवपाक मास्तर स्वता येतालो. घरच्यांक उलो करून तांचे सुवादीन तांची भुरगीं करतालो.

नाटक, तातुतले तातूंत इतिहासिक नाटक म्हणजे मास्तराचो जीव. खंयच्या खंयच्या नाटकांतले संवाद तो सणसणीत आवाजांत वरांचीं वरां तोंडपाठ उलोवन दाखयतालो. आबासाहेब आचरेकर हो ताचो आवडटो बरोवपी.. 'नाटकं लिहावीत तर आबानीच.' हें पालुपद ताच्या तोंडात सदांच घोळटालें. शिवाजी हें ताचें दैवत आशिल्लें. देखून

सरस्वती पूजन कार्यावळींत दर वर्सा शिवाजीचेर एक तरी प्रवेश आसतालोच. मास्तर पुरायेन शिवाजीमय जातालो. शिवाजीचो पार्ट करपी भुरग्यान कमरेंत मात लेगीत बावगल्लें ताका खपनाशिल्लें. तो ताचे फाटीर धुमके घालतालो. शिवाजीचे संवाद लेगीत तार सप्तकांत म्हणपाचे आसताले. ल्हव आवाजांत आनी शिवाजी उलयता हेंच ताका पटनाशिल्लें. 'मॉसाहेब, आम्ही आहोंत ना...'हें वाक्य लेगीत अशें म्हणप कीं मॉसाहेब धरून प्रेक्षकांच्या पयल्या तीन वळींतल्या आयकुप्यांनी आंग काडपाक जाय. मास्तराक पदां मात जमनाशिल्ली. तीं पदांच तो गाळटालो. पेटी तबलो हाडचो पडटा, ओगीच खर्च जाता अशें निमित्त सांगतालो.

मास्तराचें दुसरें दैवत म्हणचे झाशीची राणी. हांव तिसरेंत पावलें आनी वर्गांत आयिल्ल्या पयल्याच दिसा ताणें म्हाका आपूण अंदू झाशीची राणी करतलों म्हणपाचें जाहीर केलें. जालें, भुरगीं त्या दिसा सावन म्हाका झाशीची राणी म्हणपाक लागलीं. चवथीची सुटी सोंपली आनी मास्तरान म्हजेकडेन संवादांची चोपडी दिली. हांवें म्हजे संवाद ते चोपडे वयल्यान उतरावन घेवपाचे आनी ते पाठ करपाचे. दोनूच दिसानी म्हाका ते संवाद सगळे पाठ जाले. 'आतां कुळागरांत जायचं आनी माडी - झाडांना पात्रं समजून मोठ्या मोठ्याने ते संवाद म्हणायचे.'मास्तराचो दुसरो आदेश सुटलो. ना म्हणपाचो प्रश्नूच नासलो.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं सकाळीं कामां निस्तरायलीं आनी कुळागरांत गेलें. सकाळचीं कवळीं वतां कुळागराक बांगराचो शिरंगार करपाक लागिल्ली. राती कडेन हयन्हयसो पावस पडिल्लो आसपाक जाय. घडये दंवूय आसत. तणाच्या पातकड्यांचेर गणयत राविल्ल्या थेंब्यांचेर पडिल्ल्या किरणांक लागून ते थेंबे हिऱ्यांवरी तिकतिकताले. वयर रुखांचेर सुकण्यांची गितां रंगांत आयिल्लीं. मातये कोराचे भारद्वाज धिटायेन कुळागरांत देवन कितें कितें सोंदपाक लागिल्लें. सगळ्या कुळागराचेरएक तृप्तीची सया पातळिल्ली.

थंयच इल्लीशी मेकळी जागा आशिल्ली. दनपारचीं कामेरीं थंय पेज जेवपाक बसतालीं. जेवन जालें म्हणटकच तोंडार हाताचो आडोस करत आड पडटालीं वा अशींच गजाली करत पान चाबडायतालीं. म्हजी

आवडटी जागा. वेळ मेळ्ळो म्हणटकच हांव थंय वचून बसतालें. आतांय थाराय नासतना थंयच पावलें आनी दिसलें, हांगाच मारपाची येसाय. हातांतली चोपडी कुशीक दवरली आनी मोट्यामोट्यान लागलें भाषण उलोवपाक. दोळ्यांमुकार त्या भाशणांत बुडून गेल्लो मास्तर दिसपाक लोगलो आनी तो कशें उलयतलो हें येवजीत हांवूय उलोवपाक लागलें.

भाशण सोंपलें आनी ताळयांचो आवाज कुळागरांत घुमलो. दचकून हांवें आंग काडलें. पळयत जाल्यार घरा वयले वटेन मामा आनी ताच्या सांगातान चार कामेऱ्या आनी तीन मानाय म्हजें तें सवंग पळयतालें. ते केन्ना थंय आयिल्ले, देव जाणा.

'व्वा, मयुरी आमचें व्हडल्या कलाकारक लेगीत लजेक घालतलें आं. कितें आवाज लागता रे ताचो'मामान मुमुरके हांसत हुलूक म्हळें. हुलूच्या तोंडारूय अजाप आनी कौतूक नाचतालें. म्हाका कितें करचें तेंच कळ्ळें ना. चोपडी घेतली आनी तांच्यो नदरो चुकयत घरांत गेलें.

सरस्वती पूजनाचो दिस लागीं पावपाक लागलो तश्यो येसायो रंगपाक लागल्यो. चवथच्या वर्गांतलो संतोष इंग्लीश अधिकारी, कॅप्टन डग्लस जाल्लो. कातीन गोरो आनी लांबरुंद आशिल्ल्यान ताची निवड मास्तरान केल्ली आसपाक जाय. संवाद मात ताका कशेंच जमनाशिल्लें. पावला कणकळी अडटालो, घुस्पतालो. बरेच फावटीं तर तोंड आ करून मुखावयल्या सवंगांक पळयतालो. ताका सुदारपाचो जाय तो यत्न मास्तरान केलो. पूण जमलेंच ना. ते म्हणसर कळावूय बरोच जाल्लो. आतं दुसऱ्याक तयार करपूय शक्य नाशिल्लें. मास्तरान मागीर संतोषाचेरूच चडांत चड भर दिवपाचें थारायलें. तो संतोषाक सकाळींच आपल्यागेर आपयतालो आनी संवाद शिकोवपाक लागतालो. मास्तराचे घरकान्नीक आनी त्या घराच्या वण्टींक लेगीत ते संवाद पाठ जाल्या आसपाक जाय, पूण संतोषाच्या मेंदवांत ते कशेंच रिगनाशिल्लें. बाबडो निश्ठेन संवादांची चोपडी बोल्सांत घालून भोंवतालो. वापराक लागून ते चोपडेचीं लक्तरां जाल्ली. कांय पानां निखळून वेगळीं जाल्ली. पूण संवाद आनी संतोष हांचें कशेंच जमनाशिल्लें. येसायांच्या वेळार ताका मास्तर जें सांगतालो तें आयकून आतां हांवूय ताचे संवाद म्हणपाक लागिल्लें.

ताका मात ते येनाशिल्ले. माचयेर वतकच आपल्याक शेणिल्लेवरी दिसता, कांयच येवजना म्हूण ताणें मास्तराक सांगपाचो यत्न केलो. पूण मास्तराक दुखायलो जाल्यार आपूण त्याय वर्सा चवथेंतूच उरतलो म्हणपाचो भंयूय ताका दिसतालो. बाबडो भंयानूच तो संबाद चाबडायत रावलो. दाडमणां वळ्ळीं, पण संबाद काय तकलेंत थिरावलेच नात.

सरस्वती पूजन आशिल्लें तीन दिसांचे. दुसऱ्या दिसा, म्हणजे दसऱ्याच्या पयल्या दिसा सांजे उसरां सांस्कृतिक कार्यावळ. देसाई बाईन कांय नाच बसयिल्ले. सवे – सातवेच्या भुरग्यांच्योय कार्यावळी आशिल्ल्यो. अनगोळकर मास्तराचीं तीन नाटकुलीं आनी एक पोवाडो. हो पोवाडो ताणें स्वता तयार केल्लो. शिवाजी वयलो. ताचेरूय ताणें बरेच कष्ट घेतिल्ले.

सांजे वेळार कार्यावळीक सुरवात जाली. पेट्रोलमास दिव्यांच्या उजवाडान माची परजळीत जाल्ली. पेट्रोल जळिल्ल्याचो एक वेगळोच वास आसमंतात भरून राविल्लो. सरपंचान येवन दिवली पेटयली आनी सरस्वतीचे मुर्तीक फुलां ओंपलीं. पयलेच्या चलयांनी स्वागत गीत म्हणलें.

एका फाटल्यान एक अश्यो कार्यावळी जावपाक लागल्यो. पळोवप्यांची गर्दी जाल्ली. ताळयांचो कडकड जावपाक लागलो.

झाशीचे राणयेचो बेस करून हांव एका बांकार बशिल्ले. देसाई बाईन मन लावन म्हाका न्हेसयिल्लें. पदर हातांत धरून कशें उबें रावप तें परत परत समजावन सांगिल्लें. म्हज्या संवादाची चोपडी हांव नाका नाका म्हणटा आसतना म्हज्या हातांत दिल्ली. 'नव्यानूच स्टेजीर वतात तेन्ना गोंदळ जाता जाय ते फावट. तूं वाचून घे ते संवाद.' तिका ना कशें म्हणटलें. हांव वाचत बशिल्लें. इतल्यान दारार कोणें तरी जोरान धाडायलें.

बाईन वचून दार उगडलें जाल्यार अनगोळकर गुरुजी. 'संतोष आहे का इथे?' तांच्या आवाजांतलो हुस्को पुराय कुडीक जाणवलो.

'संतोष? इथे? इथे मुलींच्या नेसण्याच्या खोलीत कसा येईल तो?' – बाईन तांकाच प्रश्न केलो.

'मग, गेला कुठे तो?' गुरुजींचो आवाज नकळटां वाडलो.

'असेलच हो इथेच कुठेतरी. पोराना सांगा शोधायला.' बाईन सुचयलें.

इतल्यान तोंडां रंगयिल्ले दोन भुरगे तिसऱ्या एकल्याक मुखार घालून घेवन आयले.

'गुरुजी, हो दत्ताराम. शेजारी संतोषाचो. आपूण शाळेंत वयचोच ना अशें संतोश सांगतालो खंय हेका.'

'अरे, पण झाले तरी काय?'

'गुरुजी. तेका भंय दिसता. पांय कांपता म्हणटालो तो. सकाळच्यान स फावटीं परसाकडें जालें म्हणटालो.'

'चला, घेऊन येउया त्याला.'गुरुजीन तेय परिस्थितींत उपाय काडलो.

'मेळचो ना तो, गुरुजी.तेका खबर आसा, तुमी सोदपाक येतले म्हूण. तो दनपारांच रानांत गेला पळून.'दत्तारामान सगळें सांगलें आनी गुरुजीच्या पांयांतलें त्राणूच गेलें. हताश तोंडांन ते आमचे कडेन पळोवपाक लागले. म्हाका तांची काकुळट दिसली. म्हयन्या भराच्या मन लावन केल्ल्या तांच्या यत्नांचेर उदक पडिल्लें. तेंय बी संतोषाच्या भिजूडपणाक लागून. आतां कितें करपाचें?

इतल्यान गुरुजी झुब्ब करून उठले. 'कांही हरकत नाही. तुम्ही चिंता नका करू. आपली नाटिका होणारच. तयार राहा.'अशें सांगत आयिल्ले तशेच सडसडीत भायर गेले. नाटकुलें जातलें कशें हें कांय आमच्या बोडांत येनाशिल्लें. आमी बाईक विचारलें, पूण तिकाय कांयच येवजनाशिल्लें. हे वटेन एका फाटोफाट एक कार्यावळी जायत आशिल्ल्यो. चित्राचें मायचे आपउलोवप पळोवप्यांक खूप मानवलें. एके जाणटे बायलेन तर बाईक सांगून ताका तें परत करपाक लायलें. ज्युस्त आपले अवस्था ताणें मांडल्यात अशें तिचें म्हणणें आशिल्लें. बाईन बसयिल्लो दिवल्यांचो नाच तर पुराय पळोवप्यांक अजाप करून गेलो.

आनी, निमाणे कडेन आमच्या नाटकुल्याचो वेळ आयलो. पाटील मास्तरान नाटकाची घोशणा केली तशीं सगळीं सवंगा पड्ड्या फाटल्यान वचून उबीं रावलीं. गुरुजीन नांदीय बरयिल्ली. आमी नांदी म्हणपाक लागलीं. पूण गुरुजीचो पत्तो नाशिल्लो. आमकां पाटील मास्तरुच कितें करपाचें तें सांगतालो. कांय भुरग्यांनी एकामेकाक खुणायत गुरुजी कंय

आसा काय म्हूणविचारलें. पूण कोणाकूच कांयच खबर नाशिल्लें. ते संतोषाक हाटपाक रानात गेल्या आसतले अशें कांय जाणांचें मत जाल्लें. पूण रातच्या काळखांत तांका संतोष कसो मेळटलो हें आमकां कळ्ळें ना.

नांदी सोंपली आनी नाटकुल्याक सुरवात जाली. पयलोच प्रयोग म्हजो. मनांक भंय, हुसको आनी उमळशिक दवरून हांवें माचयेर पावल दवरलें. जमतलें न्हय म्हाका...? मनांतल्या प्रश्नान खिणभर तकली वयर काडली. पूण खिणभरूच. दुसऱ्याच खिणाक हांव झाशीचे राणयेच्या विश्वांत भितर सरलें. भोवतणचें सगळें विसरलें. आतां म्हाका वर्तमान दिसनाशिल्लो. दिसतालो तो एकुणिसाव्या शेंकड्यातलो मध्य. नाना टोपे आनी म्हजे मदले संवाद रंगपाक लागले. विरश्री आंगात संचारिल्ली नाना इंग्लिश लोकांक कशे ना नपयत करूं येता हेविशीं म्हाका सांगतालो आनी नकळटां म्हजो हात कमरेक लायिल्ले तलवारीचेर वतालो.

नाना आमी राणये मजगतीं चर्चा सुरू आसतनाच ब्रिटीश अधिकारी गवर्नराचो संदेश घेवन थंय ज्युस्त पावता असो तो प्रवेश. हो अधिकारी तर रानांत पळून गेल्लो. आतां जातलें कितें?

'राणी साहेब, कॅप्टन डग्लस आत येण्याची परवानगी मागत आहेत.'सेवक जाल्ल्या सुमिलान येवन वर्दी दिली आनी तटास जाल्लें हांव विंगेंत पळोवपाक लागलें.

म्हजें तोंड उकतेंच उरलें.नाना टोपे जाल्ल्या सदानंदाचीय तीच अवस्था जाल्ली.

कॅप्टन डिकन्साचो बेस करून स्वता अनगोळकर मास्तर माचयेर येवपाक लागिल्ले.

'युवर हायनेस, आपल्या सेवेसी गवर्नर साहेबांचे फर्मान रुजू करण्यासाठी आम्ही आलो आहोत.'गुरुजीन झेतान संबाद म्हणलो आनी पळोवप्यानी ताळयो आनी शिळोवण्यांचो गजर केलो. संतोषा खातीर म्हूण हाडिल्लो कॅप्टन डग्लसाचो बेस गुरुजीन व्हडा कश्टान आपल्या आंगार चडयला म्हणपाचें दिसतालें. तांका ती पँट मोटवी जाल्ली आनी पोटार टायट. पूण आंगार एक शेलो घेवन ताणीं ती अडचण लिपयिल्ली.

गुरुजींक एकदम माचयेर पळोवन ना म्हणल्यार हांव आबूज जाल्लेंच. दडपणशें आयिल्लें. गुरुजीची नामना आयकल्ली. तांचे मुखार उबें रावप जमतलें म्हाका? पूण तो भंय कांय खिणूच उरलो. गुरुजीन म्हणिल्ल्या संवादाक जाप दिवपाची वेळ आयली आनी हांव सगळें विसरलें. 'अस्सं? काय फर्मान आहे तुमच्या गवर्नर मजुकरांचं?' हांवें नेटान विचारलें आनी गुरुजीन थंयच तांचें तें पेटंट मुमुरखें हांशें तोंडार हाडून म्हाका दाद दिली.

मुखावयले संवाद आनी नाटकुलें थारायिल्ले प्रमाण मुखार गेलें. फाटीक बावली बांदिल्ली म्हजी झाशीची राणी माचयेर आयली आनी तिणें कॅप्टन डग्लसाच्या हड्ड्याक तलवार लायत ताका बंदी केलो तेन्ना तर पळोवप्यांनी अख्खें सभाघरूच माथ्यार घेतलें. नाटकुलें सोंपलकच सरपंच मुजरत रंगपटांत आयलो आनी ताणें म्हज्या हातांत रुपयाचें एक नाणें दिलें. बाईन तर दोळ्यांत दुकां घेवन म्हाका वेंग मारली. पाटील मास्तर आयलेआनी मायेन तकले वयल्यान हात भोंवडावन गेले. 'ही कला जप, बरं का पोरी.'अशें म्हणटना तांचो आवाज कित्याक कांपतालो तें मात म्हाका कळ्ळें ना. मामान येवन घट्ट वेंग मारली.

इतल्या बोवाळांत अनगोळकर मास्तराचो मात पत्तो नाशिल्लो. हांवें तोंडाचो मेकअप पुसलो आनी तांका सोदपाक लागलें. पळयत जाल्यार ते कॅप्टन जग्लसाचो भेस तसोच आंगार दवरून माचयेर लायिल्ले पड्डे सोडावपांक गुल्ल जाल्ले.

'गुरुजी.'लागीं वचून हांवें साद घाली.

'अं?'तोंडार प्रश्नचिन्न घेवन तांणी म्हजे कडेन पळयलें. दुसऱ्याच खिणाक तांच्या तोंडार हांशें फांकलें. उजव्या हातांतल्यो पड्ड्याच्यो दोरयो ताणीं कुसीक आशिल्ल्या मानायाकडेन दिल्यो आनी म्हाका एकदम उखलून वयर घेतलें. 'तुझ्या रक्तातच आहे ग अभिनय. त्याला जपायला हवें, फुलवायला हवें. दुर्लक्ष करू नकोस या दैवी गुणाकडे. मी सांगेन मनोहराला.'असें कितेंशें ते म्हणत रावले.

–मामा....?

पूण गुरुजी, संतोष खंय आसतलो. रानांत रातीकडेन ताका

कांय जावचें नां न्हय ?'

'त्याची नको काळजी करू. तो हलूच मागून येऊन तुला आणि मला पाहून सुध्दा गेला.'गुरुजीन हांसत जाप दिली आनी इतलो वेळ आडावन दवरिल्लीं दुकां म्हज्या दोळ्यांतल्यान घळळ करून भायर सरलीं.

'अग, अग, काय झालें तुला रडायला.'गुरुजींचो गोंदळ जाल्लो.

'गुरुजी, तुमकां त्रास केले न्हय संतोषान ?'

'तें होय ? त्याची नको तू काळजी करू. त्यामुळेच तर तोंडाला रंग फासायची हौस भागवून घेता आली.'गुरुजीन हांसत हांसत जाप दिली. कुपांनी भरिल्लें मळब मेकळें जालें.

प्रकरण – ९

फुलपाखुल्याचीं सोबीत पाखां लायिल्ले वरी दीस वताले. एक दीस बाईन म्हाका आपोवन व्हेलें. पयलेच्या वर्गांत हांव बितर सरलें तेन्ना भुरगीं एका सुरांत 'एक मजा तर एक खरी'ही कविता म्हणटालीं. बाईक सुरांचें भान आशिल्लें. ती स्वता कविता गायताली तेन्ना तर आयकत रावचें कशें दिसतालें. वर्गांतल्या दरेक भुरग्यान आपलेच भशेन म्हणचें असो तिचो यत्न आसतालो. आतांय मेजाचेर लवंडून ती भुरग्यांचें गायन आयकताली. म्हाका पळोवन तिणें वर्गांत भितर येवपाची खूण केली. कवीता गावन सोंपसर ती ओगीच रावली. मागीर म्हणपाक लागली,

'मयुरी, मडगावां एक वकृत्व सर्त आसा. तुका वचपाक आवडटलें?

त्याच खिणाक 'हय'म्हूण जाप दिवची अशें दिसलें. पूण मागीर मामा आनी आजी येवजली. तांकां विचारले बगर कशें सांगप? बाईक म्हणलें, 'म्हजी तयारी आसा. बाई, पूण मामाक विचारतां आनी सांगता.'

'मामाक सांगूच ताका म्हण, ही सर्त अखील गोंय पांवड्यार जाता. पयले फेरयेंत तालुकावार जैतिवंत वेंचतात. मागीर त्याच सांजे राज्य पांवड्या वयलो जैतिवंत वेंचतात. पैशांचें इनाम व्हडलें नासलें तरी नांव जाता.'

सांजे, केन्ना एकदां घरा वतां आनी मामा - आयजेक तें सांगतां अशें जाल्लें म्हाका. शाळा सुटली आनी हांव उडत उडतूच घरा पावलें. आडामो हुंपून भितर सरतनाच मामा आमी आजयेक उलो घालो. म्हज्या

बोवाळांत दोगांय पडवेर पावलीं.

'मामा, हांव मडगावां वचूं?

'मडगांवां? वच मगो. पूण कित्याक तें सांगलें ना तुवें.

'थंये मरे, वत्कृत्व स्पर्धा आसा. बाईन म्हाका तुमकां विचारून सांग म्हूण सांगलां.'

'बाईन सांगलां मुगो? तशें जाल्यार वच'मामान जाप दिली आनी तो भितर वचपाक लागलो.

'आरे, वच कितें? मडगावां एकलें कशें वतलें तें? आनी एद्या व्हडल्या शारांत खंय म्हूण वतलें? आजयेन मदींच तोंड घालें.

'आगे, तुं नाका थंय हुस्के करुंक नाका पळोवया. देसाय बाईन ताका विचारलां म्हणचे तीय वतली ताचे बरोबर. हांवें आयकलां तें सर्ती विशीं, नामनेची सर्त ती. भाग घेवपाक लेगीत नशीब जाय पडटा. वचूनी ताका.'

पूण आजयेचें समाधान जालें ना. तिणें थारायलें, आवडूक घेवन देसाई बाई रावता त्या राण्याच्या घरा वचप आनी सारखी चवकशी करून मागीरूच म्हाका धाडपाचें काय ना ते थारावप. 'दुसऱ्याचो ऐवज तो. असो वाऱ्यार म्हूण सोडप नासता?'अशें ती परत परत म्हणटाली तें म्हाकाच उद्देशून. कशीं वतलीं, कोण कोण वतलीं हे विशीं बाईक विचारपाचें लेगीत सुचूंक नाशिल्ले म्हाका. दुसरे दीस दनपरां प्रार्थना जाली म्हणटकच बाईक विचारप अशें थारायलें आनी हांव मडगावांत वचपाचीं सपना रंगोवपाक लागलें. बाईचो हात धरून हांव आमच्या घरांतल्यान भायर सरलां, वर बराची शेतां - बांदां वयली वाट माड्डीत तारी कडेन पावलां, थंय तारयाची वाट पळयत अर्द वर आमी रावल्यांत. मागीर तारींत बसून उदकांत ल्हवूच हात बुडयत पलतडीं गेल्यांत, थंय सावन परत अर्दवराची ही वाट चलून डांबरी रस्त्या कडेन पावल्यांत आनी थंय आनीक एक अर्दवर वाट पळोवन कार्रेत मेळ्ळ्या अशीं कितलीशींच चित्रां दोळ्या सामकार येवपाक लागलीं. पाटयेचेर गणितं सोडयतना लेगीत तींच चित्रां नाचपाक लागलीं. त्या बोवाळांत गणितां चुकलीं. मागीर तीं परत केलीं. अभ्यास सोपोवन कुळागरांत गेलें. थंय

जनी कामांत गुल्ल जाल्लें. ताका वचून सांगलें, तें अजापान म्हजे कडेन पळयत रावलें. 'सर्त म्हणचे कितें गो?'बऱ्याच वेळान ताणें म्हाका विचारलें.

'सर्त म्हणजे मुगो. सगळ्या भुरग्यांनी एक कितें तरी करप आनी जो ते सगळ्यांत बरें करता तो जैत जोडटा.'हांवें ताका म्हजे पद्धतीन समजावपाचो यत्न केलो.

'पूण ते खातीर मडगांवां कित्याक वचों जायें? हांगां भुरगीं नात?'जनीच्या या प्रस्नाची जाप म्हजे कडेन नाशिल्ली. ते भायर ही खबर म्हाका हेर कामेऱ्यांक दिवपाची आशिल्ली. तळेवयले बिंबलिणी कडेन वचून थंय येवपी साळोऱ्यांक सांगपाची आशिल्ली. मागीर गोठ्यांत वचून बुध्याच्या कानांत सांगपाची आशिल्ली. आमचे मंगल गायेचो हो पाडकुलो म्हजो सगळ्यांत लागीचो इश्ट जाल्लो. ताका वचून हांव सगळें सांगताले. एकदां ऱ्हस्व बरयतना चुकलें आनी केन्ना ऱ्हय ती मास्तरान म्हज्या हातार पट्टी मारली. पुराय वर्गा मुखार अपमान सो जालो. तेंय वचून हांवें बुध्याक सांगिल्लें. हांवें सांगिल्लें ताका कळटालें. म्हजे आयकत तो मायेन म्हजे हात चाट्टालो, म्हजी समजूत घालतालो.

दुसरे दीस हरशीं परस बेगीन जाग आयली. मामा आनी आजी दूद काडपाच्यो बोवाळांत आशिल्ली. पितळेचो येदो व्हडलो तांबयो दोनूय धोंपरांमदीं धरून मामा गायांक पिळटालो. तांबयांत नेटान देंवपी चुर्र चुर्र आवाज आयकत रावचो कशें दिसतालें. कुळागरांत सकाळ उदेल्ली. सुकण्यांचेर कुलकुलाट पडिल्लो. चित्रविचित्र आवाज थंय नांतदाले. मनशाच्याच कश्या आवाजांत एक सुकणें शूत शूत करून पाचारतालें. मात्सो मुखार रुमडाचो रुख आशिल्लो. आजी थंय नेमान वात लायताली. आतां त्या रुखाक फळां लागिल्लीं. ताचेर चडशा सुकण्यांनी घुरी घाल्ली. हरशीं हांव उठ्ठालें तेन्ना तितलो कलकल नासतालो. आपली सकाळची च्या सोपोवन तीं सुकणीं भोंवपाक वतालीं आसूंये. दिवाळे दिसा मात सकाळीं बेगीन उठ्ठालें तेन्ना असोच तांचो बोवाळ आयकुपाक मेळटालो.

ह्या चित्रविचित्र आवाजांक सांगाताक येत हांवे सकाळ सारली. आययेचें जेवण केन्ना जातलें तें तिका पांच स फावटी तरी विचारलें. आयज दीस मुखारूच वचनाशिल्लो. वेळ गणयत रावला कशें दिसतालें.

कुळागरांत वचून हांवें कामेऱ्यांक आनी मानायांक दुसरे-तिसरे फावट मडगांवां वचपाची खबर सांगली. मागीर, घरा येवन बाईक कशें विचारतलें ताची येसाय हारश्या मुखार रावन घेतली. तरींय वेळ वचच नाशिल्लो. एकदांची सवायबारा जालीं. आजयेन ताट दवरिल्ल्याचो आवाज कानार पडलो आनी दप्तर घेवन हांव रांदचे कुडींत आयलें. 'आगो, सवकास, वाग फाटीक लागिल्ले वर कितें करता? हात धूय सारके. आनी तो ताकाचो पेलो घे फळयेचेर धापून दवरला तो. आनी त्या माजराचेर बी पांय दवरूं नाका.बुड्डीतलें आं तुका... आजी कितें सांगता तें कानार पडटाले खरें, पूं काळजांत मात रिगनाशिल्लें.

कशें तरीं शाळेंत पावलें. हांव मडगावांत सर्ती खातर वतां म्हणपाची खबर येन्ना सगळ्यांक कळिल्ली. सगळीं म्हजे कडेन पळयतात आनी तांच्या तोंडार अजाप तशेंच दुस्वास आसा अशें ओगीत दिसपाक लागलें. प्रार्थनेच्या वेळारूय सगळ्यांच्यो नदरो म्हजेरूच आसात असो भास जावपाक लागलो.

प्रार्थना सोपोवन वर्ग सुरू जाले आनी मास्तराक सांगून हांव पयलेच्या वर्गांत गेलें. म्हाका पळोवन देसाई बाईच वर्गा भायर आयली. 'सांगले मुगो मामाक? कितें म्हणलें ताणें?'

'बाई, मामा वच म्हणटा. पूण आजयेन कशें वचप काय म्हूण विचारलां.'

'तुजे आयजेक सांग, नातीचो कसलोच हुस्को करूंक नाका. तुजे बरोबर हांव वतलें. सर्तीच्या पयल्या दिसा, शेनवार येता तो दीस, आमी जेवन खावन हांगां सावन वचप. तिनसांज जाता म्हळ्यार पावलीं मडगावां. थंय म्हजो भाव रावता, घोगळांत. तांचेर वचून रावप. दुसरे दीस सर्त जातली. ती सोंपता म्हणसर सांजेची पांच वरां तरीं जातलीं. सर्त सोंपोवन काय आमकां येवपाक मेळचें ना. म्हणकच तीय रात्त मडगावांत रावप आनी सोमारा सकाळीं भायर सरप. दनपार म्हळ्यार पावतलीं.

शाळा सोपोवन घरा आयलें आनी बाईचो निरोप आजयेक दिलो. आजी थंड जाली. आतां तिच्या तोंडार हुस्को दिसनाशिल्लो. मडगांवांत वचून म्हाका बरें नुस्तें बी खावपाक मेळटलें, बाईचो भाव विस्वणाची

पोस्तां हाडले बगर रावचो ना अशें म्हणत तिणें म्हजीं फकांडांय मारलीं. मडगांवविशींचीं सपनां हांव परत रंगोवपाक लागलें.

दुसरे दीस म्हाका भाशण बरोवन दिलें 'आज लोकमान्य असते तर... हो माथाळो . मागीर बाई म्हाका घेवन वर भर तरी बसली. लोकमान्य टिळक कोण आशिल्ले, तांचें कार्य कितें हें विशीं तिणें म्हाका सांगलें. मागीर म्हजे कडल्यान भाषण वाचून घेतलें. उपरांत स्वता हावभाव करीत तिणें तें वाचून दाखयलें. पेपराचीं चारेक पानां भरिलाली तिच्या बरपान. तीं आतां म्हाका पाठ करपाक जाय आशिल्लीं. तींय बी घरा वचून. वर्गात, गुरुजी शिकयता आतना तीं पाना दप्तरांतलायान भायर काडप ना अशी शिटकावणी बाईन म्हाका दिली. अभ्यासाच्या वेळार अभ्यासूच करपाक जाय अशें चार पांच फावटीं ठामपणान सांगलें.

त्या दिसा सावन तें भाशण आनी हांव अशी परिस्थिती जाली. राती कडेन पेत्रोलाच्या दिव्याच्या उजवाडांत लेगीत धरून हांव पाठ करपाक लागलें. तिसरो दीस उजवाडटा म्हणसर पुराय भाशण पाठ जाल्लें. तळयेर वचून, थंयच्या रुखांक आनी तांचेर आशिल्ल्या सुकण्यांक साक्षी दवरीत हांवें तें भाशण दोन तीन फावट घडघडीत म्हणलें आनी सारकें पाठ जालां म्हणपाची म्हजीच खात्री पटोवन घेतली. त्याच दिसा परत वचून बाईक मेळ्ळें.

'भाशण पाठ जालें, बाई.'

'कितें पाठ जालें? आनी इतले बेगीन?'आपल्या तोंडा वयलें अजाप बाई लिपोवन दवरूंक शकली ना. म्हाका म्हजोच अभिमान दिसलो. बाई मुखार उबें रावन हांवें तें भाशण धडधडीत म्हणून दाखयलें. बाईच्या तोंडार हांशें फुललें. कदेला वयल्यान उठून ती म्हजे सरीं आयली आनी म्हज्या तकलेचो तिणें उमो घेतलो. 'अशेंच उरलें जाल्यार कोणतरी व्हडले नक्कीच जातलें. तिणे म्हणलें. इंदिरा गांधी देशाची पंतप्रधान हें हांवूय जाणा आशिलालें. बाईक हांव तिचे तोडीचें दिसपाक लागलां म्हणजे म्हज्या आंगांत कितें तरी कुशळटाय आसा हे विशीं म्हज्या मनांत दुबाव उरलो ना.

मागीर बाईन म्हाका हातवारे करत भाशण उलोवपाक शिकयलें.

उलयतां उलयतां मदींच आयकतल्यांक एखाद्रो प्रस्न विचारलेवरी करून कांय खीण कशें ओग्गी रावपाक जाय तेंय सांगलें. म्हत्वाचो मुद्दो जेन्ना आपूण मांडटा तेन्ना तो जितले थंडपणान आनी सवकासायेन मांडटा तितलो तो बेगीन काळजांत रिगता अशें तिचें म्हणणें आशिल्लें. एकेक उतर ती म्हजे कडल्यान घोटोवन घेताली. प्रत्येक वाक्याक कशें तोंड आनी हातवारे करप हे तिकाय तोंडपाठ जाल्लें. दुसरे दीस एकाद्री मुद्रा करपाक विसरलें जाल्यार ती ज्युस्त सांगताली. नाटकांत जसो अनोगळकर मास्तर भरसून वतालो तशीच बाई आतां म्हज्या भाशणांत भरसून गेल्ली.

करतां करतां वचपाचो शेनवार आयलो. तीन दीस मडगांवांत उरतलें म्हूण हांवें म्हजी पिशवी केन्नाच भरून दवरिल्ली. आजयेन सकाळीं उठून तोंड धुवपाक राखोणी लेगीत एके ल्हानशेंच डबयेंत घालून म्हजे कडेन दिल्ली. वेगळो तुवालो दिल्लो. मामाक सांगून एक ल्हानसो शाबू हाडून दिल्लो. म्हजी सगळी तयारी सप्तका पयलींच जाल्ली. शुक्रार दिसा रंगीत तालीम म्हणत बाई म्हाका प्रार्थनेच्या वेळार सगळें भाशण भुरग्यां मुखार म्हणपाक लायलें. मात्तूय अडखळनासतना हांवें तें म्हणलें. बाईच न्हय तर हेर मास्तरूय खूश जाले. सकाळच्या वेळार पांचवे ते सातवेच्या वर्गांक शिकोवपी मास्तरूय मुजरत म्हजे भाशण आयकूंक राविल्लें. हेडमास्तर डेगवेकर गुरुजीन येवन म्हजे फाटीर हात भोंवडायलो. बाईन म्हाका सगळ्यांक पांयां पडपाक लायलें. 'ढाल घेऊन यायचं, बरं का?' अशें अनगोळकर गुरूजीन म्हणलें आनी म्हजे वयले जबाबदारीची जाणविकाय म्हाका जाली. गांवच्यो आनी शाळेच्यो अपेक्षा घेवन हांव मडगांवां वता अशें दिसलें आनी मनाचेर एक वजें चडलें.

शेनवारा दनपरां जेवन हांव मामा बराबर बाईगेर गेलें. वतना आजयेन म्हाका देवाऱ्या मुखार व्हरून आंगारो लायलो. आंगाऱ्याचीच एक ल्हानशी पुडी म्हजे पिशवेंत दवरली. सर्ती दिसा भायर सरतना हांवें तो आंगारो लावपाचो अशें तिणें तिनतिनदां सांगलें. मागीर पदराचे गाठीक बांदिल्ले चार आण्यांचें एक नाणें तिणे म्हजे पिशवेंत जतनायेन घालें. मडगांवांत कितेंय खावचेंशें दिसले जाल्यार हांवें तें वापरपाचें,

ओगीच बाईक वा तिच्या घरच्यांक त्रास दिवपाचो ना, सांगिल्लें आयकुपाचें आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणचे बाईचें बोट कशेंच सोडपाचें ना हें तीन दीस ती म्हाका सांगत आशिल्ली. मागीर तिणें सुरवात केली म्हणटकच हांवूच तिका तिचें भाशण उलोवन दाखोवंक लागलें आनी तिणें उपदेश बंद केलो. पूण मामाचो हात धरून हांव आंगण हुपतां म्हणसर एक फावट सांगपाक ती विसरली ना.

आमकां तारी मेरेन सांगात करपाक मामान हुलूक धाडिल्लो. दनपारचें वत कडक म्हणपा सारकें नाशिल्लें. सुकपाक पाविल्ल्या तणाचो वास वातावरणांत भरून राविल्लो. शेतां भितर नडणी आणि मळणेचीं कामां चलतालीं. कापिल्ल्या ताच्या भाताचो वासूय आसमंतात गणयत आशिल्लो. दीस तापिल्लो तर हय न्हयशें शीं अजुनूय उरलां कसो भास जातालो. मंद वाऱ्याचीं ल्हारां मदींच येतालीं आनी माडांचेर सुकण्यांनी केल्ले घोटेर धालपाक लागतालें. मडगावां वचपाची उमळशीक नाशिल्ली जाल्यार हांव थंयच कांय वेळ रावतलें आशिल्लें., बाईक सांगून.

तार हुपली. संथ ल्हारांचेर तुरतुरीत चलतले तारींत हांव दुसरे फावट बशिल्लें. पयले फावट मामा सांगातान गावांत आयिल्लें तेन्ना. मनाच्या कोनशाक साचून उरिल्ल्यो त्यो यादी खंय तरी मेकळ्यो जावंक लागल्यो. पूण म्हाका आतां त्या अप्रिय यादींचो सांगात नाका आशिल्लो. तें पेणें हुपून हांव खूप मुखार पाविल्लें. आईच्यो यादी आत्र्या पयऱ्यान येताल्यो. पूण आतां त्योय विरळ जावपाक लागिल्ल्यो. ना म्हळ्यार बाबाची मूर्त मदींच दोळ्यांसामकार येताली. म्हाका उखळून घेवन उंच वयर धरपी बाबा....

तारयाची आनी बाईची नदर चुकोवन हांवें उदकांत बोट घालें आनी बळयांच सगळ्यो यादी परतायल्यो. आतां म्हाका म्हज्या सपनांतलें मडगांव दिसपाक लागलें. सतींचें सभाघर दिसपाक लागलें.

तार हुपून आमी परत वाटेक लागली. आतां हुलूचो सांगात नाशिल्लो. पूण येतल्या वतल्याची जाग आशिल्ली. अर्दवर चलच मुकेल रस्त्यार पावला. थंय तर बरेच लोक कार्रेदीची वाट पळयताले. तातुतल्या एके बायलेक बाई वळखली. तिचेकडेन खबरो करपाक लागली. इतले म्हणसर

कार्रेत आयली. तिचो मुखावयलो पितुळचो भाग वतांत तिकतिकतालो. कार्रेत थांबतकीच पयलीं भिरतले लोक देवले. तातूंत गोविंदाचो बाबाय आशिल्लो. म्हाका पळोवन तो मुमुरखो हांसलो. हांगा म्हजेय वळखीचे लोक आसात हाचें म्हजें म्हाकाच अप्रुप दिसलें. जिवाक मातशी थाकायूय मेळ्ळी.

पांचेक मिण्टां रावन कार्रेत सुरू जाली. इतले मजगतीं भितर गर्दी जाल्ली. मागीर बाईन आनी तिचे कुशीक बशिल्ले तिचे वळखीचे बायलेन म्हाका मांडयेर घेतलें. बाईचे मांडयेर बसतना पयलीं जीव अनमनलो. अशें म्हूण बसतात? पूण बाईन बळयांच ओडून घेतलें म्हाका. म्हज्या पोटा भोंवतणी एक हात रेवाडून ती शेजारचे बायलेकडेन गजाली करपाक लागली. कार्रेतीन आतां नेट धरलो. एके लयींत ती वचपाक लागली. मदींच रावताली, लोक देंवताले – चडटाले. कार्रेत परत गती घेताली, ल्हान ल्हान घरांचे वाडे, शेतां, दिसली ना म्हाका. आमच्या गावांत तर दरेकलो दुसऱ्याक वळखता. शारांत हें अशें कशें? शार व्हडलें आसता म्हूण काय?

बाईच्या भावागेर पावलीं. रस्त्याचेदेगेकूच ताचें घर. मुखार ल्हानशीच बाग आशिल्ली. बागेची कुयदाद कोण तरी घेता म्हणपाचें दिसतालें. गुलाबाचीं गुलाबी फुलां तीन चार रोपांचेर धोंलतालीं. रोजिणूय फुलिल्ली. घराचें दार बंद आशिल्लें. म्हाका दिसलें घरांत कोण्ण आसचें ना. गावांत कोणें आपलें दार बंद दवरिल्लें हांवें केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें. दार बंद जातालें तें न्हिदपाच्या वेळार.

बाईन दारार मारलें आनी कांय वेळान एके बायलेन येवन दार उगडलें. आमकां पळोवन ती हांसली. 'येयात'अशें म्हणत तिणें म्हज्या हाताक धरून आमकां घरांत व्हेलें. 'बस'अशें म्हणून तिणें थंयच आशिल्ल्या एका झोपाळ्याकडेन बोट दाखयलें. आवय्यस, केदो व्हडलो झोपाळो, हांव न्हिदूंक शकता, इतलो व्हडलो. आंगान काळो कुळकुळीत आनी ताका पितळेच्यो सरपळ्यो आशिल्ल्यो. कसले तरी अनिवार ओडीन हांव त्या झोपाळ्याकडेन गेलें आनी ल्हवूच ताचे बसकेचेर हात भोंवडायलो. गुळगुळीत सो उबेचोसो स्पर्श. फाट वळोवन हांवें बाईकडेन

पळयलें. तिणें कुरवेनूच म्हाका बसपाक सांगलें. वयर चडून बसलें आनी ल्हवूच झोपाळ्याक झेल दिलो. कूंय असो आवाज करीत तो धोलपाक लागलो. बाई आनी ती बायल हांसली.

'मयुरी, ही म्हजी वयनी. आनी हें मयुरी. झाशीची राणी.'बाईन वळख करून दिली. वयनी समजल्लेवरी हांसली. म्हणजे म्हजे विशीं बाईन तांका केन्ना तरी समजावन सांगिल्लें आसपाक जाय.

कांय वेळान बाईन म्हाका हात पांय धुंवपाक लायले. कपडे बदलून हांव आयलें जाल्यार मेजार च्या आनी लाडू म्हजी वाट पळयताले. मेजार बसून खावपाचो पयलोच अणभव हांवें घेतलो. तिनसांज जाली तशी बाईचो भाव घरांत आयलो. ताचो पसरो बाजारांत आशिल्लो. तो आनी ताचो भाव मेळून तो चलयताले. बाईचो भावूय बाईसारकोच आशिल्लो. आंगात किडकिडीत आनी हांसऱ्या तोंडाचो. ताणें तर म्हाका पळयनाफुडेंच 'तूं झाशीची राणी मुगो?'असो प्रश्न विचारलो. म्हजे पयलींच म्हजी वळख हांगा पावल्या म्हणपाची जाणविकाय जाली. बाईचो म्हजेर खऱ्यानीच मोग आसा म्हणपाची भावना मनांत नाचपाक लागली.

बऱ्याच गजाली हांव पयले फावट थंय पळयतालें. विजेचो दिवो माथ्यार पेट्टालो. ताचो तो हळदुवो - केसरी उजवाड कुडींत सगळ्याक पसरिल्लो. मामान रेडिओ लायलो ते पयलीं रेडिओ नावाची वस्त आसता आनी ती चालू करतकच भितरल्यान मनसशाचो आवाज तशेंच संगीत कानार पडटा म्हणपाचें गुरूजीन सांगिल्लें. पूण प्रत्यक्षांतलो रेडिओ पयलेच पावट नदरेक पडटालो. वण्टीचेर फळी मारून बाईच्या भावान तो उंचायेर दवरिल्लो. बटन चालू करिनाफुडें भितरल्यान संगीत येवपाक लागलें. वेगवेगळ्या वाद्यांच्या आवाजान कूड भरून गेली. म्हाका मडगावाचें अप्रुप दिसलें. मंगल मडगावां वचपाचे खोशयेंन कित्याक इतलें भुलुसून गेल्लें तें कळ्ळें. मनांत विचार आयलो, वचून मामाक सांगचें काय आमीय हांगाच रावया म्हूण...? पूण आपूण गावांत रावता म्हूण अभिमानान सांगपी मामाचें तोंड दोळ्यांमुखार आयलें आनी बेत बदललो.

सकाळी उठून हांव आनी बाई विद्याभुवनाच्या भायल्या हॉलात गेली. खूप गर्दी आशिल्ली. मनातल्यान हांव खूप भिल्लमाभशेन जाले.

बाईक सगळी जाणां हडकिताली. बाई म्हाका घेवन हॉलात आयली. एका मनशाकडल्यान एक वाटकुळो कागद घेतलो. ताका आल्फीनेत आशिल्ली. तांचेर बाईन म्हजे नांव बरयले, आनी युनिफॉमाचेर लायले. म्हाका म्हजोच अभिमान दिसलो. अशेच कागदाचे बिल्ले लायील्ले खूप भुरगी आशिल्लीं तांचे म्हऱ्यात म्हाका व्हरुन बसयले. इतल्यान स्पर्धा सुरु जाली. म्हणपाची खबर एका चलयेन सांगली. तांणी विषयाचे नांव, वेळ, आनी कितली भुरग्यांनी भाग घेतला. तांची नांवा वाचली म्हजे नांव आयकून म्हाका बरे दिसले. पयले नांव आसले बाब विभव चंद्रहास रायतूरकर, त्याबरोबर तो मोठ्या आत्मविश्वासान मुखार आयलो, मायक हातात घेतलो, आनी गडगडीत आपले भाषण केले. हातवारे मात केल्ले ना. तांचे भाशण सोपतगच ताळ्यांच्या कडकडाटान तो चलो माचये वयल्यान सकयल देंवलो आनी एका जाण्टेल्यान येवन ताका वेंगायलो. तो चलो मडगांवचोच आनी एका गिरेस्त घराण्यातलो म्हणपाचें मागीर म्हाका बाईन सांगलें. ताचो पुराय घराबोच ताचें उलोवप आयकूपाक आयिल्लो.

ताचे उपरांत एके चलयेचे भाशण जाल्लें. काणकोण म्हालातल्यान आयिल्लें तें चुणचुणीत चली. उलयतना कांय कडेन गोंदळ्ळें. उलोवप विसरलें. पूण धिर सोडलो नाताणें. याद करून आपलें उलोवप पुराय केलें. उपरांत आनीक कांय भुरग्यांची भाशणां जालीं.

आनी म्हजी पाळी आयली. 'मयुरी प्रभू, सरकारी प्राथमिक शाळा, सुरंगाभाट, तालुका काणकोण.'माचयेवयल्या चलयेन जाहीर केलें आनी सभाघरांत शांतताय पातळ्ळी. ती शांतताय म्हाका रेवाडटा आनी आपले भितर खोल घेवन वता असो भास कांय खीण जालो. पूण रोखडेंच हांव सावध जालें. कदेलावयल्यान उठ्ठना बाईकडेन पळयलें. आपल्या मायेस्त नदरेन ती म्हाका उर्बा दिताली. ते नदरेन बरोच धीर आयलो. माचयेर पावता म्हणसर पाठ केल्लीं उतरां म्हज्या तोंडांतल्यान भायर सरपाक आतूर जाल्यांत कशें दिसपाक लागलें. बाईन शिकयिल्ले हातवारे मुखार येवापक लागले आनी माचयेर वचून देडेकशें लोकांचे गर्दे वटेन तोंड करून हांव उबें रावलें. पूण म्हाका ती गर्दी दिसचना जाली. ती उमळशिकेन

म्हजेकडेन पळोवपी तोंडां नदरेंत नाच कशें दिसलें. बाईन सांगिल्ले प्रमाण तोंडार मुमुरखें हांशें हाडीत हांवे सभाघराक नमस्कार केलो. 'नमस्कार, मी मयुरी. लोकमान्यांनी ज्यासाठी आटापिटा केला त्या स्वतंत्र देशात मुक्तपणे जगणारी एक किशोरी. आज लोकमान्य असते तर आपला देश आणि देशवासी कुठे असते ते सांगण्यासाठी आपली अनुमती मागते आहे.'पयलें वाक्य उलोवन हांव कांय खीण थांबलें आनी त्याच खिणाक परिक्षकांमदल्यान 'व्वा'अशें उतर फुटलें. डावे वटेनच्या कदेलार बशिल्लो एक परिक्षक हांसून म्हाका दाद दितालो तो दोळ्यांच्या कोनशांतल्यान हांवे पळयलो आनी नेट आयलो. घडघडीत भाशण हांव करपाक लागलें. सारकें बाईन शिकयिल्ले तशेंच. मदींच लोकांच्यो ताळयो वाजताल्यो तेन्ना मातशें रावतालें. कसलीच चूक करीनासतना म्हजें भाशण सोपयलें आनी 'जय हिंद'म्हणत जेन्ना माचयेसकयल देंवलें तेन्ना सभाघरांत ताळयांचो कडकड जालो. कदेलार बसतना शेजरा बशिल्ल्या भुरग्यानूय 'बरें जालें आं भाशण.'अशें म्हणून दाद दिली आनी हांव लजलें.

उपरांत आनीक कांय भाशणां जालीं. वट्ट तीस भुरगीं आयिल्लीं सर्तीत वांटो घेवपाक. भाशणां सोंपलीं आनी परिक्षक निकाल तयार करपाक लागले. बाई आयली आनी म्हाका घेवन भायर गेली. वयनीन भायर सरतना आमकां थर्मासांत घालून च्या दिल्ली. आनीक शिरोय दिल्लो. आमी दोगांयनीय तो खालो. इतल्यान एक जाण्टेलो म्हजेसरीं आयलो. मायेस्त नदरेन म्हजेकडेन पळत ताणें म्हज्या भाशणाची स्तुती केली. 'वचूं नाकात आं. एक बक्षीस तुमकां आसाच'अशें सांगत तो मुखार गेलो.

'बाई, खऱ्यानीच मेळटलें आमकां बक्षीस?'हांवें बाईक विचारलें.

'तुजे उलोवप अपेक्षेपरस सुंदर जालें. बक्षीस मेळटलेंच तुका अशें म्हाकाय दिसता. पूण खंयचें तें सांगपाक जावचें ना. हेर कांय भुरगेय बरे उलयल्यात.'बाईन जाप दिली.

निकाल जाहीर करता म्हणपाचें आयोजकानी सांगलें तशीं आमी सभाघरांत आयलीं. आतां गर्दी वाडिल्ली. माचयेर आतां वेगळेच मनीस बशिल्ले. तातुंतलो एक मंत्री म्हूण बाईन सांगलें. कार्यावळ सुरू जाली.

आतां आयकुपाची पाळी आमची आशिल्ली. लोकमान्य टिळकांचेरूच माचयेर बशिल्ले उलयताले.

निमणो तो खीण आयलो. एक कागद हातांत घेवन एक जाणटो मनीस निकाल सांगपाक उबो रावलो. सभाघरांत आतां किण्ण शांतताय पातळिल्ली.

'आधीं उत्तेजनार्थ पारितोषिकांचे विजेते जाहीर करतो. तृतीय उत्तजनार्थ दिनकर मोरेश्वर मराठे, न्यु एड्युकेशनल इन्स्टिटयुट.'ताणें घोशणा केली आनी एक भुरगो हांसत हांसत माचयेकडेन गेलो. थंय बशिल्ल्या एका मानेस्तान ताच्या हातांत प्रमाणपत्र आनी कसलें तरी पाकीट दिलें. अशें करून तिनूय उमेद वाडोवपी इनामां जाहीर जालीं. तातूंत म्हजें नांव नाशिल्लें. एदोळच्यान म्हजो सांगात सोडून गेल्ली ती काळजांतली धडधड परत आयली. पयलेच फावट आयिल्लें हांगा. उमेद वाडोवपी इनाम घेवप हेंच ध्येय धरून. 'निदान एक सुरुवात तरी होईल'अशें वतना अनगोळकर गुरुजीन म्हणिल्ले. पूण हांगा तर त्याय इनामान म्हाका फटयिल्लें. पयलीं तीन इनामां जाहीर जावपाचीं आशिल्ली. पूण म्हजे सारके एके नवखे चलयेचो थंय निभाव लागपाची शक्यताच म्हाका दिसनाशिल्ली.

'स्पर्धेचे तिसरे पारितोषिक मिळाले आहे, विभव चंद्रहास रायतुरकर या दोमोदर विद्यालयाच्या विद्यार्थ्याला.'ताळयांच्या कडकडाटांत सर्तीचें पयलेंच भाशण करपी तो चुणचुणीत भुरगो उठलो आनी ताणें माचयेर वचून आपलें इनाम घेतलें. म्हजी निर्शेवणी वाडली. दिसलें, बाईकडेन वचचें. तिचो हात हातांत घेवचो आनी तडक सुरंगा भाटाची वाट धरची.

'दुसऱ्या बक्षिसाची विजेती आहे कुमारी सरस्वती जोग. स. प्रा. विद्यालय फोंडा.'माचये वयलो मनीस सांगतालो. म्हाका म्हजे कान बसल्यात कशें दिसपाक लागलें. किण्ण करून एक आवाज कानांत आनी मेंदवांत घुंवता कशी जाणविकाय जाली. ताळयांचो गडगड, 'शाबास, शाबास'म्हणत ते चलयेक शाबासकी कानार पयसुल्ल्यान पडटा अशें दिसतालें. दोळ्यांत दुकां दाटलीं. हताश पणान हांवें ल्हवूच बाईचेर नदर मारली. तिची नदर मात माचयेर थिराविल्ली.

'आणि यंदाच्या या स्पर्धेचे विजेतेपद, रोख रुपये शंभर रुपयांचे बक्षीस तसेच फिरती ढाल जिंकली आहे...'इतलें उलोवन तो मनीस कांय खीण ओग्गी रावलो. पळयतल्यांची उमळशीक वाडोवपाचो ताचो हो यत्न. पूण म्हाका ताचें पडूंक नाशिल्ले. केन्ना एकदां वचून आजयेचे वेंगेंत रिगतां अशें जाल्ले.

'विजेती आहे, सरकारी प्राथमिक विद्यालय, सुरंगाभाट येथील कुमारी मयुरी सुभा प्रभू'ताणें जाहीर केलें आनी तें सभाघर म्हजे भोवतणी घुंवता कशें दिसपाक लागलें. कांय खीण तर म्हजो कानाचेर विश्वासूच बसलो ना. हांवें वळून बाईकडेन पळयलें. उबी रावन तीय ताळयो मारताली. तशीच उठून ती मुखार आयली. म्हज्या हाताक धरून तिणें म्हाका कदेलावयल्यान उठयलें आनी माचयेकडेन घेवन गेली. ताळयांचो कडकड थांबनाशिल्लो. एक सपनूच हांव जियेतांकशें दिसताले.

बाईचो हात धरुनूच माचयेर गेलें. थरथरत्या हातानी इनाम घेतलें. अचंकित आई दोळ्यां सामकार आयली. म्हाका खातकुतल्यो करपी बाबा दिसलो. आजी, मामा, म्हजो राणे मास्तर, कुळागर, तळी, गोठ्यांतलीं गोरवां, सगळें सगळें नदरे मुखार नाचून गेलें. ताळयांच्या कडकडाटांत हांव भिजून गेलें. केन्ना एकदां दुसऱ्या दिसाची सकाळ उजवाड्टा आनी म्हजी ढाल घेवन हांव आजयेक व्हरून दाखयतां अशें दिसपाक लागले.

तिनसांज जाल्ली. आतां घरा वचप शक्यूच नासलें. रातीकडेन बाईच्या भावागेर रावप आनी सकाळ जायनाफुडें घरची वाट धरप हें पयलींच थारिल्लें. उमेदीन ती ढाल घेवन वयनीगेर आयलें. जड आशिल्ली ती ढाल. पूण बाई सांगता आसतनाय हांवें ती तिचेकडेन दिली ना. ती म्हाकाच व्हरपाची आशिल्ली. वाटेंत साबार जाणांनी आमचेकडेन नदर मारली आनी म्हजें हड्डें फुगलें.

'मयुरी, ही फकत सुरवात जाल्या. तुज्या आंगांत कळाशी आसा. तिच्या नेटार तूं खंयूय वचपाक शकतलें. पांय मात जमनीर आसूं दी तुजे.'बाई म्हाका सांगताली हांव तकली हालयतालें. पांय जमनीस आसप म्हणचे कितें तें तिका विचारपाचेशें दिसलें, पूण मन आवरलें. बाई कितें

तरी बऱ्याचेंच सांगता हाची जाणविकाय आशिल्ली.

वयनी आमचीच वाट पळयत झोपाळ्याचेर धोलताली. ढाल पळोवन तीय खुशालभरीत जाली. म्हाका वेंगेंत घेवन तिणें म्हजो उमो घेतलो. मागीर आपल्याच हाताचीं बोटां आपल्या कानसुलाचेर म्होडलीं आनी मायेन म्हाका घेवन ती रांदचे कुडींत गेली.

वयनीन केल्ली हुनहुनीत भजीं खातनां म्हजें मन तार काडून सुरंगा भाटांतल्या कुळागरांत पाविल्लें.

प्रकरण - १०

हांव चवथेंत पाविल्लें. मातशें व्हडलें जाल्लें म्हणल्यार जाता. चवथी पास जाल्ले कांय जाण मागीर पांचवेखातीर शारांत वतात. गावांत मराठी शाळा आसा. तांका इंग्लिश शिकपाचें आसता. हांवें कितें करचें हाचेरआमच्या घरा केन्ना केन्ना खल जातालो. आजी उलयताली, केन्नाय कामेऱ्यांमदीं तोंड घालतालीं. मामा मात ओगीच रावतालो. मुमुरखें हांसत म्हाका पळयत बसतालो.

नातालांची सुटी सोंपिल्ली. शाळेचे खेळ सुरू जाल्ले. हरशीं केन्नाच नदरेंत येनात अशे चले आनी चलयो आतां मैदानाचेर दोळ्यांक दिपकावपी कामगिरी करतना दिसतालीं. कोण कबड्डी बरी खेळं तर कोण लंगडीत फिशाल आशिल्ली. धांवतना तर दरेकल्याच्या कानात वारें गेलां काय कितें अशें दिसप. हांगा हांवूच मातशें फाटल्यान आशिल्लें.

त्या दिसा पाटील गुरुजीन हो डबो फोडपाचो खेळ सुरू केल्लो. पाटील गुरूजी सवे-सातवेक शिकयताले. पोरूं वर्सा सावन ते शाळेंत आयिल्ले. रावताले गावा भायर. दादा भटाच्या भाटांत एक घर आशिल्ले, थंय. गावांत इतलीं घरां आसतना आनी मास्तराक सुवात दिवपाक सगळ्यांची तयारी आसतनाय ते इतले पयस कित्याक रावतात असो प्रश्न हेर भुरग्यां बराबर म्हाकाय पडटालो. हेर मास्तरांगेर भुरग्यांची कसल्या ना कसल्या कामा निमतान यो-वच जाताली. पूण हे मास्तर मात आपल्यागेर सहसा कोणाक आपयनाशिल्ले. ते चित्रां बेस बरीं

काडटात, आंगणांत कदेलाचेर बोर्ड दवरून काडटात अशेंय कांय भुरगीं सांगतालीं. कोण म्हण, तांकां चड उलोवपाक नाका म्हूण ते मनशांपसून पयस वचून रावल्यात. ते उलयताले ते फक्त वर्गांत. तेंय आपल्या शिकोवपा पुरते. तशे हेर मास्तरांकडेन बरे वागताले. तांका मजतूय करताले. पूण आपूण जावन कितें केलें अशें ना. ताका लागून तांचे भोवतणी एक गूढ वयल कशें तयार जाल्ले.

आनी ताकाच लागून दनपारच्या कडार तांणी हो खेळ कित्याक सुरू केलो हाचेंय अजाप आमकां जाल्लें. हेर मास्तर आनी बाई शाळेमुखावयल्या पिपळाच्या म्हाल रुखा पोंदा बसून आमचो खेळ पळयतालीं. गुरुजी एकेका भुरग्याक आपयताले. ताच्या दोळ्यांभोवतणी आपलो लेस बांदताले आनी ताका वांटकुळोच घुंबडावन सोडून दिताले. कांय जाण मागीर कंयचे कंय भरकटत वताले. हेर भुरग्यांक हांसतना नाका पुरो जातालें. कांय जाण तर ताचो गोंदळ वाडोवपाक ताका न्हय न्हय तसल्यो सुचोवण्यो करताले. चलयो बशिल्ल्यो ते दिशेन भुरग्याक धाडपा खातीर तर चल्यांमदी सर्तूच कशी चलताली. सवे सातवेच्यो चलयोय त्या यत्नांक प्रतिसाद दिताल्यो. कांय जाण चल्यांकडेन वादूय घालताल्यो.

विसेक भुरग्यांनी यत्न करून पळयलो, पूण डबो मात तस्सोच आशिल्लो. इतल्यान रामचंद्राची पाळी आयली. रामचंद्र हो सवेचो भुरगो. ताची आवय सुणें चाबून रॅबीज जावन मेल्ली तर बापूय आरीचें दुवेंस जावन घरा हातरुणार पडून आशिल्लो. ताचें एक पयसुल्लें आका गावांतूच रावतालें. तेंच ताका जेवपाक वाडटालें. शिडशिडीत आंगाचो रामचंद्र तोंडान मात सदांच हांसरो. ताचे बद्दल दरेकल्यान काकुळट दिसताली. आवय विणें वाडपी भुरगो म्हूण म्हजी आजीय केन्ना क़ेन्ना चुरचुरताली.

रामचंद्र वचून रिंगणांत उबो रावलो. गुरुजीन ताच्या दोळ्यांभोंवतणी लेस बांदलो आनी ताचें तोंड वता वटेन केलें. बांदतना खाच उरिल्ली जाल्यार ते खाचींतल्यान रिगिल्लें वत भुरग्याच्या दोळ्यांत घुसतालें आनी तो भितरले भितर दोळे धांपपाचो यत्न करतालो. अशे तरेन बांदप चुकलां म्हूण कळटालें. पाटील गुरुजीची ही युक्ती म्हाका ज्युस्त कळिल्ली.

गुरुजीन रामचंद्राक बरोच घुंवडायलो आनी मेकळो सोडलो. हातांत दांडो घेवन तो रिंगणात भोंवपाक लागलो. कित्याक कोण जणा पूण ताचीं पावलां हेरांवरी गोंदळिल्लीशी दिसनाशिल्ली. तो रिंगणात घुंवतालो खरो, पूण एक निश्चित दिशेन गेल्लेवरी दिसतालो. तो आडखळ नाशिल्लो. भुरगे ताका 'शेड्ड्या हांगा यो, शेड्ड्या, मार दांडो'करीत कुथलायताले. पूण तोंडार हांशें दवरून तों भोंवतालो. अचकीत तो डब्याकडेन पावलो. भुरग्यांचो कुलकुलाट एकदम वाडलो. 'रामचंद्र, मार दांडो, शेड्ड्या, मार मरे'चोंय वटांतल्यान ताका सुचोवण्यो मेळूंक लागल्यो. शेवटाक ताणें सगळ्यांचो अदमास गेतलो आनी दांडो ज्युस्त डब्यार मारलो.

पोरांच्यो कुयो आनी शिळोवण्यांनी मैदान भरून गेलें. कांय भुरग्यांनी तर मुखार वचून रामचंद्राक उखलून खांद्यार घेतलो आनी ते नाचपाक लागले.

पूण...पूण हें कितें? रामचंद्राच्या दोळ्यांचेर ताचें तें सदाचें हांशें नाशिल्लें. ते दोळे दुकांनी भरून गेल्ले. हय, रामचंद्र रडटालो. भुरग्यांक कळटा म्हणसर तो हिमट्यो दीत रडपाक लागलो. अजाप जाल्ल्या भुरग्यांनी ताका सकयल देवयलो. ताचे भांवतणी रेवाडो घालो. दरेकलो ताका कितें जालें म्हूण विचारतालो आनी रामचंद्र हिमट्यो दीत व्हडाव्हडान रडटालो.

इतलो वेळ मजेंत बसून खेळ पळोवपी हेर मास्तरूय जाग्यावयले उठले. पाटील गुरुजी तर तरतरीत भुरग्यांच्या रेवाड्यांत घुसले आनी रामचंद्राकडेन आयले. 'काय झाले रे रडायला?' ताणी रामचंद्राक विचारलें. तसो ताच्या रडपाचो सूर आनीक वाडलो.

'तेका कितें तरी चावलां आसतलें, गुरुजी.'एका भुरग्यान सुचयलें.

'ए, हय, काल दिनूचे आईक शेतांत गेल्ले कडेन फुरशें चावलें.'दुसऱ्यान भर घाली.

'हांगा फुरशें खंयचें येतलें. तेका म्होंवाचो मूस चावला आसतलो. पिपळाचेर म्होवाचें पोळें केलां.'तिसरो उलयलो.

'ए, गप्प. हां, बोल रे रामचंद्र. काय झालेंय?'गुरुजीन रामचंद्राचो हात आपल्या हातांत धरीत विचारलें.

'म्हाका दिसतालें, गुरुजी.'रामचंद्र आनीक नेटान रडपाक लागलो.

'काय दिसत होते तुला?'गुरुजीक कांयच कळूंक नाशिल्लें.

'सगळें, तुमी, बाई, भुरगीं, सगळें दिसतालें.'

आतां गुरुजींच्या बराबर भुरग्यांच्याय तकलेंत उजवाड पडलो. रामचंद्राच्या दोळ्यांचेर पट्टी सारखी बांदूक नाशिल्ल्यान ताका सगळें दिसतालें. देखुनूच ताचीं पावलां खात्रेन पडटालीं.

गुरुजी कितें करता हाची उमळशीक भुरग्यांक लागिल्ली. रामचंद्राच्या हाताक धरून गुरुजीन ताका पिपळापोना कदेलां घाल्लीं थंय व्हेलो. फाटोफाट आमी.

'काय करुया रामचंद्राला? त्याने कबुली दिलीय.'गुरुजीन हेर मास्तरांकडे पळोवन विचारलें. ते एकामेकाच्या तोंडाक पळोवन हांसले.

'त्याला शाबासकी मिळायला नको का?'देसाई बाईन हिमट्यो दीत अजुनूय रडटल्या रामचंद्राकडेन पळयत म्हणलें.

'शाबासकी?'पाटील मास्तर एकदम उसळ्ळे. 'कशासाठी शाबासकी?'

'अहो, असं काय बोलताय? त्याने प्रामाणिकपणे नाही का कबुल केलेय?'– बाईन म्हणलें.

'ह्याला प्रामाणिकपणा म्हणायचा? मग जेव्हा दिसायला लागले तेव्हाच का नाही सांगितले त्याने? तेव्हा कुठे गेला होता त्याचा तो प्रामाणिकपणा. ह्या आपल्या चालल्या वाहवत'गुरुजींचो निमाणो शेरो बाईक उद्देशून आशिल्लो. त्या उतरांनी बाई तटास जावन उबी रावली.

'कुणाला काय म्हणताय तुम्ही, गुरुजी?'बाईचो आवाज केन्ना न्हय इतलो कठोर जाल्लो.

'मी आगंतूक सल्ले देणाऱ्यांना म्हणतोय. माझा प्रश्न हेडमास्तराना होता. तुम्ही का मध्ये पडलात? नसता चोंबडोपणा मला खपकत नसतो. आपल्या मर्यादेत राहावे माणसाने.'पाटील मास्तर तरतरीत उलोवन गेलो. मात बाईचे नदरेक ताणें नदर दिली ना. पुराय शाळेंतल्या भुरग्यांमुखार हें सगळें चलतालें. आमी तोंड उकतें दवरून पळयत उरलीं.

'मर्यादा आणि पायरी आम्हालाही कळते.ती सोडणाऱ्यांनी इतराना

उपदेश करायचा नसतो.'बाईचो आवाज कर्कश जाल्लेवरी म्हाका दिसलो.

'अहो, पुरे आता.'अशें म्हणत अनगोळकर मास्तरान तोंड मदीं घालें आनी पाटील मास्तरांच्या खांदार हात दवरून तो ताका पयस घेवन गेलो. आमची खेळा वयली वानसाच उडिल्ली. हेर मास्तरानी मैदानावयलें सामान शाळेंत दवरपाक आमकां सांगलें आनी भंय, हुसको, उमळशीक अश्यो संमिश्र भावना सांगाताक घेत आमी घरा वचपाक लागलीं.

पाटील मास्तरान बाईचो असो अपमान कित्याक करचो हेंच आमकां कळूंक नाशिल्लें. मास्तर आयिल्लो तेन्ना तो बाईकडेन बरो वागतालो तें आमी पळयिल्लें. आपलेकडेलीं पुस्तकां तो बाईक वाचपाक दितालो. केन्ना केन्ना वर्गा भायर रावन तीं हांसत हांसत एकामेकाकडेन उलयतालीं. अकस्मात अशें कितें जालें काय?

घरा परततना मनांत आनी चर्चेंतूय तोच विशय. अकस्मात सातवेंतलें श्रीमती आमचे बराबर येवन चलपाक लागलें. तें चित्राचें पयसुल्ल्यान सोंयरें. सणा परबेक तांगेर येवपी. सातवेंतली हें ताचें दुसरें वर्स. ताचे पयलीं सवेंतूय ताणें दोन वर्सां काडिल्ली.

'गुरुजीन तिडक काडली बाईचेर.'ताणें येनाफुडें चित्राक सांगले.

'कसली तिडक? चित्रान ताका विचारलें. म्हजे कानूय आयकुपाक आतूर जाल्ले.

'तुमकां कांयच खबर ना. गुरुजी मरतालो बाईचेर. बाईन ताका ना म्हूण सांगलें. म्हूण रागान तिचो अपमान केलो ताणें.'फुतफुतिल्लेवरी श्रीमतीन सांगलें.

गुरुजी बाईचेर मरतालो म्हणचे? दुसऱ्याचेर मरप म्हूण आसता? अशें कशें मरतात तर? आनी मरपाचें आशिल्लें जाल्यार बाईचो अपमान करून कित्याक मरप? साबार प्रश्न एकूच फावट मनांत फुगडी घालपाक लागले. हांवें चित्राकडेन पळयलें. ते मुमुरखें हांसतालें.

'तिका पुस्तक दिवपाक गुरुजी दनपारां येतालो आनी मुगो थंयच उलयत रावतालो. तेन्नाच म्हाका दुबाव येयलेलो. पुस्तकांत घालून तेणे तिका पत्र दिलां आसतलें न्हृ गो?'चित्रान श्रीमतीक विचारलें. श्रीमती

आपूण खूप जाणकार आशिल्लेवरी हांसले. पूण उलयलें कांयच ना.

म्हाका दिसलें, घरा वचचें आनी मामाक विचारचें. पूण रोखडोच एक भंयसो मनांत उपरासलो. हो कितें तरी वेगळोच प्रकार आसा म्हणपाची जाणविकायजाली आनी थारायलें, मामाक कांयच विचारपाचें ना. कळटलें केन्ना तरी.

दुसरे दीस शाळेंत गेलें तेन्ना तेच गजालीची चर्चा भुरगीं चोंब्यांनी करतात म्हणपाचें दिसलें. हांव पावतकच म्हज्या इश्टिणी वग्गी जाल्यो. कितें तरी उलोवपाक इंदून तोंड उगडटा थंय आसा, जीवनान ताका दपटायलें 'ओग्गी राव गो. मयुरी बाईचें आवडटें म्हूण नकळों तूं? वचून सांगतलें तिका. मागीर आमकां भरतलें आं.'इंदू थंड पडले.

कितें तरी आनिकूय जालां आनी म्हाका हीं सांगपाक टाळटात म्हणपाचें म्हज्या लक्षात आयलें. हांवूय ओगीच रावलें. इतल्यान बाई आपल्या वर्गांत वतना म्हाका दिसली. जिवाक सू जालें. ती येतली काय ना असो एक दुबावसो मनात नाचतालो सकाळच्यान. बाई वर्गांत गेली आनी भुरग्यांनी एका सुरांत कविता गावपाक सुरवात केली तेन्ना थंय तरी सगळें वेवस्थित आसा म्हणपाची जाणविकाय आंगार खोशयेचें एक ल्हार लोटून गेली. पूण तरींय भुरगीं कितें तरी कुतकुततात कशें दिसतालें. हांवें वळून पळयतकच उलयतलीं तोंडा चावी सोंपिल्लेवरी बंद जातालीं.

मदली सुटी जाली आनी रीमा म्हज्या म्हऱ्यान आयलें. काल तें येवंक नाशिल्ले. देखून ताका कालचीं गणितां चुकिल्लीं. तीं म्हजेकडल्यान समजावन घे म्हूण गुरुजीन ताका सांगिल्ले. समजावन घेवप म्हणजे म्हजे चोपडेंतली आपले चोपडेंत बरोवन काडप. रीमा येवन म्हजेकडेन चोपडी मागपाक लागलें. एक आयतीच संद म्हजेकडेन चलून आयिल्ली.

'चोपडी दिता तुका, पूण भुरगीं कितें उलयतात तें सांग. कितें लिपयतात तीं?फ

'तुका खबर ना? आगो, पाटील गुरुजी खंय सकाळीं शाळेंतूच येवंक ना. जिवाक बरें ना म्हूण हेडमास्तराक सांगून खंय गेलो. फोंड्यां वयतकच खंय तेणें लिव काडली आनी रकाद धाडलो हेडमास्कतराक आपुण म्हयनोभर शाळेंत येवचोना म्हूण. सगळें सामान घेवन गेलो खंय

तो. दादा भटागेर कस्तुऱ्या आवय कामाक वयता न्हू, ती सांगताली आईक.

पूण गुरुजीन कित्याक वचप? ताणेंच तर बाईचो अपमान केल्लो. वचपाचें बाईन न्हय, लज जावन? म्हज्या मनांतलो गोंदळ आनिकूय वाडलो. तातुतले तातूंत आपली आवडटी बाई शाळेंत आसा आनी ती सदचे वरीच कांयच जावंक नाशिल्ले वरी आमचेकडेन वागता हें पळोवन मन सुखावलें. बाईची मनस्थीति कशी आसा हें तपासपाखातीर एकदोनदां हांव ओगीच तिचे वाटेंत आडवें गेलें आनी तिका हटकिलें. तिणेंय तिचें तें प्रसन्न हांशें तोंडार फुलयत म्हाका जाप दिली.

गुरुजी आनी बाई मदलें तें झगडें भुरग्यांक चर्चा करचे खातीर कांय दीस पुरवलें. मागीर ल्हव ल्हव सगळीं तो प्रकार विसरलीं. मजगतीं पाटील सर मात म्हयनो सोपून लेगीत शाळेंत आयलो ना. ते घडणुकेक दोनेक म्हयने जाले आनी नावगेकर म्हूण दुसरोच मास्तर शाळेंत रुजू जालो. कोरान काळो कुळकुळीत आनी तोंडांत सदांकाळ पान दवरपी. ताचे दात लेगीत त्या पानान तांबडेच करून उडयिल्ले. वर्गांत आसतनाय तो पान चाबडायतालो.

पाटील मास्तरान शिकोवपूच सोडलें आनी तो बेळगावां वचून आपल्या शेतांत काम करपाक लागला म्हूण कोणें तरीं खबर हाडली. कोणें सांगलें, ताणें पेडण्यांत बदली करून घेतल्या, बाईचेर नदर पडपाक जायना म्हूण. तर कोणें ताका मडगावां रेल्वे स्टेशनाचेर पिंजके कपडे घालून बशिल्लो पळयला अशीय वावडी गावांत उठली. एक खरें, ते घडणुकेउपरांत पाटील मास्तर मात केन्नाच कोणाक दिसलो ना.

सादारण म्हयनोभर पाटील मास्तर आनी बाईचो विशय भुरग्यांक चर्वणाखातीर मेळ्ळो. पूण मागीर सगळें आशिल्लें तशें थीर जालें.

ना म्हणल्यार नावगेकर मास्तराची तिडक ही एक चर्चेचो विशय जालो. मास्तरान मारप वा ख्यास्त करप हाचें व्हडलेंशें अजाप कोणाक दिसनाशिल्लें. अनगोळकर गुरुजींची पद्दत मातशी वेगळीच आसताली. तांका भुरगो न्हांवन शाळेंत आयिल्लो जाय आसतालो. जो न्हायनासतना येता ताची बरीच फकांडां ते करताले. हेर भुरग्यांमुखार ताका लजेक

घालताले आनी मागीर पेनान ताच्या गळ्याचेर आडवी वळ रेखताले. दुसऱ्या दिसा ती वळ ते तपासताले. वळ पुसली म्हणजे भुरगो न्हालो असें कितेंशें तांचें गणीत आशिल्लें. पूण वळ काडून तांची फाट वळ्ळी म्हणटकच भुरगो ती वळ थंयच पुसून उडयतालो. कांय जाण तर सरळ आपल्या हाताचेर थुकी घेवन तें काम करताले. पूण हे पद्दतीक लागून आमचेमदलो न्हाय नासतना येवपी कोण हें मात सगळ्या वर्गाक कळ्ळें.

-¦--×--¦-

प्रकरण - ११

एक दीस आमी दनपरां शाळेंत यो जाल्यार सुर्याक ओणवो करून दारांत दवरिल्लो दिसलो. सुर्या हो आडांगी भुरगो म्हूण गाजतालो. कितेंय विचित्र आनि कल्पनेभायलें करचें आसत तर तें सुर्याक सांगचें अशी फामूच जाल्ली शाळेंत. तो दत्तू राणेच्या घराकडेन रावतालो, देखून देसाई बाईचे वाटेक केन्ना वचनाशिल्लो. पूण हेर मास्तरांची मात फाटूच कशी धरतालो. मास्तर वर्गाच्या भायर गेलो म्हणटकच आपणें फळ्यामुखार वचप आनी ताची नक्कल करप हो ताचो आवडटो छंद. तो व्हडल्या व्हडल्यान उलयत नक्कल करतालो आनी भुरगीं खिदळटालीं. सवेंत शिकतल्या सुर्याची किर्त सांजे वेळार शाळेंत येवपी पयलेच्या भुरग्यांकूय खबर आशिल्ली. हो सुर्या ते दीस नावगेकर मास्तराच्या तडाख्याक सापडलो.

वर्ग सोपोवन मास्तर भायर सरलो आनी सदचे प्रमाण ताची जागा सुर्यान घेतली. एका गालांत पानाचो तोबरो भरिल्लेवरी उलयत तो मास्तराची नक्कल करपाक लागलो. मदींच दांत विचकावन दाखोवंक लागलो. भुरगींय ताका दाद दिवपाक लागलीं. चलयो लेगीत आपल्याक हांसतात हें पळोवन सुर्याची उमेद वाडली. तो मास्तराभशेन कदेलार बसलो आनी एक पांय ताणें मेजार दवरलो. ज्युस्त त्याच खिणाक मास्तर परत वर्गांत आयलो. आपलें वक्ल तो थंय विसरून गेल्लो. अभिनयाची तंद्री लागिल्लो सूर्या ताचे नदरेक पडलो आनी मास्तराचें

खवळ्ळें. मेजारूच आशिल्ली पट्टी घेवन पयलीं ताणें ती सुर्याचे फाटीर आनी हातापायांचेर शेंपडायली. पट्टी म्होडनाफुडें पायांतलें चामड्याचें जोतें काडून सुर्याक बरोच धाडायलो आनी मागीर शाळेच्या दारार हाडून ओणवो दवरलो. फाटीर ताचेंच दप्तर दिलें आनी आपूण सांगता तेन्नाच घरा वचपाचें अशें सांगून मास्तर घरा गेलो. दनपारची शाळा भरली तरी लेगीत सुर्या ओणवोच आशिल्लो. तसो मदींच उठून उबो रावतालो. पूण येतल्या वतल्याची सुलूस लागतकच आसा तसो परत ओणवो जातालो.

नावगेकर मास्तरान ताका ओणवो दवरला ही खबर सांजेचे शाळेंत पसरली. हेर मास्तरांकूय नावगेकर मास्तराचो राग खबर आशिल्लो. कोणूच सुर्याक वाटावपाक आयलो ना. मात देसाई बाईन ताका पळयलो आनी तीणें वचून सुर्याक उबो रावपाक सांगलें. सुर्या अनमनतालो, तरीय तिणें बळयांच ताका उबो केलो. 'गुरुजीनी विचारल्यार म्हजें नांव सांग.'अशें म्हणत ताच्या खांद्याक ताचो बोटवो लायलो आनी घरा वचपाक सांगले.

मदले सुटयेंत नावगेकर गुरुजी शाळेंत यो जाल्यार सुर्या जाग्यार ना. तांच्या तोंडार तांची ती तिडक परत उदेली. ताणीं चौकशी करतकच कितें जालें तें तांकां कळ्ळें. बाई मदीं पडल्या म्हणटकच ते मातशे निवळ्ळें. पूण सुर्याक आपूण कसोच वर्गांत घेवपाचो ना हें ताणी हेर मास्तरांक थंयच सांगून उडयलें. आमीय तें स्पश्टपणान आयकलें.

सुर्याचें फाल्यां सावन कितें जातलें हाचेर चर्चा करीत आमी आंगणांत उबीं आशिल्ली. इतल्यान पांच स मनीस तरतरीत शाळेंत येतना दिसले. सुर्याचो बापूय, दोन चुलते आनी दोन भावांक भुरग्यांनी पयसुल्ल्यान वळखलें. आतां कितें तरी घडटलें म्हणपाचो अदमास पुराय शाळेक आयलो. गुरुजी कार्यालयांत बसून विसव घेताले..तांचेमेरेन कोणें तरी ही खबर पावयली. अनगोळकर गुरुजी,नाईक गुरुजी आनी घोडगे गुरुजी मातशे भियेतूच भायर आयले. ते म्हणसर सुर्याचो बापूय शाळेंत पाविल्लो.

'खंय आसा रे तो मास्तर. हात चड उखलता ताचो? कापुनूच उडयतां.'ताणें हातातलें पाळ दाखयत म्हणलें आनी म्हजो आवरोच

उडलो. ताचो अवतार पळोवन तो मास्तराक कसोच सोडचोना म्हणपाचें जाणवतालें. सुर्याचे भावूय तशेच चाळवल्लें.

'अहो, ऐका तर खरे...'अशें म्हणत अनगोळकर मास्तर मुखार आयले. ते बराबर सुर्याच्या चुलत्यान तांका शिटकायलें.'मास्तर. तुमी मदीं पडूंक नाकात. तुमचे विशीं कांयच म्हणणें ना आमचें. आमकां तो काळेलो मास्तर दाखयात. ताका बुद्ध शिकयले बगर वचचे नात आमी.'

'हे पहा, एकट्याने गाय मारली म्हणून दुसऱ्याने वासरू मारावे का?'अनगोळकर गुरुजीन तरीय यत्न सोडले नात. इतल्यान सुर्याच्या भावाची नदर पाटील मास्तराचेर पडली. कार्यालयाच्या दाराआडच्यान तो तांकाच पळयतालो. 'हो तो पळय भियोवन लिपला.'अशें म्हणत ताणें कार्यालयाचे दिशेन झोपय घेतली. फाटोफाट हेर जाण धांवले. आतां मास्तर जगना म्हूण आमकां कळ्ळें. ल्हान भुरगीं तर व्हडा व्हडा रडपाक लागलीं.

पूण, सुर्याचो भाव कार्यालयाच्या दारार पावलो आनी जमनीक खिळायिल्ले वरी थंयच उबो रावलो. दार आडावन देसाई बाई उबी आशिल्ली. भितर सरतलो जाल्यार तिका कुशीक काडचें पडटलें, तिच्या आंगार हात घालचो पडटलो. ती तयारी कोणाचकडे नाशिल्ली. दत्तूच्या बापायचो धेक आशिल्लो गावांत.ताचेकडेन आर्म आसा आनी वेळ पडल्यार तो तें जोखून फारूय मारता हें गावांक खबर आशिल्लो. ते भायर सुर्याचो बापूय आनी भाव दत्तूच्याच शेतांत वावुरताले. देसाई बाईक पळोवन ते फाटीं सरले. थंय रावन मास्तराक भायर येतकच कितें तें दाखयतां म्हूण धमकी दिवपाक लागले.

तशी बाई दार सोडून मुखार आयली. फाटोफाट भुरगीं येवपाक लागलीं. ती आपले फाटोफाट येतात म्हणपाची जाणविकाय जातकच बाई वळ्ळी आनी तिणें हात करून भुरग्यांक थंयच रावपाक सांगलें. भुरगीं रावलीं. पूण म्हज्यान रावंक जालें ना. तांचे मदल्या कोणेंय बाईक कितेंय केलें जाल्यार? भंयान हांव मुखार वचतूच रावलें. बाईन म्हजेकडेन पळयलें आनी म्हजो हात हातांत घेवन ती तशीच मुखार गेली.

'कितें जालें सुर्याक?'तिणें वेगळ्याच विशयाक हात घालो. सुर्याच्या

घरच्यांचो नेट आनीक निवळ्ळो. 'ना. तशें कांयच जावंक ना. घरा येवन ओकलो. पूण तें वताक लागोन आसतलें. पिंत चाळवता न्हू? आनी फाटीर हे अशे वळ काडल्यात त्या मास्तरान.जुत्यान म्हूण ल्हान भुरग्याक मारतात?'सुर्याच्या बापायन सांगून उडयलें.

'हें पळयात, शाण्यांत खंय उतरांचो मार.तुमी हांगा आयले आनी गुरुजी दारा फाटल्यान लिपून बसले हातुंतूच तुमकां जाय तें जालें. आतां चड ताणूंक नाकात. सरकारी मनशाचेर हात घालो म्हूण कादयेंत पडटले. हाता वयल्या पोटाचो लोक तुमी. इल्ल्याश्या कारणांक लागून कित्याक त्रासांत पडटात. गुरुजींक जावपाची ती लज जाली. बुद्द शिकले ते. आतां वचात घरा.'बाईन तांका समजायलें. तिचेमुखार चड उलोवपाक ते धजले नात. तेय परिस्थितींत सुर्याच्या एका भावान मास्तराक हात करून 'धाडायतांच'अशें सुचयलें. ते बराबर सुर्याच्या बापायन ताका दपटायलो. 'तुमी मदीं पडल्यात म्हूण तो वाटावलो. नातर तेका आयज आडवोच घालतलों आसलों'अशें बाईक सांगून ती फौज आयिल्ले वाटेन परतली.

हरशीं शांत आसपी बाईचें एक वेगळेंच दर्शन म्हाका त्या दिसा घडलें. मनांत हांवें खंय तरी थारायलें, खूब शिकप आनी बाईच जावप. बाईच्या व्यक्तीमत्वाचीं कितलीं तरीं तासां आमकां पळोवंक मेळटालीं. ती मायेस्त आशिल्ली, तशीच वेळाप्रसंगाक कठोरूय जाताली. भालचंद्र हो दादा भटाचो चलो. एकलोच चलो म्हूण लाडावन दवरिल्लो. पिशवी घेवन तो शाळेंत येतालो खरो, पुण शाळेंत ताचें लक्षूच नासतालें. पिशवेंतल्यान केळीं हाडून हेर भुरग्यांक वाटप आनी तांचेकडल्यान आपलो अभ्यास काडून घेवप हें ताचें दिसपट्टें काम. बाईन कितेंय विचारल्यार तसोच मोन्यानी उबो रावतालो. जाप मात दिनासलो. बापूय गावांत भटपण करतालो. तातूंतल्यान मेळटात ते पयशे हाडून घरांत आशिल्ल्या एका कत्रेलांत दवरतालो. केन्नातरी भालचंद्राची नदर त्या पयशांचेर पडली. सुरवातीक तो थंयची नाणीं उखलपाक लागलो. तीं पसऱ्यार दिवप आनी लाडू - खटखटें वा पिपरमिटां घेवप. आपणें खावप आनी भुरग्यांकूय वांटप. ताचो सदळ हात पलोवन सकाळचे

शाळेंत येवपी भुरगेय आतां सांजेवेळार आमचे मदले सुटये मजगतीं येवपाक लागले. तांचेमदल्या एकल्यान ताका पाणूच्या हॉटेलार भजींय बरीं मेळटात म्हूण सुचयलें. जालें, भालचंद्राक भज्यांचे वेसन लागलें. मदले सुटयेक तो पांच पांच रुपयांची भजीं घेतालो आनी तो पुडो घेवन शाळेफाटल्यान आशिल्ल्या आंबुलेचेर चडून बसतालो. शाळा सोंपसर तीं भजीं ताणें खावप. झाडार चडून खाता म्हूण ताका भुरग्यांनी चानो नांव दवरलें. चानयेचो घोव चानो म्हूण तिडावंक लागलीं.

चान्याचे प्रताप एक दीस बाईमेरेन पावले.तिणें पाळत दवरली आनी चान्याक आंबुलेचेर चडून भजीं खातना ज्युस्त धरलो. हातांत पेरीचें शिड्डूक घेतिल्ली बाई सकयल उबी रावन चान्याक सकयल येवपाक खुणावपाक लागली आनी तिच्या भंयान तशेंच लजेन तो आनीकूय वयर चडपाक लागलो. निमाणो थंयच आशिल्ल्या सुर्याक 'भालचंद्र खाली आला की घेऊन ये माझ्याकडे.'अशें सांगून बाई थंय सावन गेली. फाटोफाट सुर्या वयर चडलो आनी भालचंद्र बशिल्ली खांदी हालोवपाक लागलो. ते बराबर भयान गुळी जाल्लो भालचंद्र सकयल देंवलो. भुरग्यांनी ताका होर गया करीत बाईच्या मुखार हाडून उबो केलो. भंयान तो थरथरतालो. मात बाईक ताची काकुळट दिसली ना. कितें तरी थारावन ती उठली. भालचंद्राच्या बोचकुलाक घट्ट धरून तिणें सुर्याक आनी ताच्या सांगाताक आशिल्ल्या वयल्या यत्तेंतल्या कांय भुरग्यांक खूण केली आनी भायर सरली. मुखार भालचंद्राचो हात धरिल्ली बाई आनी तिचे फाटोफाट पांच सं पोरां शी ती मिरवणूक दादा भटागेर पावली. दादा भट दनपारची न्हीद सोपोवन सोंप्यार बसिल्लो. ताच्या कानार बाईन घडिल्लो प्रसंग घालो आनी भालचंद्र फाटले कितलेशेच म्हयने पयशे चोरता म्हणपाचें सांगलें. ते बराबर दाद भटाचो तोल सुटलो. कोनशाक उबी आशिल्ले सारनीच्या मुगड्यानूच तो पुताक मारपाक धांवलो. तशी बाई मदीं पडली. मारलो म्हूण भुरगो सुदारचोना, ताचेर नदर दवरात आनी पयशे ताचेकडेन कशेच दिवं नाकात अशें दादा भटाक समजावन सांगून ताचो राग न्हिवोवन ती परतली. सांगाताक गेल्ल्या सुर्यान मागीर तिडकीन चवताळिल्ल्या दादा भटाची आनी भंयान कांपतल्या भालचंद्रची नक्कल

पुराय शाळेक करून दाखयली आनी ती खबर गांवभर जाली. त्या दिसा सावन बालचंद्राची वागणूक मात बरीच सुदारली.

बाईविशींचो म्हजो आदर आनीक वाडलो.

प्रकरण – १२

सुकण्यांची पाखां लावन दीस मुखार वताले. हांव चवथी पास जालें. पांचवेंत पावलें. एक दीस शाळेंत वतनाच आंग तापिल्ल्याची जाणविकाय जाली. पूण गेलें तशेंच शाळेंत. घरा रावपाकूय वाजूच येतालो. मदले सुटयेंत मात आंगपांग फोडटा कशें दिसलें. उठपाकूय जायना जालें. चित्राक म्हजी परिस्थिती कळ्ळी. ताणें वचून हलगेकर गुरुजींक सांगलें. ते वर्गांत आयले. म्हजे तकलेर तांणी हात दवरलो आनी दुसऱ्याच खिणाक काडलो. 'अग, ही तर तापाने फणफणतेय.'असें म्हणत तांणी चित्रासयत आनीक तीनचार चलयांक म्हाका घराकडेन पावोवपाक सांगलें. घरा येता म्हणसर म्हजो तोलूच वता कशें दिसपाक लागलें. आंगणांत पावलें आनी हांवें थंयच बसकण मारली. दोळ्यां सामकार काळोक पातळ्ळो.

दाळे उगडले तेन्ना हांव हातरुणार आशिल्लें. आंगपांग पुराय दुखतालें. पोटांत खोल फोंणकुल पडलां आनी म्हजें सगळें अस्तित्वूच तें गिळून उडयता कशें दिसतालें. पोटांतल्यो सगळ्यो आंतकड्यो भायर काडच्यो आनी नीट पिळून घेवच्यो अशेंच दिसतालें. कितें जाता तेंच कळनाशिल्लें.

म्हाका जाग आयल्या तें पळोवन आजी धांवत आयली. 'आयलें आं तें शुध्दीर.'तिणें भायर पळयत कोणाक तरीं सांगलें. म्हाका दिसलें मामाच आसतलो. पूण दुसऱ्याच खिणाक देसाई बाई भितर आयिल्ली

पळोवन म्हाका कितें करप तेंच सुचलें ना. बाई आनी हांगा?

'तीन दीस जाले, तुजी बाई सांज सकाळ हांगाच आसा. शाळेंत लेगीत वचूंक ना ती. तुज्याच उशाकडेन बसून कपलार घडयो घालताली मातये बुडकुल्यांतल्यान थंड उदकाच्यो.' आजयेन सांगलें. तीन दीस हांव शुद्धीर नाशिल्लें हाचे परस ते तीन दीस म्हजे खातीर म्हजी बाई आमगेर येवन बशिल्ली हाचेंच अप्रुप दिसलें. तशेंच उठचें आनी तिच्या गळ्याक वेंगायत खूप खूप रडून घेवचें अशेंय दिसपाक लागलें. हून हून दुकां म्हज्या पोल्यावयल्यान व्हांवपाक लागलीं. बाईन तें पळयलें आनी मुखार येवन पदरान तिणें म्हजीं दुकां पुसलीं. यादीचे पलतडी गेल्ली म्हजी आई परतून आयल्या असो भास त्या पदराचो कुरकुरीत स्पर्श म्हाका करून दितालो.

म्हाका खंय टायफॉयड जाल्लो. त्याच सांजे मामान म्हाका हुलूच्या आदारान बैलगाडयेंत घालून तारीर व्हेल्लें. थंय सावन कोणाच्या तरी ट्रकान घालून फोंड्या गेल्ली. मामाचे वळखीचो दोतोर थंय आशिल्लो. ताणें म्हाका टायफॉयड जाला म्हूण सांगले. इनेसांव केलें आनी कांय गुळयोय बरोवन दिल्यो. बेशुध्द अवस्थेंतूच दुसरे दीस म्हाका घेवन मामा परतलो. गावांत येतकच म्हजी खबर सगळ्यांक फापसली. बाईचेय कानार पडली. ती तशीच आमगेर आयली. तीन दीस ती म्हज्या उशाकडेन बसून आशिल्ली. आजी नाका नाका म्हणटाआसतना म्हजी कुयदाद घेताली.

बाईचो आग्रो जालो आनी हांव हातरुणांतल्यान उठलें हुनहुनीत उदकान तोंड धुलें आनी आजयेन मुखार दवरिल्लो निवोळ पियेलें. म्हज्या हातांक तें गुळमाचें वजें पेलनाशिल्लें. ते बराबर बाईन येवन गुळम म्हज्या तोंडाक लायलें. पेजेचो निवळ पितना म्हजी नदर अशीच बाईचे नदरेक भिडली. तिच्या दोळ्यांच्यो पातकड्यो ओल्यो जाल्यात कशें दिसलें म्हाका. दुसऱ्याच खिणाक बाईन नदर घुंवडायली. निवोळ पियेवन हांव परतें लवंडपाक गेलें जाल्यार तिणें म्हाका आडायलें. 'आतां कांय वेळ मातशें बसुनूच राव. ना जाल्यार ओंकारी येतली' अशें सांगून ती म्हजे फाटीर हात भोंवडायत रावली. तिच्या स्पर्शान म्हज्या दोळ्यांचेर परतून

न्हीद नाचपाक लागली.

जाग आयली तेन्ना जिवाक बरें दिसपाक लागिल्लें. हांवें भोंवतणी नदर घुंवडायली. बाई खंयच दिसली ना. आजयेक उलो घालो. ती येतकच हांवें बाईची चवकशी केली. 'तुका न्हीद लागनाफुडें गेली ती घरा. आगो, तिका आपलो प्रपंच आसा. कितलो वेळ म्हूण रावतली तुज्या सांगातान? आनी तूं न्हिदिल्लें तेन्नाय अशीच बसून रावली ना. म्हाका तीन पोलके दिले बेतून. नाका नाका म्हणटना एक शिवुनूय दिलो. म्हाकाच मुरवत दिसपाक लागली मागीर.'आजी सांगताली. बाई गेल्ल्याचें तिकाय आवडूंक नाशिल्लेंशें दिसता.

बाईविशीं चिंतना म्हजें मन अकस्मात हळवेंशे जालें. कोण खंयची बायल. गावांत येता कितें आनी म्हजी जाता कितें. आवयची माया तशी म्हाका जाणवूंक नाशिल्ली. पिरायेच्या पाचव्या वर्सामेरेन हांवें ती माय गृहितूच धरिल्ली. आता आई नासतना ते मायेचें मोल उतरा पावलाक जाणवतालें. बाईच्या रुपान तीच माया म्हजे भेटेक आयिल्ली.

चिंता आसतना म्हाका दिसलें, म्हज्या आईच्याच हातांची उब बाईच्या हातांतल्यान म्हजे कुडींत देवली आनी तिणेंच म्हाका म्हज्या जोरांतल्यान भायर काडलें.

तृप्ततायेची सया आंगभर घेत हांवें पांगरूण तकलेचेर ओडून घेतलें. आतां म्हाका स्वताकडेनूच कांय गजाली उलोवपाक जाय आशिल्ल्यो.

प्रकरण – १३

'मयुरी, हुलू आयला, तुका व्हरपाक आयलां.'भुरग्यांचो कलकल कानार पडलो आनी हांवें भायर नदर मारली. दारार हुलू उबो आशिल्लो. तोंडाच्या बोळक्यांत उरिल्ले तीन दांत दाखयत हांसतालो.

सांज जाल्ली.आतां शाळा सकाळची आसताली तरी गणिताचो वेगळो 'तास'हलगेकर गुरुजी आमचेखातीर सांजेवेळार घेताले. तांणीं दिल्लीं गणितां सोडोवपांत हांव गुल्ल जाल्लें. हुलू आयला तें हेर भुरग्यांनी सांगलें तेन्नाच कळ्ळें. उठलें आनी हुलूकडेन गेलें. 'कितें रे? कितें जालां?

'तुका आजयेन आपयलां.'

म्हाका आपयलां, अशें केन्नाच जावंक नाशिल्लें. कित्याक आपयलां काय म्हाका? मामा सकाळींच उठून मडगावां काम आसा म्हूण गेल्लो. ताका येवपाक अजून कळाव आशिल्लो.

'हांव येता मरे आनीक वरा भरान, शाळा सुट्टकच येतां.'हांवें जाप दिली.

'ना. तुका आसा तशें यो म्हूण सांगला तिणें. कोण तरी येयला तुमगेर.'

'येयला? कोण रे?'

'हांव वळखाना तेका, तूं वळखाता जाल्यार पय.'मुमुरखेंच हांसत हुलून जाप दिली. गुरूजीक सांगून हांवें दप्तर फाटीर मारलें आनी ताचे बरोबर चलपाक लागलें. वाटेर एक दोनदां ताका विचारून पळयलें. पूण

'हांव वळखाना गो तेका. परत परत तेंच कितें विचारता?' अशें म्हणून ताणें म्हाका ओग्गी केलें. पांयवाट सोपोवन आमी कुळागरांत पावली घाले तेन्ना सुर्याचीं किरणां बरींच पालशीं जाल्लीं. तो निरोपाचे तयारेंत आशिल्लो.किरणांची हळदुवी सया आतां तांबशी जाल्ली. तांची हुनसाण सोपिल्ली. या भांगराळ्या वतांत माडयांचेशेंडे तिकतिकताले. हरशीं असलें दृश्य पळयत कांय खीण थंय रावपाक म्हाका आवडटलें आशिल्लें, पूण आतांची गजाल वेगळी आशिल्ली.

कुळागरातल्यानूच हांवें आंगणांत नदर मारली. थंय गोठलिणीकडेन एक मनीस उबो आशिल्लो. आंगार भगवें वस्त्र रेवडायिल्लें. गोठलिणीचेर आयिल्लो भार तोखेतालो सो दिसता. म्हजे वटेन ताची डावी कूस आशिल्ल्यान तो कोण तें कळनाशिल्लें.

तशेंच मुकार गेलें हांव.आमची सुलूस लागनाफुडें ताणें आमचेवटेन तोंड घुंवडायलें आनी तें मुखामळ पळोवन म्हजे पांय जमनीर दशिल्लेवरी घट्ट जाले.

बाबा

हय, बाबाच. ताची ती नदर पळयनाफुडेंच तो म्हजो बाबाच म्हूण खात्री पटली. तोंडार दाढी - मिशयांचें गल्ल जाल्लें आसलें तरी ते नदरेंतलें तें आगळें तेज लिपनाशिल्लें. स वर्सा काळजाच्या कुरकुटांत सांबाळून दवरिल्लें हांवें ते नदरेक आनीक पंदरा वर्सांनी जरी दिशिल्ली, तरीं विसरचें नाशिल्लें.

दोनूय हात मुकार करून बाबा फुडें आयलो आनी जमनीक दशिल्ले म्हजे पांय सुटले.खांद्याक लायिल्लें दप्त गळून सकयल पडलें. बाणकशें धांवत हांव बाबाचे वेंगेंत रिगलें. ताचे आनी म्हजे मदल्यान वारोय वचचो ना अशे तरेन ताका घट्ट वेंग मारली. म्हज्या दोळ्यांक दुकांच्यो धारो लागिल्ल्यो. माथ्यार पडपी हून हून दुकां ताचीय तीच अवस्था जाल्या म्हूण सांगतालीं. तोंडांतल्यान उतर फुटनाशिल्लें म्हज्या. मुक्यानूच हांव ताका कितें तर विचारतालें आनी तोय जाप दितालो. एकामेकाचे वेंगेतल्या आमच्या ह्या संवादांत खंड पडलो तो आजयेच्या आवाजान.

'आं, रक्ताक रक्तान वळखलें दिसता' दाराच्या आडसाक रावन ती

उलयली. ते बराबर बाबान म्हाका मातशें पयस केलें आनी दोनूय हातांनी म्हज्या भुजांक घट्ट धरून तो म्हाका तेळपाक लागलो. ताचे ओठ थरथरताले. 'वेणूच. ज्युस्त वेणू. तेच दोळे, तेच नाक आनी तेच ओठ.'ताच्या तोंडातल्यान अळंग उतरां भायर आयलीं.

'आवयचेच रुप घेवन आयलां तें. आवयचें भाग्य मात नासल्यार पुरो.'आजयेन भितरल्यानूच म्हणलें आनी आमी भानार आयलीं. सकयल पडिल्लें दप्तर घेवन हांव घरांत गेलें. मन लावन हात पांय धुले आनी देवान्यासरीं आयलें. लामणदिव्याच्या शांत भांगराळ्या उजवाडांत देवारो न्हांवन गेल्लो. देवाकडेन वतना हात जोडटात हें जाणां आशिल्लें हांव. पूण कितेंय मागप आनी मेळ्ळें जाल्यार देवाचे उपकार मानप मात केन्नाच सुचूंक नाशिल्लें. आता मात हात जोडटना हांवें देवाचे उपकार मानले. ताणें म्हजो बाबा म्हाका अचकीत हाडून परत दिलो.

हात पांय धुवन निरांजन पेटयलें आनी तें घेवन भायर आयलें. तुळशीमुखार निरांजन दवरलें आनी चारूय दिशांक नमस्कार केलो. त्या काळखाच्या पड्ड्याआड आशिल्ली म्हजी आई मुमुरखी हांसत म्हाका आशिर्वाद दिता म्हणपाचो भास जालो. बाबा थंयच व्होल्तेरांत विसाविल्लो. ताका वचून पायां पडलें. मागीर ताचे कुशिकूच जमनीर बसकण मारली. दप्तरांतलीं पुस्तकां काडून ताका दाखयलीं. बाबान म्हज्यो चोपड्यो बारीकसाणीन नियाळ्ळ्यो, म्हज्या अक्षराची तोखणाय केली. तिनसांज आतां चोरपावलांनी चारूय वटांनी कुळागरांत देवपाक लागिल्ली. रातकिड्यांचें संथ लयेंतलें नमन सुरू जाल्लें. घरा परतुपी बक्यांच्या पाखांचो नाद सकयलूय आयकूंक येतालो. एके खुशालभरीत सांजेच्या गोपांत आमी दोगांय विसाविल्ली.

कुळगरांतल्यान खांकिल्ल्याचो आवाज आयलो आनी हांव सादूर जालें. मामाची जाग अशीच मेळटाली. 'मामा आयलो'अशें म्हणत हांवें कुळागरांत धांव घेतली. आपलेच तंद्रेत मामा येतालो.

'आमगेर कोण आयला तें सांग'अशे म्हणत हांवें ताच्या हातांतली पिशवी म्हज्या हातांत घेतली.

'कोण आयला? तुजी मावशी आसतली.'ताणें आंगणांत पळयत

जाप दिली.

'नाच्च जाल्यार. दुसरोच कोण तरी आयला. पळय वचून तूंच.' अशें म्हणत हांव ताच्या पाटल्यान सरलें. मामा तसोच मुखार गेलो. ताका पळोवन बाबा व्होल्तेरांतल्यान उठलो आनी आंगणाच्या सोंपणामेरेन आयलो. आतां आमकां ताचो चेरो दिसानाशिल्लो. तुळशीमुकार पेट्टल्या निरांजनाच्या शांत उजवाडांत ताचो आंगलोट तितलो दिसतालो.

सोंपणा चडून मामा बाबाकडेन पावलो. पयलेच नदरेंत ताणें बाबाक वळखलो. 'तुमी? केन्ना आयले?' अजाप आनी खोशयेन ताणें विचारलें. 'तीनसांज देंवतनाच पावलो.' बाबान जाप दिली. मामा मागीर भितर गेलो. कपडे बदलून ताणें हातपांय धुले आनी आजयेकडेन

वचून जेवणाचो कितें बेत आसा म्हूण चवकशी केली. आजयेच्या उतरान समाधानी जावन हातांत च्यायेचो पेलो घेवन तो परत आंगणांत आयलो. आतां मळबांत चान्ने लिकलिकपाक लागिल्लें. पडवे वयलें कदेल घेवन मामा बाबा मुखार बसलो. बरोच वेळ मामाच्या च्या पिवपाचो आवाज तितलोच येतालो. दोगांयनी कितें तरी उलोवचें म्हूण हांव कानांत प्राण एकवटावन वाट पळयतालें.

'खंय आशिल्ले इतलो तेप, स वर्सां जातलीं, न्हय' मामानूच मौनाक वाचा फोडली.

'हय. स वर्सां. अस्वस्थ मन आनी घावे पडिल्लें काळीज घेवन खूप भोवलों. पयलीं हिमालयांत गेलो. गंगोत्री पळयली. थंय सावन तीन वरांच्या अंतराचेर निश्चलानंद स्वामींचो आश्रम आसा. थंय वचून स म्हयने सुमार रावलों. पूण थंयची थंडी पेलना जाली. मागीर ऋषीकेशाक आयलो. थंय स्वामिजींच्या एका शिश्यान कुष्ठरोग्यांखातीर उद्यमशाळा सुरू केल्ली. ताकाय आदाराक मनीस जाय आसलो. ध्यानधारणा करीत तें काम करपाचें. जमता जाल्यार पळोवया म्हूण सुरवात केली आनी थंयच दसून उरलों. ते सेवे सारखें समाधान ना.' बाबान एका दमांत सांगून उडयलें. मन मेकळें केल्लेवरीं.

'आनी, पोराची याद लेगीत आयली ना?' आजयेन दारा आडच्यान प्रश्न केलो.

'ना कशी? ती याद सतायताली म्हूण तर आयलों न्हय? पूण सुरवातीक मन खाताले, दिसताले, वेणू म्हज्या संवसारांत आयले आनी त्रासांत पडले. ताका अल्पायुशी करपाक कारण म्हजीच सांगात अशें दिसतालें आनी आत्मघाताचे विचार येताले तकलेंत. पूण पोराची याद येवन ते विचार पयसावताले. उद्यामशाळेचो व्याप जाग्यार घालपाचेंय आव्हान आशिल्लें. आतां तो जाग्यार पडला. देखून फुरसत सोदून आयलों.'बाबान आजयेचे दिशेन पळयत जाप दिली.

परत किण्ण शांतताय पातळ्ळी. तिचो भंग केलो मामानूच. 'चरवणां गेल्ले काय ना?'ताणें बाबाक विचारलें.

'ना. तशी इत्साच जाली ना. म्हजें मयुरी हांगाच आसतलें म्हणपाचें मन सांगतालें. थंयचो सुवार्थ ताका थंय रावपाक दिवचो ना हेंय जाणा आशिल्लो हांव. आनी वेणूचे निमणे दीस पळयिल्ल्या त्या जाग्याचें दर्शन परत घेवपाची म्हजी इत्सा ना. देखून हांगाच पयलीं आयलों.'

'आतां मात खंयच वचपाचे ना. चली वयात येवपाक लागली. अश्या वेळार ताका बापायची सावळी लागता.'आजयेन सांगेलं. हांवे बाबाच्या तोंडाकडेन पळयलें. तो मळबांत पळयतालो. तशेच अवस्थेंत ताणें जाप दिली. 'पळोवया, परमेश्वर कितें बुद्द दिता ती.'

'परमेश्वर बुद्द दिना. ती आपणेंच ओडून हाडपाची आसता.'आजयेचो आवाज कांपरो जाल्लो.

'वाडटा मगे आमकां? चल, तयारी कर. नीरपणसाचीं कापां तळटा म्हणटाली मगे जांवयां खातीर'मामा विशयांतर केलें आनी आजी भितर गेली. परत शांतताय पातळ्ळी.

'मयुरी पयलो नंबर सोडीना आं.'मामान म्हजेकडेन पळयत बाबाक सांगलें. 'कृपा ताची.'बाबान परत मळबाकडेन पळयत हात जोडले. 'आनी अभिनय तर ताण करता. वकृत्व सर्तींत सेगीत तीन फावटीं गोंयांत पयलें आयलां. सांगलें काय ना गो बाबाक?'मामान म्हाका विचारलें. हावें न्हयकारार्थी मान हालयली.

'आनी तुमचे धुवेक खंय बाई जावपाचें आसा. दोतोर, आदोगाद न्हय.'

'हें मात सारकें. आयच्या खिणाक आमच्या समाजाक बरे शिक्षकूच जाय. हाडाचे शिक्षक. आयतें स्वातंत्र्य मेळिल्ली आयची पिळगी रेवेंत मुंगरची तशी मुंगरत चल्ल्या वेसनांमदीं. तिका जाग्यार हाडपाक निजाच्या शिक्षकांची गरज आसा देशाक.'बाबान म्हणलें. हांवें थारायिल्ली दिशा योग्य आसा आनी म्हज्या बाबाक ती मानवल्या हाचें समाधान जालें.

'पुस्तकां बी वाचता काय ना गो? हीच पिराय वाचपाची. आनी कसलेंच वेसन नाका तुका, पूण पुस्तकांचें लावन घे.'बाबान सांगलें.

'तेंय आयलां ताका वेणूचें, रातचें उशाकडेन पेत्रोलाचो दिवो दवरून बारा आनी एक जायसर वाचतां. मागीर म्हाका ना जाल्यार आजयेक आड्डुचें पडटा. पंचायतींतल्या वाचनालयांतलें एक लेगीत पुस्तक दवरूंक ना वाचपाचें.'

मामानूच परस्पर जाप दिली. बाबान खोशयेन मान हालयली.

'मयुरी तुजें ते गिता सार हाड मगो. अठरावो अध्याय वाचून दाखय बाबाक.'मामान म्हाका सुचयलें आनी हांव सडसडीत उठलें. चवथेंत पयलो नंबर घेतकच म्हाका बक्षीस म्हूण अनगोळकर गुरुजीन दिल्लें ते पुस्तक. कोणें तरी गितेचो केल्लो मराठी अणकार. देवाऱ्याकडेन वचून तें पुस्तक घेतलें. कुशीक आशिल्लें बाकीनूय घेतलें आनी बाबामुखार दवरलें. मागीर भितर वचून पेत्रोलाचो दिवो हाडलो. पुस्तकाक पायां पडलें आनी अठराव्या अध्यायाचें पान उगडलें.

सदांच्याच वाचनातलीं तीं उतरां आतां नवे उमेदीन म्हजे भेटीक आयलीं. 'देखानी आप्तमंडळी सारी, विचलित होई तो धनुर्धारी, म्हणे केशवा मुरारी, मज नको हा क्षात्रधर्म. जर मी बंधूंस वधावे, तातांसम जाणत्यांस मारावे, तर मज कसे लाभावे, स्थान सांग पुण्यात्म्यांत.'

रातीच्या निर्मळ वातावरणांत तो अध्याय वाचतना म्हज्या मुखार अर्जून आनी ताका समजावपी कृष्ण उबे रावले. आजयेची जेवणाची तयारी जायसर हांवें तो अध्याय वाचून पुराय केलो.

दुसरे दीस आयतार आशिल्लो. शाळा ना. सकाळींच जाग आयली आनी बाबाची याद जावन हांव सडसडीत उठलें. बाबा खंयच दिसनाशिल्लो. आजयेक विचारलें. तिणें तळयेकडेन बोट दाखयलें. तशींच धांव मारली

तळयेर. पळयत जाल्यार तळयेचे मदीं उदकांत उबो रावन बाबा उदेंतें कडेन तोंड करून सुर्याक अर्घ्य दितालो. ताच्या सुर्यसुक्तान आसमंत पुराय भरून गेल्लो. ताची ती रांपिल्ली पूण निजाची गोरी आनी ओली कूड सकाळच्या कवळ्या किरणांत लिंकलिकताली. पोटाचेर ताची दाढी दसून राविल्ली. दोळे अर्दवट धांपून तो सुर्याक एकटक नियाळटालो.

आपलें देवस्पण सोंपोवन ताणें म्हजेकडेन पळयलें आनी तो गोड हांसलो. 'तोंड बी धुलें मगो?'ताणें म्हाका विचारलें. हावें ना म्हूण मान हालयली आनी धांवत घरांत गेलें. सगळें आटपून परत येता म्हणसर बाबा दुसरें धवेफुल्ल पुडेवे न्हेसून आजयेन दिल्ले च्यायेचे घोट घेत व्होल्तेरांत विसाविल्लो. 'आयज पाडेली येतले, आफ्रामेंतांतले माड पाडपाक. आमी दोगांय या?'हांवे ताका विचारलें.

'या, पूण तुज्या मामाक चलतलें मुगो?'गोरवांक दोंगरार सोडून परतल्ल्या ममामाकडेन पळयत बाबान विचारलें.

'बरेंच जालें तुमी वतात जाल्यार. हांव हुलूक घेवन सकयलो आडो घट करतां. धुकरां घुसपाक लागल्यांत थंयच्यान.'मामान जाप दिली. हांव खूश जालें. बाबाक एक खीण लेगीत नदरेआड करपाची म्हजी इत्सा नाशिल्ली. स वर्सांत ताणें कितें कितें केलें तें सगळें विचारून घेवपाचें आशिल्लें. आनी म्हजे आईच्यो खबरोय आयकुपाच्यो आशिल्ल्यो.

मानायांची जाग मेळ्ळी तशीं आमी आफ्रामेंतांत देंवली. आमकां पळयतकच बशिल्ले मानाय उठले. दोगूय जाण दोन माडांचेर चडपाक लागले. तांची ती काटक हालचाल पळयतूच रावचीकशी. जमनीचेर चलचें तितले सहजतायेन ते वयर वयर वताले. आतां तांच्या वजनान माड मातसे धोलपाक लागिल्लें.

'तुका येता काय ना माडार चडपाक?'बाबान म्हाका विचारलें. सकयले मानेन हांवें ना म्हूण सांगलें. 'आवय. माडार चडपाक येना? मागीर कसलें गोंयकार तर तूं?'ताणें विचारलें.

'चलयो म्हूण माडार चडटात?'हांवें नेटान ताकाच प्रश्न केलो.

'माडार? आगो चलयो ताचे परस उंचायेर वचपाक लागल्यात. फाटीं दादलो मनीस चंद्रार वचून आयलो तें जाणा मुगो तूं? आता

चलयेक धाडटले खंय ते. आनी माडार चडप ही एक कला. तुवें तीय शिकून घेवपाक जाय. कलेक दादलो – बायल असो भेद लागना.'बाबान म्हज्या केसांत हात भोंवडीत जाप दिली.

वयल्यान धड धड नाल्ल पडपाक लागले. सकयल आशिल्लो तिसरो मानाय ते एकठांय करपाक लागलो.

'तूं आशिल्लो थंयच्यो खबरी सांग न्हय म्हाका.'हांवें बाबाचो हात हातांत घेत म्हणलें.

'सांगता केन्ना तरी. पूण खरें सांगू तुका मयुरी, त्यो गजाली आतां नाकाच कश्यो दिसतात. एक पान परतून उडोवपाक म्हूण हांव गेल्लो गो ते दिशेन. वाऱ्यार हुबून वतल्या पानावरी मुखार आनी मुखार वचत रावलो. एक दीस त्याच पानावरी खंयच्यातरी उज्यांत स्वताक स्वाःहा करून उडोवचें असेंच थारायिल्लें. पूण रात जाताली आनी तुजी आई सांगाताक येताली. चलयेचेर लक्ष आसा न्हय म्हूण म्हाका विचारताली. तशींच काडलीं स वर्सां. ऋशीकेशाक सगळें थाऱ्यार पडलें आनी स्वामीक सांगून हांगाची वाट धरली. नवी सुरवात करपाची आसा आतां. ती करतना फाटल्यो त्यो काळजाक पीळ घालपी यादी नाका बरोबर, आतां फुडाराचीच दिशा पळोवपाची.'बाबा अर्दो आपलेकडेन आनी अर्दो म्हजे कडेन असो उलयलो. ताका तसलें कांयच हाचे फुडें विचारपाचे ना अशें हांवें थारायलें.

दनपार जाता म्हणसर हांव थंय हेतिश्ट भोवलें.कसली कसलीं पानां एकठांय केलीं. पडिल्ले बोंडे घेवन तांची बर्की केलीं आनी बाबाचे कुशीक दवरून ताका राखपाचें काम तांचेर सोपयलें. मानायान उडयिल्ल्या आडसरांतलें उदक आमी दोगांय त्या आडसराक तोंड लावन पिलीं. आडसरातली कातली बाबान म्हाका स्वताच काडून दिली. कोयतुलान ती वळ्यांतली कातली कोरांतून पुरायेन काडिल्ली पळोवन त्या मानायानूय तोखणायेन मान हालयली.

दनपार जाली आनी मानाय हातपांय धुंवपाक तळयेकडेन गेले. आमीं घरांत आयलीं. आजयेन केल्ले बांगड्याची उडुमेथयेचो वास घरांत घमघमतालो. हांव रांदचे कुडींत गेलें. थंय आतां तीन पाट मांडिल्ले. बाबा

आनी मामाच्या पाटकुशीक उदकाचो तांबयो आनी ताचेर पालसो पेलो दवरिल्लो. रांदनीवेल्या तव्याचेर सुंगटां तळटालीं. कुशीच्या जनेलाचेर ताकान भरिल्लो तांबयो दवरिल्लो. असे तरेचो सरंजाम हांवें केन्नाच पळोवंक नाशिल्लो. आजयेची चालूय आतां बदलिल्ले वरी दिसली म्हाका. विचारले बगर रावं नजो जालें. 'बाबा खातीर हे सगळे.'

'पुरो आं. कितेंय उलोवं नाका.' तिणें म्हजेर धेंगसो घालो. पूण त्या धेंगश्यांत तसो नेट नाशिल्लो.

बाबा पोटभर जेवलो. मामा ताका आग्रो करून करून पानांत घेवपाक लायतालो. जेवन बाबा लवंडलो आनी हांव अभ्यासाक बसलें.

तीन-साडेतीनांक बाबा उठलो. आजयेन दिल्ली च्या ताणें मामाच्या सांगातान गेतली.

'एक दीस रावन परत वतलों अशें स्वताकूच सांगत आयिल्लो. पूण आतां पांय उखलनात.मयुरीच्या रुपान वेणूच परत मेळ्ळां म्हाका. ताका आतां सोडून वचप म्हळ्यार स्वताकडेन आनी वेणूचे यादीकडेन प्रतारणा जातली.' ताणें मामाकडेन पळयत म्हणलें.

'आनी वचपाक तरी कोण दिता तुमकां? खंयच वचपाचें बिचपाचें ना. रावात हांगाच. हो व्याप म्हाका एकल्याक पेलवना. आतां पुलूय जाला, गांव पयलेवरी आडवाटेचो उरुंक ना. मोटार सायकल आसल्यार वरा भितर पावता फोंड्यां. तुमच्या असल्याक शारांत खोटल्यानी शिर्विसो मेळटल्यो.' मामान ताका सांगले.

'ना, म्हजी कालेत शिर्विसीची न्हय. म्हाका सेता भाटांत राबपाचें आसा. तोच धर्म आमचे जातीचो. येतना गावांतलीं कितलिशींच शेतां पडंग दिसलीं. तीं कसपाक मेळचीं नात म्हाका? तांच्या मालकांकडेन कबलात करपाची वर्सुकी आनी कसपाची.'

'आंवय. तें काम तर सामके सोपें. म्हाका कोणूच ना म्हणपाचो ना.' मामाक आतां बाबा खंयच वचचोना म्हणपाची खात्री पटली.

'तशें जाल्यार हांव फाल्यांच वतां ऋशीकेशाक आनी स्वामींक सांगून येतां. परत येतलों म्हूण सांगिल्लें तांका. फट मारली म्हूण समज जातलो तांचो.' 'आनी त्या स्वाम्यान वचूंक नाका म्हूण आग्रो धरलो

जाल्यार? ते परस वतना मनोहराकूच घेवन वचात सांगाताक. ताकाय पलोवनी ऋशीकेश.'आजयेन तोंड घालें.

बाबा हांसलो. आजयेचो अविश्वास ताका कळ्ळो. इतल्यान मामाच उलयलो, 'पुरो गे आई. येतले ते मयुरीक पळयलां तांणी. आतां रावपाक जावचें नां तांच्यान.'

'हय. जी मोख हांव सोदतालों ती मेळ्ळ्या कशें दिसता. गांवभर सोदलें आनी शेजराच गावलें अशी परिस्थिती जाली म्हजी. आतां खंयच रावपाचें ना म्हाका. हांगाच येतलों. तुमी हुस्को करूं नाकात. पंदरा दिसां बितर येतांच हांव. आनी, जाणात तुमी, स्वामीनूय सांगिल्लें म्हाका.तुजी खरी जागा तुज्याच मनशांकडेन आसा म्हूण.'

जिवाक कसली तर हूरहूर लागली. बाबा दिल्लें उतर पाळटलो न्हय? काय ऋशिकेशाक वतकच सगळें विसरतलो? पूण दुसऱ्या मनान आश्वस्त केलें. ते खात्री दितालें, बाबा परत येतलोच म्हूण.

ते रातीकडेन सारखी न्हिदूच पडली ना. परत परत तेच विचार मनांत येताले. मदींच सामान सुमान घेवन परतल्लो बाबा आनी ताका येवकारपाक बांदावयल्यान धांवत सुटिल्लें हांव दिसतालें जाल्यार मदींच आपूण परत येवपाक शकना म्हूण बाबान धाडिल्लें पत्र वाचून तळयेकाठार रडत बसिल्लें हांव दिसपाक लागतालें. अस्वस्थ जावन हांव उठलें. रातीच्या त्या बिण्ण काळखांत रांदचे कुडींत गेलें. घटघट करून तांबयोभर उदक पिले. मागीर मामाचे कुडींत वचून जाग घेतली. बाबा सुस्त घोरेतालो. पांख्या वयल्या हारशांतल्यान आयिल्लें चान्ने ताच्या तोंडार पडिल्लें. त्या बांगरा सारख्या उजवाडांत ताचें तोंड पळयतना म्हाका जाणवलें, हो आतां कसोच पयस वचचोना. हांव परतलें आनी आमचे कुडींत आयलें. पांगरूण घेवन आजयेचे वेंगेंत रिगलें. तिने अर्दकुटे न्हिदेंतूच म्हाका सासपिलें आनी वेंगेंत ओडून घेतलें.

दुसरे दीस सकाळी हांव आनी बाबा बरोबरूच भायर सरलीं. म्हजी शाळा येतकच बाबान म्हाका परतून एकदां घट्ट धरलें. 'तू विचारचें ना, तरीय तुका उतर दीतां. ऋशिकेशाक रावलोंच जाल्यार एक रात. स्वामींच्या पायां पडटां आनी तसोच परतता. वाट पळय म्हजी'इतलें

उलोवन तो चलत रावलो. झपझप चलत रावलो. मोडणाचेर विरगळिल्लेवरी ताची मुर्त नाच जाली आनी हांवें शाळेचे दिशेन तोंड केलें. म्हज्यो मैत्रिणी तोंडार उत्सुकताय आनी प्रश्नचिन्नां घेवन रावल्यात म्हणपाचें म्हाका पयसुल्ल्यानूच जाणवतालें. म्हजो बाबा परत आयला आनी आतां तो म्हजो एकल्याचोच आसतलो हें म्हाका सगळ्यांक सांगपाक जाय आशिल्लें.

-¦--¦--¦-

प्रकरण – १४

'अरे, तुज्या मनांत कितें आसा तें तरी सांग मरे.'

'म्हज्या मनांत कांयच ना.'

'ना कशें? आवय तुजी हांव. तुज्या पायांत काटो मोडलो जाल्यार म्हाका दुखता. आनी तूं म्हाका कांयच ना म्हूण सांगता.'

'म्हजे हांतपांय धड आसतना सुनेचें तोंड पलोवंक दिवपाचें ना अशेंच थारायलां मरे तुवें?'

'तू कित्याचें कितेंय उलोवं नाका आं. गिरीजान आतां जी चली हाडल्या तिका हांवें पळयिल्लें ताच्याच देराच्या लग्नांत. व्हकलकारांकडे वाद घाल्लो तिणें तेन्ना पंगत वाडटा आसतना. असलें झगडाळ चली म्हाका नाका. आंकवार रावचो पडलो तरी चलता. पुण चूड दाखोवन म्हारू घरांत हाडचो ना हांव.'

आजी आनी मामा मदीं जुगलबंदी चलताली. हालीं असली जुगलबंदी आत्र्या पयन्यान जाताली. मामाक खंयचेय परिस्थितींत अंदू लग्न करतलींच म्हूण आजी पेटिल्ली आनी मामा तिणें हाडिल्ल्यो सोयरिको न्हयकारत सुटील्लो.

तश्यो सोयरिको येवपाक लागिल्ल्यो, हांव हांगा रावपाक आयिल्लें त्याच वर्सा सावन. म्हजो गिरीजाचो घराबो खुप व्हडलो. राजांगणाच्या तिच्या घरांत आनीक अकरा कुटुंबा रावतालीं. चलयांचो सुकाळ तांगेर. मावशेन आयिल्ले फावटीं खंयच्या तरी देराचे, बापोल देराचे वा नणंदेचे

चलयेचें टिपण हाडप आनी मागीर मावशी आमगेर आससर त्या टिपणाचेर खल जावप. मामाकडेन टिपण पावचे पयलीं आजी हुलु वरवीं दादा भटाक आपोवणे धाडटालीं. मामा घरा आसचो ना हें पळोवन ती ही कार्यावळ घडोवन हाडटाली. दादा भट येतालो तेन्ना एक लेगीत कामेरें कुळागरांत आसचें ना हाचीय काळजी ती घेताली. कामेऱ्यां एकाचें चार करून गांवार घालतात आनी मनोहराच्यो सोयरिकोच जायना म्हूण गांवभर सांगपाक तीं कशींच अनमनचीं नात हाची खात्री तिका आशिल्ली. देखून ती खुबूच काळजी घेताली. दादा भटान टिपण पलोवन चलयेची ग्रहदशा बरी आसा म्हणपाचो निर्वाळो दितकच ती मामाच्या फाटल्यान लागताली. चली पळोवन यो म्हूण . मागीर मावशेक पावोवपाचें निमित्त करून मामान पिरवळा वचप. ते दिसा आजयेक थार नासतालो. तिचो वेळ कसोच वचनासतालो. 'कितें बाये, रातूय जायना' अशें ती स्वताकूच तीन तीनदां सांगताली. कुळागरांत खुट्ट जालं जाल्यार धांवत पडवेर वचून मामा आयला काय हाची सुलूस गेताली. काळोख पडपाक मामा येतालो. ताचें तोंड पलोवन तिका अर्दो अदमास येतालो. पूण कितें जालें तें जाणून घेवपाची उमळशिकूय आसताली. मागीर तो च्या पितना हिणें भियेत भियेत विचारप, 'बरी नाशिल्ली?'

मामा मागीर कांय वेळ विचार केल्लेवरी दाखयतालो. आजयेक अशे तरेन हुमकळायत दवरप ताका आवाडटालें म्हूण तो तसें करतालो कांय उतरांची जुळवाजुळव करपाक वेळ काडटालो तें म्हाका हो वेळ मेरेन कळूं ना. पूण बरोच वेळ लावन तो जाप दितालो, 'ना गे, कांय खास ना.'

कांय फावटी ताची जाप आसताली, 'शारांचें वारें लागिल्लें चली मगे तें.तुज्या ह्या आडगावांत येवन कशें रावतलें? दुसरे दिसा, हळदीच्याच आंगांन वाट धरली शाराची जाल्यार म्हाका खांवक पुरो.'

मामाक सोयरिको न्हयकारपाक कारणांय साबार मेळटालीं. एकदां एके चलयेन फाटीर केंस मेकळे सोडले म्हूण ताणें ती सोयरिक न्हयकारली. ताका फॅशनी आवडनाशिल्ल्यो. आपल्याक कुळागरांत कल्लें घेवन शिंपपी बायल जाय अशें तो विचारतल्याक सदांच सांगतालो. आपुण आपलो

गांव सोडचोना. जाणटेल्यांनी वसयिल्लें कुळागर आनी शेतां भाटां सोडचोना. देखून हांगाच, ह्या गांवांत रावपाची तयारी आशिल्लीच चली जाय अशी ताची अट, न्हय हट्ट आसतालो.

सोयरिको हाडून पिरवळची मावसी थकली, पूण मामाक कोणूच मानवली ना. ताची एक आते भयण काणकोणां, खोला दिल्ली. तिणेंय कांय चलयो सुचयल्यो. मामा तांका मडगावां वचून पलोवन आयलो. त्योय ताका मावनल्यो नात. दादा भटाचें पुरोयतपण शेजारच्याय गावांत चलतालें. आजयेन थंयच्यानूय अदमास घेवन पळयलो, पूण मामाक चली कशीच मानवनाशिल्ली.

'बोरकारांचो वंश सोंपता दिसता म्हज्या फाटल्यान.'एकदां मामा कुशीक आसा अशें पळोवन आजयेन म्हणलें. मामान कितें तरी जाप दिवची हे अपेक्षेन ती पळयत रावली. पूण मामा ओगीच रावलो. एक व्हड आनी लांब सुस्कार सोडून आजी रांदचे कुडींत गेली. थंय पायांत घुटमळपी मांजराक तिणें तिडकीन खोंटायलें. शेपडी वयर काडून तें मांजर आंगणांत पळ्ळें आनी मामाच्या तोंडार हांसो फुटलो. मामा आजयेक पिकार करपाकूच सोयरिको न्हयकारता अशें त्या खिणाक तरी म्हाका दिसलें.

जे दीस मामाआपलो न्हयकार दितालो ते दीस आजी विरुस जावन ओग्गी ओग्गी रावताली. मात दुसऱ्या दिसा सावन ती नव्यान यत्न सुरू करताली. तीन वर्सां उपरांत गावांक जोडपी पूल जालो आनी फोंडे सार आमकां लागीं आयलें. आजी हरशीं वर्सांतल्यान एकदांच घरा भायर सरताली. तीय बी मायाच्या म्हयन्यांत, खारें उदक न्हावपाक. ते खातीर ती शिरदोना वताली. थंय तिचो एक बापोलभाव रावतालो. तागेर वचून चार दीस रावन, उदक न्हांवन येवप ही तिची वर्सुकी कार्यावळ. मागीर ती वर्सभर खंयच वचनाशिल्ली. दोतोराकडेन लेगीत वचपाची तिची तयारी नासताली. थंडी जोर सोडलो जाल्यार खर अशें खंयचेच दुयेंस तिचे वाटेक गेलें ना हें आमचें भाग्य. पूण पूल जालो आनी मामाक चली पळोवपाच्या निमतान आजयेन तीन फावटी फोंड्यां मारल्यो. ताचे फयलीं मावशेक सांगून ती मोटार थारायताली. धुल्लो उडयत ती

मोटार आमच्या गावांत येताली. तिच्या फाटल्यान गांवची पोरांसोरां धांवत येतालीं. आंगा वयल्या कपड्यांचेंय धंगण नाशिल्ल्या त्या भुरग्यांक गाडयेचें व्हडलें अप्रुप दिसतालें. गाडयेच्या हारशाचेर बशिल्ल्या धुळ्ळांत हाताच्या बोटांनी तीं वळी रेखतालीं.

इतलें जाता म्हणसर आजी येवनगाडयेंत बसताली. कोणूय त्या वेळार थंय पावलो जाल्यार ताणें विचारचे पयलींच ती जाप दिताली, 'पिरवळा वचून येतां. गिरिजाची मांय बरी ना खंय.'मावशेची मांय तशी घटमूट. आजये सारखीच. पूण आपूण चल्याची सोयरिक थारावंक वतां हें आजयेक कोणाक कळोवंक दिवपाचें नासतालें. देखून चलयेची मांय दुयेंत पडटाली.

म्हजे यादी प्रमाण मामाक एकवीस सोयरिको आयल्यो आनी मामान त्यो न्हयकारल्यो. पयलीं पयलीं मामा दिता तीं कारणां पट्टालीं. पूण मागीर तो दुसऱ्याच कारणाक लागून सोयरिक न्हयकारता अशें म्हाकाय दिसपाक लागलें. कितें आसूंक येता काय तें कारण?

आजयेची सहनशक्त सोंपल्या जावपाक जाय. त्या दिसा मामाक वदोवन घेतलीच अशें आजयेन थारायिल्लें.

'हें पळय मनोहर, हांव पुराण मतवादी न्हय. भायर कितें चलता ताची जाणविकाय आसा म्हाका. घरा भायर सरना तरीं तूं हाडटा तीं वर्तमानपत्रां वाचतां. तुजी भयण, बापोल भयणी येतात. तींय सांगतात, भायर कितें चल्लां तें. सवसार तुकाच करपाचो आसा. म्हजीं धा सोंपली. उरिल्लीं दोन खंयच्याय खिणाक आटोपतलीं. हांवें तयारीच दवरल्या. ताणें उलो घालो म्हणटकच हांव एक खीण लेगीत रावची ना. पूण वचचे पयलीं तुजो संवसार जाग्यार पडिल्लो पळोवपाचो आसा म्हाका.सुनेच्या हातांतल्यान गंगोदक पिवनूच मरतलीं हांव.

'आगे, कितें उलयतां तूं?'

'हांव सारखेंच उलयतां. पलतड म्हाका दिसपाक लागल्या. हांगा कोण अमरपटो घेवन येना. हांव वतलींच. पूण तुजें लग्न जाले बगर हालचीना.'

'जाणां हांव. देखुनूच तर लग्न जायनां. तूं सदांच जाय म्हाका.' मामान

...Foundation (R.) ★ Konkani ...
Mangaluru

हांसत हांसत जाप दिली.

'फकांडांचो विशय न्हय हो. तुजीय पिराय जावपाक लागल्या.'

'हय गे,केस पिकपाक लागले. आता कसलें लग्न करप?'

'तुका आतां स्पश्टूच विचारतां. कोणाचेर मन बी बसलां तुजें?'

मामा सावध जालो. ताणें आजयेचें तोंड बारीकसाणीन पळयलें.

'मन बसलां म्हणजे?'ताचो प्रतिप्रश्न म्हाका डळमळीत सो दिसलो.

'हे पळय, बोरकारांक काळा फुडें वचून करणी करपाची सवंय आसा. तुजो आजो आपले तिपोल भयणीकडेन लग्न जाल्लो. तुज्या बाबायचे एके बापोल भयणीन कराडे भटाकडेन लग्न केलें. आनीक एक तुजो बापोलयो जातीभायर लग्न जावपाचो पोलियो जावन हातरुणार पडलो आनी लग्नाचो उरलो. तुमकां, बोरकारांक संवय आसा ती. आनी तिचो वाण जर तुकाय आयला आसत जाल्यार म्हजी कांयच हरकत ना. तूं जो निर्णय घेतलो तो विचार करुनूच घेतलो हें जाणां हांव. कमरेचें सोडून कपलाक बांदपाक जायना इतलें तरी तुका शिकयलां हांवें. तेन्ना म्हाका कितें तें स्पश्टूच सांग. आयज हांवे मनाची तयारीच केल्या. कितलेंय कोडू विख आसलें जाल्यार तें पचयतलींच आयज हांव.'

'तुजी आयकुपाची खऱ्यानीच तयारी आसा?'अकस्मात मामाचो सूर बदललो.

'हय, आसा. उलय तूं.'आजीय ठाम आशिल्ली.

'आता नाका.घरांत ल्हान भुरगें आसा. ताचे मुखार तो बोवाळ नाका.दनपरां उलोवया. मागीर मात म्हाका दोश दिवं नाका तूं.'अशें म्हणून मामान त्या संभाशणाचेर पड्डो उडयलो. हांव निरशेलें. दनपरां हांव गणितां सोडोवपाक हलगेकर गुरुजीगेर वतकच तो आजयेकडेन उलयतलो आसिल्लो. हांव तंय आसतना मामाक तो विशय वाडोवपाचो नाशिल्लो. कित्याक काय? अशी खंयची गजाल मामाक म्हजे परसून लिपोवपाची आशिल्ली?

हांव खुबूच अस्वस्थ जालें. सुरंगां भाटांत आयिल्लें तेन्ना सावन मामान म्हाका आईची माया आनी बापायची सावळी दिल्ली. म्हजो आवय आनी बापूय जावन ताका म्हजे परसून कितें तरी लिपोवन दवरचें अशें

दिसलेंच कशें? तकलेंत तिडक उसळ्ळी. सरळ पिशवी घेवची कपड्यांची आनी बाबा फाटोफाट ऋशिकेशाक वचचें अशें दिसपाक लागलें. तीन चार दीस जाल्ले तो गेल्यार. अर्दे वाटेर पावला आसतलो. हांवें बेगोबेग गाडयो धरल्यो जाल्यार फाट धरूं येता ताची.

पूण वाटेंत साणलें जाल्यार? कोणेंय उखलून बी व्हेलें जाल्यार? तेवटेन खंय भुरग्यांक धरतात आनी तांचे दोले काडून बीक मागपाक बसयतात.

घर सोजून वचपाचो बेत हांवें मनांतल्यान काडून उडयलो. पूण बाबा येतकच दुसऱ्याच दिसा मामाचें घर सोडपाचें आनी वचून बाबा बराबर मांगरांत रावपाचें अशेंय थारायलें. मामान म्हजो अपमान केला अशें हांव परत परत म्हज्या मनाक सांगपाक लागलें.

रांदचे कुडींत आतां स्थीरस्थावर जाल्लें. आजी आपल्या कामांत घुस्पून गेल्ली. हांव वचून थंयच पाटार बसलें. तिका सहानभुती दाखयली जाल्यार सांजे घरा येतकच म्हाका ती कितें घडलें तें सांगत काय?

'आजये, मामा असो कितें गे?'बरोच विचार करून हांवें आजयेक विचारलें.

'असो म्हणजे कसो गो?'शिताचो दवलो धरिल्लो हात कमरेर दवरीत तिणें म्हाकाच प्रश्न केलो.

'तें हेदोळचें गे. तेन्नाच तुका सांगपाक कितें जाल्लें ताका? वेळ कित्याक लायता तो?'

आजयेचें तोंड तांबडेंच जावपाक लागलें. तिका राग आयिल्ल्याचें हें लक्षण. हांव पाटा पयल्यान उठले, पूण आजयेचीं फुलां म्हजेर पडलींच. 'तुका कोणें सांगलां चोंबडेपण करपाक? नाका थंय नाक कित्याक घालता तूं? अभ्यास ना तुका? लाग चलूंक हांगासरलें.'तिचो आवाज वाडून तो मामा मेरेन पावतलो आनी म्हाका भायरूंय भायरी मेळटली हें वळखून हांव तंयसावन सटकलें. आतां म्हाका आजयेचोय राग आयिल्लो. बाबा येतकच ह्या घरांत खिणभर लेगीत रावपाचें ना अशें हांवें थारावन उडयलें.

दनपरां तिनाक हलगेकर गुरुजीगेर गेलें तरी म्हजें लक्ष घरा कडेनूच

घुटमळटालें. ते तंद्रेक लागून गणितां चुकलीं. केन्ना न्हय ते गुरुजी म्हजेर तापले. चित्रा सायत सगळीं भुरगीं हांसली. म्हाका लज जाली. पोल्यावयल्यान हून हून दुकां देवलीं. आयज सगळेकडेन म्हजो अपमानूच जातालो. गुरुजींक म्हजी मनस्थिती कळ्ळी आसपाक जाय. ताणीं म्हाका आपल्या घरांत वचून उदक पिवपाक सांगलें. हांव भितर वतकच म्हजे फाटोफाट ते भितर आयलें. म्हाका उदका बराबर कितेंय खावपाक दी म्हूणताणीं बायलेक सांगले. म्हज्या जिवाक बरें ना, तेन्ना हांवें काय वेळ थंयच बसून मागीर भुरग्यांबराबरूच घरा वचचें अशें ताणी सुचयलें. म्हज्या मनाक ती सहानभुतीय आतां पेलना जाली. परतून पोल्या वयल्यान तीं हून दुकां गळपाक लागली.

तीनसांज जाता म्हळ्यार हांव सावरलें. तोंड धुवन चित्राच्या सांगातान घरा आयलें. आजी निरांजन घेवन तुळशी म्हऱ्यांत येताली. हांवें बारीकसाणीन तिच्या मुखामलार नदर बोंवडायली. कितें जालां आसतलें काय? पूण तिणें रोखडेंच तोंड दुसरे दिसेक व्हेलें. कसल्योच भावना तिच्या तोंडार दिसनाशिल्ल्यो. कितें लिपयता काय म्हजे पासून?

मामा घरांत नाशिल्लो. तो मुद्दाम गेला आसतलो काय, आजयेकडेन झगडून बी?

'मामा खंय गेला गे?' बरोच वेळ वाट पळोवन आनी धीर एकवटावन हावें आजयेक विचारलें.

'कित्याक गो? कसलें काम आसा मामाकडेन?' तिचो प्रश्न अनपेक्षित आशिल्लो. असो परतो प्रश्न ती केन्नाच विचारी नाशिल्ली. कितें आसा ती जाप दिवप ना जाल्यार आपल्याक खबर ना म्हूण स्पश्ट सांगप हो तिचो सभाव.

'आगे, कांय गणितां आयज जमलींच नात म्हाका. गुरुजीकय बरीं येनात तीं. मामाक बरीं जमतली.' म्हजी फटास आजयेक कळची न्हय म्हूण मनांतल्या मनांत वाटाऱ्याक पायां पडलें.

'तो देवळांत गेला.शेतकारांची बसका आसा खंय. येवपाक आठ वरां जातलीं म्हूण सांगलां. येतकच विचार ताका कितें तें' आजयेन जाप दिली. पूण तिचो आवाज सुको सुको सो दिसतालो. म्हाका फाटलें

फुडलें कांयच विचारी नासतना ती रांदचे कुडींत वचून कितें तरी करपाक लागली. तिका भायर येवपाचें ना अशेंच चित्र दिसतालें.

कितें तरी घडलांच, हावें म्हाकाच सांगून उडयलें.

मामा बरोच उशीर करून आयलो. तोय ओगी ओगीच दिसतालो. हात पांय धुवन तो देवाक पायां पडलो आनी सालांत वचून व्होल्तेरांत बसलो. दोळ्यांमुखार वर्तनामपत्र धरिल्लें. ताका लागून ताचे दोळे म्हाका दिसना जाले. आजी कॉफी घेवन आयली. मामाच्या कुशीक आशिल्ल्या मेजार तिणे तो पेलो दवरलो आनी मोन्यांनीच भितर गेली. ती वतकच बऱ्याच वेळान मामान तो पेलो तोंडाक लायलो. मागीर ताणें परत वर्तमानपत्रांत तकली घाली. इतलो वेळ ताणें म्हजीय वासपूस करुंक नाशिल्ली. म्हजो दुबाव वाडलो. पूण विचारतलें कोणाक?

जेवणाचीं ताटां मांडून मामाक उलो घालप ही आजयेची आयज मेरेनची पद्दत. पूण आयज बरोच वेळ रांदचे कुडींतल्यान फकत ताटां दवरल्याचोच आवाज येतालो. आपोवपाक नाका म्हूण आजी परत परत ताटाचो आवाज करताली जावंये. निमाणेकडेन मामा उठलो. 'चल गो, जेवया.' अशें म्हणत ताणें म्हाका साद घाली. चोपडी सकयल दवरून हांवूय बेगोबेग उठलें आनी ताचे फाटोफाट रांदचे कुडींत गेलें. आमकां पळोवन थंयच बशिल्लें आजयेन ताटांत शीत वाडले. हुमण आनी तोंडाक वाडलें आनी ती उठली.

'मयुरी, फाटल्यान कितेंय जाय जाल्यार आपल्या हातांनी घे वाडून. आनी मागीर तपलें तोप धांपून थंयच दवर. ताटां, पेले उखलून मोरयेंत दवर. म्हजी तकली उसळटा. हांव आड पडटां मातशीं.'अशें उलोवन ती भायर वचपाक लागली.

'आनी.जेवची ना तर तूं?'रावं नजो जावन हांवे तिका विचारले.

'म्हाका भूक ना'अशें म्हणून ती तरतरीत भायर गेली हांवें मामाकडेन पळयलें. मान सकयल घालून तो भकाभक जेवतालो.

रांदचे कुडींतलें सगळें जाग्यार घालून हांव आजये म्हऱ्यान येवन हातरुणार पडले. वण्टीकडेन तोंड करून ती पडिल्ली. ती न्हिदूंक ना म्हणपाचें म्हाका जाणवलें. ल्हवूच एक हात तिचेर उडयलो. कितलेय

न्हिदेंत आसली जाल्यार हांवें तशें करतकच ती तो हात धरताली आनी म्हाका लागीं ओढून घेताली. मात आतां तिणें तशें कांयच केलें ना. तशीच फाट करून पडून रावली.

न्हीद म्हाकाय पडनाशिल्ली. विचारांचो लोट मनांत व्हांवपाक लागिल्लो. मदींच आजी उठली. उसातळाक आशिल्लो बॅटरी दिवो घेवन ती कुडींतल्यान भायर गेली. दोळे टक्क उगडे दवरून हांव पळोवंक लागलें. कुडींतल्यान भायर वचनाफुडें ती डावे वटेन वळ्ळी. मात्शें तर उजवे वटेन आशिल्लें. मागीर, आजी तेवटेन कित्याक गेली? थंय मामाची कूड. ती मामाकडेन उलोवपाक तर वचूंक ना न्हय?

म्हज्यान हातरुणांत रावं नजो जालें. ल्हवूच उठलें आनी आजयेच्या फाटोफाट वचपाक लागलें. आजी मामाचे कुडीच्या दारा मुखार वचून उबी रावली. वण्टीच्या आडसान हांव पळोवपाक लागलें.

'मनोहर...'आजयेन उलो घालो.

'कितें?'भितरल्यान मामान जाप दिली. तोय न्हिदूंक नासिल्लो तर.

'तुवें थारायलां ते निमाणें मरे?'

'हय, तें आनी तेंच. म्हाका दुसरो विचार लेगीत करपाचो ना.'

'बरें तर'अशें म्हणत आजी परतली. धांवतूच हांव हातरुणांत रिगलें. रांदचे कुडींत खुडखूड जाल्ल्याचो आवाज कानार पडलो. मागीर परतून बॅटरी दिव्याचो उजवाड. आजी परतल्ली. लामणदिव्यांतली वात सारखी करून ती आयली आनी हातरुणार लवंडली. आतां तिचो फुडो म्हजेकडेन ज़ाल्लो. कपलाचेर आडवो हात दवरून ती पांक्याकडेन पळयत कांय वेळ तशीच रावली आनी मागीर तिणें दोळे धांपले. तिका पळयतां पळयतां न्हिदेन म्हाका केन्ना गाठलें तें म्हाकाय कळ्ळें ना.

दुसरो दीस आयतारचो आशिल्लो. उठपाक मातसो कळावूच जालो. हांव उठ्ठा म्हणसर आजी आनी मामाचीं कामां सोंपिल्लीं. सुपारी सोलपाक कामेऱ्या आयिल्लीं आनी आजी तांका च्या दिताली.जनीन तळयेवयल्यान आयदनां घासून हाडिल्लीं. आजयेच्या आंगार आशिल्लें न्हेसण मात सदचें नाशिल्लें. नवेंच म्हळ्यार नवें न्हय अशें. केन्नाय, देवळांत बी वतना ती तें

न्हेसताली.आयज हें न्हेसण शें काडलां हीणे? खंय वता काय ही? मामाचेर रागार बी जावन वचना मू? साबार प्रश्न मनांत आयले. पूण विचारपाचो धीर जालो ना. रात्रीर शिताचें आदन दवरिल्लें दिसलें आनी मातशी थाकाय मेळ्ळी. वचपाचेंच आसा जाल्यार आजी शीत कित्याक रांदतली आशिल्ली?

'बेगीन न्हावन तयार जा. आमकां भायर सरपाक जायफ आजयेन म्हाका पळयतनाच हुकून सोडलो.

'खंय वचपाचें? पिरवळा? हांवें उत्सुकतायेन विचारलें.

'पिरवळा? कितें आसा थंय? आमकां हांगाच वचपाचें आसा, गावांतूच.'आजयेचे जापेन गुढ वाडले.

न्हांवन धुवन हांव तयार जालें. सदचोच व्हिस्तीद घालो आनी केस वळयले. तोंडाक पावडर लावन आजये भोंवतणी घुटमळपाक लागलें.

'आतां पुस्तक घेवन बस, वचपाचो वेळ जालो म्हणटकच उलो मारतां तुका. चल!'आजयेन फरमायलें. विरूस जावन हांव सालांत वचून बसलें, आंगणांत कामेऱ्यांच्यो गजाली रंगांत आयिल्ल्यो. मदींच मामाचोय आवाज कानार पडटालो.

बऱ्याच वेळान आजी सालांत आयली. पदराक हात पुसत तिणें म्हणलें, 'चल या!'

मोन्यानीच तिचे वांगडा हांव चलपाक लागलें. आंगण हुपतना कामेऱ्यां आमकां पळयत रावलीं 'येवं गे वांगडाक?'जनीन विचारलें. आजयेन हांसून मान हालयली. 'वांगड गो कित्याक जाय. चार पावलांचेरूय तर वतां. आनी हो एदो व्हडलो वांगड आसा तो.'अशें म्हणत तिणें म्हजे कडेन बोट दाखयलें. आमी वचपाक लागलीं.

'आतां तरीं सांग मगे, खंय वचपाचें तें,'हांवें काकुळटेक येवन म्हणलें.

'गावणेकारागेर'तिणें जाप दिली. गाणवेकारागेर? ताणें बी सोयरिक हाडल्या काय कितें मामाक? तश्यो ताचेय बायलेन दोन सोयरिको हाडिल्ल्यो, पूण मामान सदाचें भशेन त्यो भायरायिल्ल्यो.

आजयेक कितेंच विचारपाची सोय नाशिल्ली. 'म्हाका वाटेर कांयच

विचारपाचें ना आं. कितें जाता तें पळयत रावपाचें.' तिणें भायर सरतानाच सांगिलें. हांव मदीं मदीं तिचें तोंड पळोवपाचो यत्न करतालें. कसलो तरी ठाम निर्धार करून ती भायर सरल्या म्हणपाचें जाणवतालें. पूण कसलो.

आमच्या नशिबान वाटेर चड लोक मेळ्ळे नात. ना जाल्यार आजी घरा भायर सरल्या हाचेंच गावांक अजाप जावपाचें. कांय वेळान आमी गाणवेकारागेर पावलीं. दत्तू पडवेरूच बशिल्लो. आमकां पळोवन ताणें आवयक उलो घालो आनी धांवत तो आमकां येवकारपाक आयलो. फाटोफाट ताची आवय. आजी आनी आपल्यागेर आयल्या हाचें अजाप तिच्या तोंडार स्टश्ट दिसतालें.

लक्तुबायेन ती आजयेक घरांत घेवन गेली. आमकां पिवपाक उदक दिलें. फळये वेल्या पितुळच्या डब्यांतलो रव्याचो लाडू काडून म्हाका खावपाक दिलो आनी ती शिरो करपाच्या बोवाळाक लागली. मजगतीं, तिच्यो आनी आजयेच्यो हेवटेनच्यो ते वटेनच्यो खबरो चलताल्यो. तिचें एक आका आजयेच्याच कुटुंबांत दिल्लें. सोयऱ्यांची गजाल आयली म्हणटकच आजयेची रसना व्हांवपाक लागता हो म्हजो अणभव. पूण आयज आजी खुबूच उणी उलयताली.

'मयुरीची बाई खंय दिसना...' आजयेन विशयांतर केलें. इतलो वेळ हांवूय बाईक विसरिल्लें. म्हजे म्हाकाच खावपाक शें लागले, लजूय दिसली

'प्रमिल आसतलें माळयेर. फाल्यांच्या वर्गांची तयारी करता आसतलें, ना जाल्यार कितें तरी शिंवता –भरता आसतलें. तें एक पिशें बाये ताका. वेळ मेळ्ळो म्हणटकच एक तर शिंवता, ना जाल्यार विणटा, ना जाल्यार भरता. पूण ओग्गी म्हूण कशेंच बसना. इतलेंच करून घरांतलें म्हजें अर्दें काम आपुणूच करता,' दत्तूची आई कौतुकान सांगताली.

आजयेन कांयच जाप दिली ना.

'कशें एकेकल्याचें नशिब आसता, पळयात, गळ्यांत माळ पडली आनी अर्दवर जावचे पयलींच ताच्या घोवाक पाखल्यांनी उखल्लो. तो परत आयलोच ना. आयली ती ताची मेल्ली कूड. घोवाचें तोंड लेगीत जाणें सारखें पळोवंक नाशिल्लें ताका विधवा म्हूण जीण जियोवची पडली.

दुर्देव म्हणटा तें हेंच न्हय तर कितें' ?

'आतां कितें विचार आसा तिचो? अशीच रावतली?'आजयेन आनीक कांय खिणांचे शांताये उपरांत विचारलें.

'ताच्या मना सारखो कोण मेळटलो आतां? फकत चौवीस वर्सांची पिराय. पूण येतात त्यो पन्नाशी हुपिल्ल्या म्हातान्यांच्यो सोयरिको. त्योय बी वंशाक दिवो जाय, जाणटेपणांत आदार जाय अशें सांगत. हाका तो आपलो अपमान कसो दिसता. दोन चार सोयरिको आयल्यो आनी हें म्हजेरूच बेजार जालें. आपूण जाण्टें जातकच तुमचेर भार घालचें ना. वृद्धाश्रमात वचून रावतलें अशें सांगून आपल्या लग्नाचो विचार करूंक नाकात म्हूण धमकायलें आमकां,'दत्तूची आई सांगताली. परत बरोच वेळ शांततायेंत गेलो. दत्तूचे आईन केल्लो शिरो आमच्या मुखार दवरलो.

'मयुरी, वचून बाईक आपय मुगो तुज्या. शिरो खावपाक यो म्हूण सांग.'आजयेन सुचयलें आनी हांव फुट्ट करून उठलें. माळयेर वच जाल्यार बाई खन्यानीच मेटीचेर भरीत बशिल्ली. म्हाका पळोवन सदाचे वरी गोड हांसली. म्हजे बराबर आजी आयल्या म्हूण कळनाफुडें ताकतिकेन उठली आनी सकयल आयली. आजयेचे कुशीक पाट घेवन बसली आनी तिचे भलायकेची चवकशी करपाक लागली. आजयेच्या पावलांक शिंयांच्या दिसांनी कातरे पडटाले. ताचेर बाईन वखद सांगिल्लें. ते करता काय ना म्हूण तिणें चवकशी केली. बागवून आजयेचीं पावलां निरखिलीं आनी आजी वखद करीचना म्हूण निर्वाळो दीत तिचेर मात्सो आवाजूय वाडयलो. आजी तोंडाचें बोळकें दाखयत हांसली.

'करतां गे बाये वकद तुजें. म्हाका वेळ खंय मेळटा? फातोडेर सुरू जाता म्हजो दीस तो मध्यान रातीर सोंपता. वेळ मेळूंक नाका?'आजयेन आपल्या घाळपणाचें समर्थन केलें.

'तशें जाल्यार हांवूच येवन लायतां तुमच्या पायांक ते वखद. दिसांतल्यान दोनदा लावपाचें. एकादां सकाळी येतां, आनी मागीर सांजे वेळार शाळा सुटली म्हणटकच. म्हजीय पासय जातली.'बाईन तिका जाप दिली.

'तुका आमगेर येवपाक आवडटलें? प्रस्न विचारतना आजयेचो

सूर बदललो म्हणपाचें म्हाका जाणवलें.

'आवडटलें म्हणचे? मयुरी बरें नाशिल्लें तेन्ना येवन रावंक ना तर हाव तुमगेर?'

'ती दोन दिसांची खबर.हाव सदां खातीर म्हण्टा' आजी उलयली आनी पुराय रांदची कुड अजापान तिचे कडेन पळयता अशें म्हाका दिसपाक लागलें. दत्तूची आई आनी बाईचें तोंड तर उकतेंच उरलें.

आजी दत्तूगेर आयिल्ली ती बाई खातीर तर. म्हणचे मामाक.. मामाक बाई कडेन लग्न...?

अजाप, खोशी आनी मामा विशींच्या अभिमानान काळीज भरून आयलें.

'कितें उलयतात तुमी? हांव कोण तें खबर आसा न्हय तुमकां', बाईन आजयेक विचारलें.

'म्हाका खबर आसा आनी मनोहराकूय खबर आसा. दाडेक धरिल्लें म्हजो पूत केन्नाच सोडीना. ताका तुजे कडेनूच लग्न जावपाचें आसा. ना जाल्यार तो आंकवारूच रावतलो. आनी म्हाका म्हज्या दोळ्यां मुखार कुटुंबाचो निर्वंश जाल्लो पळोवपाचो ना. मनोहर काळाच्या फुडलें पावल मारपाक सोदता हें हांव जाणा. पूण अश्यो गजाली आतां जातल्योच. आनी त्यो जावपाकूच जाय. निर्दोश मनशांक नशिबाच्या हातांत काडून दित करूंक नाशिल्ल्या गुन्यावाची ख्यास्त बोगूंक लायतना आमीय चिंतपाक जाय. आमचें थारलां, निर्णय आमी घेतला. आतां तुवें तो घेवपाक जाय. ते खातीर हांव हांगां आयल्यां. चल्याची आवय म्हूण तुका मागपाक आयल्यां.' आजी एका दमात उलोवन गेली.

बरोच वेळ किण्ण शांतताय पातळ्ळी. दत्तूची आई तर कांयच उलोवपाचे परिस्थितींत नाशिल्ली ती आळीपाळीन आजी आनी बाई कडेन पळयताली. म्हज्या दोळ्यां सामकार लग्न जावन आमगेर आयिल्ली बाई दिसपाक लागली.

'म्हाका विचार करपाक आयचो दीस दिशात?' ते शांततायेचो भंग करीत बाईन विचारलें.

'एका दिसान जग बुडचें ना. फाल्यां सांग म्हाका. पूण तुज्या

मनांत दुसरो कसलो विचार ना मुगो?' आजयेन तिका विचारलें.

'दुसरो कसलो विचार? ना तशें कांयच ना. भाग्य म्हाका पळोवन खूब वर्सांनी हांसलां तें कळटा म्हाका. पूण तुमच्या चल्याक खूब बऱ्यो आनी आंकवार चलयो मेळटल्यो. ऊस गोड लागलो म्हूण मुळा सकट खावचो न्हय.'

'इतेंच मुगो? मागीर विचार बी कांयच करपाची गरज ना. तुजी मान्यताय आसा म्हूण सांगतां हांव मनोहराक. ताका लग्नाचो थातोमातो नाका. आमगेरूच भटाक आपोवन घरचे घरा करपाचें. तशीं सोयऱ्या धायऱ्यांक चड येवचीं ना. आमचे पांय अजुनूय पुराणांतूच घुसपून उरल्यात न्हय गो.'

अशें म्हणत आजी उटली. तिणे दत्तूचे आवयचो निरोप घेतलो. ती अजुनीय त्या धक्क्यांतल्यान सावरूंक ना म्हणपाचे जाणवतालें. हांवें बाई कडेन पळयलें. तिका मामी म्हूण उलो घालपाची इत्सा दाटून आयली काळजांत. पूण आजयेक राग बी येत म्हूण हांव मोन्यांनीच तिचे सरीं गेलें. बाईच्य दोळ्यांक धारो लागिल्ल्यो. सकयल बावगत तिणे आजयेचे पांय धरले आनी ती हुमसू हुमसून रडपाक लागली. आजयेन तिका वयर उखल्ले आनी आपले वेंगेंत घेतले. बरोच वेळ तीं दोगांय एकामेकांच्या वेंगेंत उरलीं. बाईच्या दोळ्यांक लागिल्ल्यो धारो मेकळ्या मळबाची सुलूस दिताल्यो.

-'--'--'-

प्रकरण - १५

'तुमच्या समोर आहे विस्तिर्ण, मोकळे क्षितिज. तुमच्या पंखात अमर्याद उर्जा आहे. तिच्या योग्य तो वापर करा आणि त्या क्षितिजाचा वेध घ्या. मनात इच्छा असली की काहीच अशक्य नसते हे ध्यानात ठेवा...'

हेडमास्तर हलगेकरांची उतरां कानार पडालीं. तातुंतलीं कांय काळजांत झिरपतालींयबी. पूण मन मात त्या सुवाळ्याक सोडून भूतकाळांत वचून पांय रोमून बशिल्लें.

सातवेची परिक्षा तोंडार आयिल्ली. आमचे खातीर निरोपाच्या सुवाळ्याचें आयोजन केल्लें. त्याच सुवाळ्यांत हेडमास्तर उलयतालें. परिक्षा सोंपतकच आमचो शाळे कडलो संबंधूय सोंपपाचो. पूण अशे तरेन म्हूण संबंध सोपोवं येता? घटमूट जाल्ली नात्यांची वीण अशी सोंपेपणी तोडूं येता?

चित्रांची एक सलग वळेरीच नदरे सामकार नाचपाक लागली. शाळेंत वचना म्हूण रडत बशिल्ले हांव दिसपाक लागलें. म्हाका आज्याचे मायेन सांबाळपी राणे मास्तर दिसपाक लागलो. दनपारच्य कडार चिचे बोटां ना जाल्यार राज आंवाळे खावपाच्या नादांत उसरां शाळेंत पावपी म्हज्यो इश्टिणी दिसपाक लागल्ये. वतांत तापिल्ल्या नळ्यांपोंदाक तितलोच आवाज तापयत गायिल्ल्यो कविता स्मरपाक लागल्यो. मास्तरांचें रागार जावप, समजावप, इश्टिणी कडलीं झगडीं, सरस्वती, पूजनाच्या वेळार

पावसान कुंद जाल्ल्या वातावरणांत भरून राविल्लो उजवातीचो धुंवर, शियांच्या दिसांनी वतां सोदीत आनी कुडकुडत शाळेंत वचप....

हें सगळें सोडून वचप कशें जमतलें. ह्या सगळ्या घडणुकांत तर म्हज्या अस्तित्वाक आकार दिवपी शक्त आसा. कशें पयस करप हे शक्तीक?

पूण वचपाक तर जायच आशिल्लें. मुखा वयलो वर्ग हांगा नाशिल्लो. चडशी भुरगी मुखार शिकपाच्या मनस्थितींत आशिल्लींच. सातवी जाली म्हणचे खूब जालें अशीच तांच्या आवय-बापायची धारणा. पूण कांय जाणांक आपल्या भुरग्यांक मुखार शिकपाक धाडपाचें आशिल्लें. आतां तर इश्कोलूच आमकां तेंकून आयिल्लें. शेजारच्या गांवांत पादऱ्यांनी इश्कोल सुरु केल्लें. थंय म्हज्या वर्गांतले चले आनी चलयो धरून अकरा जाणां वचपाचीं आशिल्लीं. पूल जाल्ल्यान आतां भंय नाशिल्लो. अंतर मात इल्लेशें चडूच आशिल्ले. त्या नवख्या इश्कोलाविशीचें विचार अदींमदीं मनांत येताले. जमतलें काय म्हजे कडेन इंग्लिशींतल्यान शिकप? थंय लज जावची ना मू?

पूण उमळशिकूय आशिल्ली. बाबान परत येतना म्हाका सायकल हाडिल्ली. तशी ती हाडिल्ली आपले खातिरूच. पूण म्हजी शिकपाची उमेद पळोवन म्हाकाय ताणें ती बेगोबेग शिकयली आनी म्हजे शिकून जातकच आतां हीच गेवन वच स्कुलांत!'अशें सांगून म्हाका खोशयेचे तेंगशेर व्हरून बसयिल्लें. चित्राक फाटल्या ब्रॅकेटाचेर बसोवन हांव पुला वयल्यान सायकल घेवन वतां आनी गांवांतले लोक म्हाका पळोवन तोखेतात. हे चित्र तर परत परत दोळ्यां सामकार येतालें.

सायकल शिकून जातकच हांवें आजयेक घेवन पासय मारपाची थारायिल्ले. पूण आजी कशीच तयार जाली ना. हांवें तिका तरातरांनी समजायलें. जाय जाल्यार फातोडेर पासय मारूया म्हूण सांगलें. पूण ती कशीच बधली ना.

हालींसराक म्हाका आजये विशीं इल्लें चडूच दिसपाक लागिल्लें. वचून तिचे कुशींत रिगचें आनी वरभर तिचे पुडीच्या वासान भरिल्ले उश्ण श्वास माथ्यार घेवचे अशें परत परत दिसतालें.

कित्याक जाता काय अशे? आजी आतां पयस रवता म्हणू?

हय! आतां आजी आमचे बराबर रावनाशिल्ली. तशें म्हणचे परस आमी म्हळ्यार हांव आनी बाबा मामागेर रावनाशिल्ले. आमी सुरंगा भाटांतूच रावताली. पूण बाबान मामागेर रावपाक न्हयकार दिल्लो. आजयेन आनी मामान ताका परोपरीन सांगून पळयलें. पूण आपूण ह्याच गावांत रावता हाचेर तांणी खोशी आसपाक जाय अशें सांगून बाबान गावांतूच दुसरें घर पळयलें. दिवाकर शेणवीलें तें घर . ताचो चलो दिल्ली आसतालो. ताका घराची कुयदाद घेवप जमनाशिल्लें. गिरायक पळोवन विकतलों म्हूण मामाक आयिल्ले कडेन बाबान आयकलें आनी घर विकत घेतलें. शजांगणांचें तें घर सोबितूच आशिल्लें. भोंवतणचें पोरसूं मात झिळींनी भरून गेल्लें. बाबान पयलीं पोरसाक हात घालो. आमी त्या घरांत रावपक वचचे पयलींच पोरसांत परत फुलांचीं झोपां धोलपाक लागिल्लीं.

बाबा म्हाका घेवन वेगळो रावतालो हें आजयेक मात कशेंच रुचूंक नाशिल्लें. मामाचें लग्न जायसर म्हणजे मायाचो म्हयनो लागसर तरीं आमी थंयच रावचें असो निमाणो हुकूम तिणें काडलो. तितले म्हणसर ती म्हाका रांदपाक शिकयतली आशिल्ली. तशी म्हाका पेज करपाक येताली. शीत वाळपाक, कडी पिळपाकूय शिकिल्ले हांव. हुमण, भाजी मात येनाशिल्ली. तें सगळें शिकपाक दोन म्हयने खूब जालें, तेच मजगतीं, म्हाका गोडशीं करपाकूय शिकपाक जाय अशें सांगून आजयेन बाबाक आडावन दवरलें. बाबा सकाळी शेतांत आनी भाटांत वतालो तो दनपरां जेवपाक घरा येतालो. परत तिनांक आसा तसो दोंगरार वतालो. गांव सोडून गेल्ल्या तीन कुटुंबां कडेन उलोवणी करून ताणें तातुंतल्या दोगांची आस्पत विकती घेतिल्ली जाल्यार तिसऱ्याची कसोवपाक कंत्राटाचेर घेतिल्ली. मामान ताका पयशे दिल्ले. ते गेतना सुद्धा बाबान करार करून घेतिल्ले. मामाक तें मानवूंक नाशिल्लें. पूण बाबा आस्पतीक लागून नातें इबाडचें न्हय ह्या मताचो आशिल्लो. ताणें ल्हान करार करून मामा कडल्यान पयशे घेतले, ते पयले तो ज्युरासयत मामाक परत दितलो आशिल्लो.

आजयेन तेन्ना सावन म्हाका रांदचे कुडींत शिकोवपाक सुरुवात केली. आपूण जें कितें सकाळीं रांदताली तातुंतलोच थोडो जिन्नस ती

म्हजे खातीर काडून दवरताली. शाळेंतल्यान येतकच इल्लीशी सोय घेवन ती म्हाका वांटपाक लायताली. मागीर हुमण वा रोस करपाक लायताली. आपलें करप आनी म्हजें करप हांवेंच खावन पळोवपाचें आनी शिकपाचें अशी तिची तरा. तिच्या हाता सकयल शिकपाक वेळ लागलो ना. म्हयन्या भितरूच हांव जेवण रांदपाक शिकलें.

मामाचें लग्न व्हडा दबाज्यान बी करपाचें ना हाचेर तशें सगळ्यांचेंच एकमत आशिल्लें. दुसरें लग्न जावपी बायल ही तशी सोंपपणी पचपाची गजाल न्हय. पूण मामान केन्नाच दुसऱ्यांक कितें पचता ताचेर आपले निर्णय घेवंक नाशिल्लें. आपल्या लग्नाचे बाबतींतूय तो ठाम आशिल्लो. कोणाक सांगनासतना घरचे घरा लग्न करपाचें ताणें थारायिल्लें. पूण ताचो हो बेत गांवांत कळ्ळो आनी साबार जाणांनी ताका हटकिलो. 'आमकां मात विसरू नाका आं.'अशें विनयतल्यांचो आंकडो वाडलो आनी मामान सांगून लग्न करपचो निर्णय घेतलो. त्या लग्नाची तयारी आजी आपले परीन करपाक लगिल्ली. परिक्षा सोंपून ज्युस्त म्हयन्या भरांत मामाचें लग्न, म्हजी बाई मामी जावन येतली.

आजयेची समजूत घालून पाडव्याच्या म्हुर्तार आमी, म्हळ्यार हांव आनी बाबा आमच्या नव्या घरांत रावपाक गेलीं. त्या घरांत पावल दवरतना बाबाचे दोळे दुकांनी भरून आयले. ताणें उदेंत कडेन पळोवन हात जोडलें. 'तुजे आवायक पांयं पड गो, बाय. तिका सांग, अशीच आमच्या फाटल्यान रावपाक,'ताचो आवाज कसो तरीचं जाल्लो त्या खिणाक हावेंय आसमांतले खोलायेक म्हज्या हड्डुयांत रिगयत हात जोडले ते खोलायेंत खंय तरी म्हजी आई हांसत हांसत बापूय आनी धुवेच्या ह्या नव्या संवसाराचेर आपलो आशिर्वादाचो हात भोंवडायता आसतली हेविशीं म्हज्या मनांत दुबाव नाशिल्लो.

'परिक्षेला आतां केवळ आठवडा राहिला आहे. एप्रिल संपता संपता तुमच्या मनावरचे ओझे उतरणार आहे. पण त्याच बरोबर एक जबाबदारीची नवी जाणीव तुमची सोबत करणार आहे. या जाणिवेला तुमचा पुढचा प्रवास सुखाचा व्हावा अशा शुभेच्छा तुम्हाला मी शाळेच्या वतीने देतो धन्यवाद!. भाशण सोपोवन हेडमास्तर सकयल बसले आनी

5777
N-KON (D)
5777 KON

ताळ्यांचो कडकड जालो. हांव भानार आसलें.

सुवाळो सोंपिल्ला. 'चल या मुगो' म्ह[illegible] म्हजे कुशींत कोपर धोंगशितालें. भरून आयिल्ले दोळे हांवे ताच्याच नकळत पुसले आनी सकयले मानेन घरची वाट धरली. एक प्रवास सोंपाक आयिल्लो आनी दुसरो सुरू जावपाचो आशिल्लो एक पर्व सरपा कडेन पाविल्लें आनी दुसरें उदेवपाचे तयारेक लागिल्लें.

\-\-*

सौ. ज्योती कुंकळकर

ज्योती कुंकळकर यांची साहित्य संपदा

कोंकणी

१) चित्रांतले वादळ	(कथा संग्रह)
२) मुक्ता	(पटकथा)
३) कर्तृत्वी कन्या	(मुलाखत)
४) पाशाण कळी	(कादंबरी)
५) कन्यादान	(कथा संग्रह)
६) प्रेमपत्री	(कविता)
७) समर्पण	(कथा संग्रह)
८) वेंचिक पुंडलिक	(संपादन)
९) कथा करंड	(संपादन)
१०) मयूरी	(कादंबरी)

मराठी

१) रंगतारका	(मुलाखत)
२) फाशी	(एकांकिका)
३) अभिनय कन्या	(मुलाखत)
४) स्त्री मंगल सावधान	(लेख संग्रह)
५) शिखर कन्या	(मुलाखत)
६) पाजाण कळी	(कादंबरी)

अणकारीत

१) अगणातल्यो मनभुलोवक्यो काणयो
२) बराक ओबामा
३) मन भुलवण्यो काव्यो
४) पानगळीचो सळसळ
५) कळमेल्ली तलवार
६) मुलगी आहे विशेष
७) आगतूक

अक्षरमेध प्रकाशन
हिलव्यूह अपार्टमेंट, फ्लॅट नं. एफ. २,
न्यू के. टी. सी. बस स्टँण्डजवळ, शापूर, फोंडा,गोवा - ४०३४०१.
मोबा. नं. ९८२३८१३०३९, ९०२८३१२९३२, ९४२२९७५७५३